# विल्फी रेबिंबसाच्यो वेंचिक कथा



आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# विल्फी रेबिंबसाच्यो वेंचीक कथा

## मोटव्यो काण्यो

– विल्फी रेबिंबस

**Wilfy Rebimbsacheo Vinchnnar Kotha** - *A collection of Konkani short stories written by* ***Wilfy Rebimbus****, transliterated, edited by* ***Valley Quadros*** *and digitally published by* ***Ashawadi Prakashan****.*

(C) REBIMBUS FAMILY, Jeppu Mangalore

First Edition : 2021

Layout : Assisi Press, Mangalore

Pages : 116

Price : Not for sale.

*For communication* **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# धिन्वास तुमकां

डिजिटल बुकाच्या तयारायेक कुमकेचो हात दिल्ल्या तुमकां समेस्तांक धिन्वास.



१. मायकल डी’सोज आनी कुटम, दुभय.
२. लारेन्स विनोद बारबोज आनी कुटम, युके.
३. मोनिका डे’सा मथायस आनी कुटम, डबलीन.
४. लिनेट डी’सोज आनी कुटम, मुंबय.

# मांडावळ


- अक्बारागीं उलयिल्ल्यांक .......................... 4

1. पिंत्रां ........................................................ 9
2. मूगुती ...................................................... 27
3. फातिमाचें काजार .................................... 71

# अक्बारागीं उलयिल्ल्यांक

'अषटमी परबेक आनी कासीम सायबाक कसलो संबंध?' हेंच सवाल तुका धोसुंक पुरो ह्या बरवपाचें तकलेनांव वाचताना. पूण मात्सो वेळ काडून हें पुर्तें वासचें तशेंच समजुंचें सयरण घेतलें तर अपशेंच समजतलें म्हळ्ळो म्हजो भर्वसो.

२००४ इस्वेंत कुवेयटांतल्या 'अखील भारतीय लेखकांच्या एक्ताराचो जेराल काऱ्यदर्शी' जावन आसलेवेळार, कुवेयटांत आयोजीत केल्ल्या एका 'कवितापाठ' अध्ययनाक डोग्री भाशेच्या एका जाणत्या बरवप्यान म्हाका "कोंकणी म्हळ्यार कसली भास?" म्हण विचारलेल्या ताका दिल्ली म्हजी जाप जावनासली; "कोंकणी एका ल्हान समुदायान उलंवची पूण एक राश्ट्र भास". हाका जवाब जावन तो म्हणालो; "संख्यान ल्हान समुदाय तर व्हड न्हय पूण चिंत्पांत प्रभुद्द आसुंक जाय".

तर ल्हान चिंतप म्हळ्यार कसलें? जशें कुंकडान अपल्याच पांयांपंदा उसतुंचेपरीं, फकत 'हांव, म्हजें, म्हजीं' म्हळ्ळ्या भृमिदेंत जियेंवचें. इतलेंच न्हय; खंयचर हांव ना, थंयचर कितेंच ना म्हळ्ळीं पिसांट तत्वांक मांदचें. वीपऱ्यास म्हळ्यार हें कोंकणिच्या वर्तुलांनी दिसून येंवचें एक अडहूक सत. असल्याच चिंत्पाचे संघटनांनी, संस्थ्यांनी हुद्देदार जाले तर त्या भाशेक दुस्रें दळदीर गर्ज ना. आनी त्या दळदीरपणाक लागून कोंकणी भाशेचे जायते कोंकणी सोडन गेल्यात. नांवांची प ी लांब आसा; गिरीश कार्नाड आसूं, ना.डी'सोज आसूं, जयवंत कायकिणी आसूं. हीं सर्व फकत कोंकणी म्हणून बोसतीं तर भारत देशाक ज्यें योगदान हाणीं दिलां तें मेळतेंगाय म्हळ्ळें वेगळें प्रश्न. पूण थोड्यांनी फकत कोंकणिंच अपलो संसार कसो केला आनी त्या थोड्यां पयकिंतलो एकलोच विल्फी रेबिंबस म्हणच्याक ताणें बरयिल्ल्यो थोड्योच काणयो गवाय.

विल्फी रेबिंबसाच्यो काणयो कोंकणी अध्ययन कर्च्या पुसतकांनी आसुंक जाय आसल्यो, नांत, कश्यो आसच्यो जेदनां ल्हान चिंत्पाचीं च्यार बोडां मेळून ’अपूण, अपणाचीं, अपणाचो फायदो’ चिंत्पाभायर चिंतची श्याथी नासच्यां थावन आनी कसल्याची अपेक्षा करुयेता? तेच चिंत्पाक लागून राज्याचें नेमाळें जावनासलें राज्याचें हास्य जालां. आतां नेमाळीं चलयतेल्यांची गत अशी तर असल्या नेमाळ्यांनी छापून येंवचें ’साहित्य’ कितल्या पांवडाचें म्हळ्ळो अंदाज करुयेता. आनी ह्या म ाच्या नेमाळ्यांक वर्गणी भांदून वाचुंक कितें लोकाक पिसो पेटो चाबला? हें चिंतप आटंवची भोव गर्ज आसा.

हाचें मूळ कारण कसलें?

हें प्रश्न आमी कर्ची गर्ज आसा. मूळ कारण एकच; जांव गोंयांत, जांव मुंबंयत, जांव मंगळुरांत वा हेर प्रांत्यांनी सयत हीच कथा व व्यथा. सगळे अपणाक अपूणच महान चिंत्पी/साहिती/कवी म्हळ्ळ्या भृमिदेंत वेसत आसात. ताका पुर्ते एकामेका पाट खोर्पुंचे पाटलावदार (ईब्टटब्तीज्डी), आनी तांच्या एका सुक्या लेंडियेक सयत हजार लैक दिंवचीं सोशियल मीडिया तशेंच ह्या सुक्या लेंड्यांक सयत धुंपंवचीं संघटनां आनी असल्या संघटनां थावन असल्यांकच पुरसकार म्हणताना तुमिंच चिंता. उलयिल्लेपरीं ना; आमी चळवळेकार, आमी केळेकरासवें काम केलां, आमी र.वी.पंडितासवें काम केलां हीं गोंयचीं गाजवणी तर; आमी चा.फ्रासवें काम केलां, आमी विजेपी, जोसा अलवारिसासवें काम केलां म्हळ्ळें मंगळुरांत गाजवणी तर; आमी जिएंबी रोड्रिगसासवें काम केलां म्हळ्ळी मुंबयची गर्जण आनी दाकवप आयकताना म्हाका कित्याकगी ही कथा यादिंत येता;

एका गांवांत एकलो जाणतो आसलो (जेराल रितीन जाणतो म्हळ्यार मंगळुरांत जाणा+तो म्हळ्ळो अर्थ जाता तर गोंयांत प्रायेसत म्हणून जाता) आनी हो जाणतो प्रायेसत (च्यार गाडवाची प्राय म्हणा) आनी हो अपणालागीं उलवंक आयिल्ल्यांक दिंवची जाप एकच; "तुमकां कितें कळीत आसा?

तुमी जाणांत हांव कोण म्हळ्ळें?, हांव अकभरालागीं उलयिल्लो मनीस, देकून म्हाका मऱ्याद दिया". अशें दीस गेल्लेपरीं लोकांनी ताका मऱ्याद दीवंक धरलें.

कांय तेंपा उपरांत त्या गांवाक बगलेच्या गांवचो एकलो जाणतो येवून "तुमच्या गांवांत म्हाका पळेवंक विशेस म्हळ्यार कितें आसा?" म्हणून विचार कर्ताना एकल्या दोगांनी त्या जाणत्याक जाप दिवून म्हळें "तुवें आमच्या गांवच्या एका जाणत्याक मेळुंकच जाय, कित्याक म्हळ्यार ताचेलागीं अकभर राजा उलयला".
आयकून जाणतो अज्यापून विचारी; "अशें?, बरें म्हाका ताचेलागीं व्हरा"
लोकांनी ताका ह्या जाणत्यालागीं हाडतच, ताची वळोक धरून तो जाणतो विचारी; "अरे, तूं?"
ताचें सवाल आयकून लोक विज्मीत पावलो आनी विचारिलागलो "तुमी हाका व्हळकतात?"
"खंडीत व्हळकतां, कांय तेंपाधीं अकभर आनी बीरबल ह्या गांवांतल्यान पाशार जाताना, तांच्या रसत्यार आड आयिल्ल्या हाका अकभरान सांगलें 'अरे पिश्या, रसतो सोड'"

ह्या पिश्या जाणत्याच्याच कुळियेची कोंकणी पर्जा अजून आमचेभंवारीं भरल्यात; अपूण कोंकणी भाशेचे राकण भडवे (ऊव्चिडीजतचिटी ंटीञ्ज्ट) म्हणून दांग्रो मार्चे हे खरे अर्थान दल्लाळ भडवे (ठत्प्ठील), आनी कोंकणी भास हांकां दंदो करुंक आनी तुटाफुटी करुंक. अरे बाबा; केळेकरासवें जांव, पंडितासवें जांव, चा.फ्रा, विजेपी, जोसासवें आनी जिएंबिसवें काम केल्ल्यांनो; तांचें कितलें तुमी वाचलां? कितलें तुमच्या कट्व्यांत गेलां? कितलें तुमी शिकल्यात? आनी कितलें तुमच्या जिवितांत/कर्नेंत तुमी पाळतात तें विचारा.

कोंकणी भाशेची ग्रेसतकाय फकत एका राज्यांत, एका लिपियेंत, एका बोलिंत आसची न्हय; कोंकणी एक जागतीक भास आनी ह्या दिशेंत आशावादी

प्रकाशन कामामुखांत्र उलवन आयलां आनी हेंच उलवणें आमी कामां मुखांत्र उलवनच वेतेल्यांव. डिजिटल शेतांत कोंकणिंतलें रोंचिक साहित्य आमी घेवन येताना एक संगत महत्वाची; ’कोंकणी कोणाक धर्म आनी कोणाक कर्म’, म्हळ्यार; कोणाक कोंकणी एक मिसांव तर कोणाक दुडू कमांवची एक वाट. डिजिटलीकरणाच्या मिसांवांत आमी प्रामुख्यता दिंवची पयल्या वर्गाच्या पूण उत्तीम साहितिंक मात्र म्हळ्ळें सुडाळ उत्रांनी सांग्तां.

विलफियाबाच्यो कथा कांय तीस वर्साधीं वाचल्ल्यो पूण आज पऱ्यांत त्यो कथा यादिंत खंचल्यात; ’पिंत्रां’ जांव, ’मूगुती’ जांव, वा ’फातिमाचें काजार’ व हेर. पूण ह्या कथेंक तुमिंच वाचून पळेया आनी तुमिंच ह्या कथेंविशीं सांगा. विलफियाबान केदनांच अपूण एक कवी, अपूण एक कथाकार म्हणून बडाय उलयिल्ली ना. विल्फी रेबिंबस एक भोव संवेदनात्मक मनीस आनी ह्या महान मानेसताक भोव लागशिल्यान मेळून, समजून आयिल्लों जाल्ल्यान हाणें बरयिल्ल्यो कथा अध्ययन करुंक तशेंच २००४-५ इस्वेंत हाची ’मूगुती’ कथेक पयलें डिजिटल माध्यमांत (दायज.कोमचेर) परगट कर्ताना विलफियाब आमचेसवें आसलो. आतां विलफियाबाच्यो कथा कन्नड, नागरी आनी रोमी लिपियेंनी लिपियंतर करून ई-बुकां रुपार जागतीक कोंकणी वाचप्यांक पावंवच्या वेळार विलफियाब आमचेसवें नां पूण ह्या कथेंरुपांनी तो खंडीत अमर विल्फी जावन आमच्या काळजा-मनांनी आसा आनी सदांच आसतलो.

**वल्ली क्वाड्रस**

संपादक, पयणारी

*WhatsApp*: +91 7021967880

# पिंत्रां

म्हाका मेनेजराचो हुद्दो दीवन मद्रासाक वर्ग केल्ली खबर म्हज्या बोसा थावन आयकाताना हांव शिरीं चुकलों. हुद्द्याची आशा आसल्ली तरयी मद्रास वेचें नाका आसल्लें. एकाच हप्त्याचो वायदो आसल्लो तो जागो घेवंक आनी एकाच दिसाचो वायदो हावें जवाब दीवंक.
म्हजी जाय वा नाका – ही मनस्थिती पळेल्लो म्हजो ईषट लोरी व्हडल्यान हासलो. "च्यार पांयानीं धांवाजाय आसल्लें तुवें, हुद्दो मेळताना तूं इतलो पाद्देताय कित्याक?" म्हणालो लोरी म्हजे तमाशे करून. पूण म्हजे कषट तोय जाणासल्लो. म्हज्यो खासगी गजाली हावें ताचे एकल्याकडे मात्र सांगच्यो आसल्ल्यो. कित्याक एदोळी आंकवार हांव.
हांव तमीळ, तेलुगू जाणां म्हळ्ळी संगत म्हज्या मेनेजराक कळीत आसल्ल्यान हो सुटवंक जायनासचो पास म्हज्या गळ्याक आर्नाल्लो. म्हजो बापय सरतच, पदविदारन जावनासल्ली म्हजी आवय एका ओक्ताचे कंपनिंत कामाक सेरवाल्ली. अशें त्या कंपेनिच्या मद्रास शाख्याक तिका वर्ग जाताना सात वर्सांच्या म्हाका आनी तीन वर्सांच्या भयणीक घेवन ती मद्रास जियेल्ली जाल्ल्यान हैसकुलाचें म्हजें शिकाप थंयच मुगदाल्लें. त्या उपरांत तिणे मंगळुराक वर्ग मागलो. मद्रासांत शीकल्ल्यो तमीळ आनी तेलूग भासो कालेजिच्या शिकपावेळीं म्हाका उपकारल्योनांत तरयी म्हज्या मेनेजराक त्यो आतां म्हाका मद्रासाक वर्गायसुंचाक फायद्याच्यो जाल्ल्यो.
"तेदी खंची व्हड संगत म्हण तूं तकली आटायताय?" म्हणालो लोरी व्हडल्यान हासोन. हांव उलयलोना. उपरांत तोच म्हणालो, "रोबी, तुवें क्रिसतांव जावन जल्मोंच्या बदलाक ब्राह्मण जायजाय आसल्लें. म्हाका कळतात तुजे कषट...."
ताणे सांगच्यांत सत आसल्लें. म्हज्या उडासा पर्माणे ल्हान थावन्ंच एका विचित्र कालेतिचो जावन हांव व्हड जाल्लों. मास–मासळी हांव खातालों

म्हज्या अवयन आनी भयणीन रांदून दिलें तरच म्हाका तें वर्गातालें. पूण हेरांच्या हातानीं रांदल्लें वा होटेलांतलें म्हज्या जिवाक बिल्कूल वर्गानातलेंच न्हय, त्या विश्यांत चिंतानांच म्हजी कूड कांटाळताली–आजूनी तसेंच. हांव जाणा ही म्हजी चूक म्हळ्ळी, पून खंच्या रितीनयी नियंत्रणाक हाडुंक जायनातल्ल्या ह्या म्हज्या संयभनिमतीं हांव असल्या संग्तिनीं सलवतां.
म्हजें घर, म्हजी आवय, म्हजी भयण – हांकां मात्र म्हजी कूड पात्येता व तांकां आयकाता म्हण हावें म्हण्येत. हाका बुन्यादी थावन कितें तरयी कारण असल्लें जाव्येत, म्हज्या उडासांत तें ना. म्हज्या उडासा पर्माणे आदीं थावन हांव म्हज्या घरांत शिवाय पर्क्यांगेर जेविना, खायना आनी एक घोट उदाक सयतयी पियेना. कोणी कितेंय चिंतुंदीत. दाक्षेणेक लागोन हावें दोन तीन पावटीं प्रयत्न केल्लेंय आसा. ह्याच म्हज्या इषटा लोरिगेर – ताच्या एका भुर्ग्यांचें पिल्याद जोडल्लें हावें. ओत्तायेक लागोन जेवणाक बसचें पडलें. ताचो माल्गडो पूत पांच वर्सांचो, तोय आमच्ये संगीं मुकार बसल्लो. ताच्या नाकांतल्यान वोंठा पऱ्यांत किर्मे देंवतालें. शी... तें हातानीं घषटून मेजा वयल्या आयदानांक ताणे हात घाल्ताना कितलें दांबून धरल्यारी सोसुंक जायनासतां, पोट आडवळोन हांव तांचे नाण्येक धांवल्लों. लोरीक हावें आक्मान केल्ल्यापरीं भगलें आसतेलें, पून आसलीं घडितां म्हजे थावन उद्देशपूर्वकीं घडनांत तें हावें ताका विवर्सून सांगलां. वाटेर म्हेळकुव्या भिकारयांक पळेतानांय म्हाका वोरोड येता. अफीसाचे वाटेर आंगलें उकलन बसच्या नेणत्या भुर्ग्यां थावन हावें दम्म बांदून पाशार जांवचें...
एक पावटीं आमच्या घरांतय आसेंच घडलें. म्हजी आवय बोरी नातल्ली. म्हज्या भयणीक परिक्षा आसल्ली. मांयच्या हिशारयाखाल घरांत एकली मातारी रांदताली ती खबर म्हाका कळीत नातल्ली. त्या दिसा जेवणाचेर मुगदाल्ले कडियेखातीर हावें भयणीक उलो दिलो. बोशियेक कडी वोतच्या त्या म्हेळकुव्या एरेल्ल्या हाताक पळेवन घाबारलों आनी दीषट वयर केली. तें तोंड तीं बोटां नाक्ष्यानीं भरोन भरोन आसल्लें सयत म्हज्या दोळ्यानीं रिगलें. तिच्या हातानीं रांदल्लें तीन दीस कळीत नासतां जेवल्लों हांव. ह्या तिनी दिसांचे आतां एकाच्चाणे भायर घालें.

म्हज्या हे कालेतीक लागोन लोरी म्हाका सदां पुर्पुर्ता. पूण हांव खंच्याय रितीन ही म्हजी पिडा गूण करुंक सकलोंना. तर मद्रासांत हांव कशें जियेंव? म्हजी भयण हांगाच मेडिकल शिक्ता. ताचे खातीर म्हजे आवयन घरा रावाजायीच. भयणीक होसटेलांत विलेवारी करयेत तरयी तें म्हाका मेचवना. म्हज्या आवयकयी तशेंच म्हणताना म्हजी वाट हावें एकल्यान्‌च पळयजाय. ना तर मेळल्लो हुद्दो सांडिजाय. चिंतुंक चड वेळ नातल्लो. चड चिंतुंक लोरीन आवकासयी दिलोना. लोरीन उटाउटीं ताच्या मद्रासच्या एका इष्टाक पत्र बरवन म्हाका वर्ग कर्च्या बेंका लागसारच म्हजे वसतेची बंदोबसत केली.

वर्ग घेंवचे आदीं हावें तीन दिसाची रजा घेतली आनी मद्रासच्या नव्या बिडाराक नव्या वसतुंच्या तयारायेक लागलों. म्हजी मांय म्हाका जायित्तें समजायताली. तिचें सर्व सार्कें म्हण हावें मांदलें, तरयी मद्रासांत हावें एकल्यान कसें रांवचें तें म्हज्या मतीक गेलेंना. घर्च्या कामाक हांव एका मनशाक तलास करून दितां. थोडे दीस कषट जातेले तरयी उपरांत सवयेर पडतेलें. म्हळ्ळ्या लोरिच्या हिशारयाखाल घर्च्यानीं खाल्तिमान घाली. म्हजी ओप्पिगी लोरी विचारीच नातल्लो म्हण्यां.

ह्या नंतर भायर सरच्या आदल्या दिसा पर्यांत लोरिचो पत्तो ना जालो. मसत सामान व्हरुंक आसल्लो जाल्ल्यान हावें एक व्याक्षीच भाड्याक केल्ली. भायर सरचे दिसा व्याक्षेर समान भरून जाता वरेगय लोरियी आनी ताचो मनीसयी ना. म्हजी आवय आनी भयण म्हाका आदेवस मागोंक आंगणांत रावल्लीं. त्याच वेळा एक भुर्गो आमची गेट उतर्न भितर सरचो हावें पळेलें. ताच्या हातीं वसतुराची पोटली आसल्ली. पयले पावटीं पळेतानांच एक थरशें भगलें म्हाका. तांबशे काळें तोंड, उज्वो दोळो आर्धो धांपल्लो आनी त्या दोळ्यांदेगेन पिंत्रां, लांब नाक, नाकाच्या पोंतारच म्हळ्ळेबरीं दिसचे ते दाट वोंठ – असल्या जीविंक पळेवंकच म्हज्यान जायना. प्राय १६ – १७ जातीत, मटवी चड्डी ताणे घाल्ली. ताचें तें शर्ट, ताणे इजार घालां वा ना म्हणचे तितलें लांब आसल्लें. 'होच कांय लोरीन धाडल्लो मनीस न्हयमू?' हावें दुबांवचे भितर तो पाद्देत्त म्हज्येलागीं आयलो आनी हातांतलो कागदा कुडको ताणे म्हाका ओड्डायलो. लोरिचेंच कागत तें.

मोगाच्या रोबी,
घरांत दोगां भुर्गीं तापान निदल्यांत, म्हजी येज्मानय तापान आसलेली, मांद्रेक शेवटाल्या, देकून ह्या दिसानीं तुका मेळोंक जालनां. घर्च्या कामाक मनीस करून दितां म्हण तुकावें भासायिल्लें. हो भुर्गो सुलभायेन मेळ्ळा. ताची आवय सरल्या. बापय दूसऱ्यापणाक काजार जाला. कामान बुध्वंत म्हळ्ळी खबर आसा. तुज्या घर्च्यांक उपकारतोलो. जेवाण खाण वचोन महिन्याक ४० दितां म्हण ताचे मावशेक सांगलां हावें. तुका बरें पयण तशें सुखी जिणी आशेतां.
तुजो विश्वासी,
– लोरी.

पत्र मडचून हावें ताचेर दीषट घाली. ताणे म्हाका पळेवन दांत सोडले. ताचो दाव्ये कुशिचो एक दांत पंग्ते थावन वयर आसल्लो. आनी तो एकदम हळदुवो आसोन, पळेताना 'डाकुला'चो उडास आयलो. त्या धांपल्ल्या दोळ्यांतलीं 'पिंत्रां'. हें सक्कड पळेतां म्हाका कांटाळो आयलो.
साकाळीं उटोन तोंड धुवंक नांये तुवें? विचारलें हावें रागान. चेर्क्यान तकली पंदा घाली आनी उज्व्या हाताचे ताळवेन दोळ्या देगेचीं पिंत्रां पुसलीं. म्हाका कितेंय चिंतुंक वेळ नातल्लो.
एका वोरा थावन ड्रायवर बोबाटतालो. मांयकडे बेसांव मागोन, भयणीक उमो दीवन, हांव पाटले सिटीर बसलों. कालुबुलो जावन दांत किरलून आसल्ल्या चेड्याक ड्रायवरान ताचे कुशीक बसयलें.
आतां मद्रासांत म्हजें करंदायेचें जिवीत सुरू जालें. एका सन्वरा रातीं आमीं पावल्ल्यांव. आयतारा घर ओत्तारे दवरुंक जालें. भायर सर्ताना मांयन बांदून दिल्लीं केळीं आनी थोड्यो वसतू आसल्ल्यो. त्योच खेल्यो. चेड्यान दिल्ली काफी आपडुंक मन जालेंना. दवरिल्ले कडेन निवतच ताणेंच उडास केलो, तरयी हावें जवाब दिलिना. इक्रा वोरारशें ओत्तारे कर्च्या इड्यांत तो परत उलयलो.
'कितें रांदूं बाबा'?

म्हाका कांय नाका म्हळें हावें, चेडो चिंतुंक पडलो.
दोन वोरां भितर सगळें काम तिर्सालें. परत च्यार केळीं खावन कुडांत निदलों. सांजेच्या पांचांक जाग जाताना म्हाका उडास – चेड्यान आपल्या पोटाक कितें खेलेंगाय?. मेजार दवरल्लीं केळीं तसेंच आसल्लीं. एका वाटेन म्हाका भिर्मतय दिसली. मद्रास येंवचे वाटेन ताका आनी ड्रायवराक होटेलांत जेवंक पयशे दितालों. आनी हांव मांयन बांदून दिल्लेंच खावन बसतालों.
'तुवें पोटाक घालांयगी ना'? विचारलें हावें गंभीरायेन. ओगोच रावलो तो. 'आयकालनांवे तुका'? म्हज्या रागाच्या ताळ्याक व्हय म्हणालो तो. मेजा वयलीं केळीं मेजलीं हावें. दोनपरां आक्रेच्या खांदाचीं च्यार मात्र काडल्लीं हावें. आतांयी तो तसोच आसल्लो. म्हजी दीषट आशी घुंवताना चेडो म्हजे दोळे चुकवन भितर गेलो. 'कस्स' जालें म्हज्या पोटांत. चेडो बहुशा सकाळीं थावन उपाशीं आसा.
'सांजेक कितें रांदताय'? विचारलें हावें. भितर गेल्लो तो आतां म्हजे मुकार उबो जालो. वीस रुपय काडून मेजार दवरून विचारलें. 'बाजाराक वेची वाट जाणांयगी'?
'येतानांच हावें पळेल्या, हेच वाटेर आसा' म्हणालो तो.
'कितें हाडताय'?
'सांग बाबा' ताणे तकली उकल्लिना.
म्हाकायी ताचे दांत आनी दोळ्याचीं पिंत्रां पळेवंक नाकासल्लीं.
'रांद्वाय हाड, आनी कितें गर्जेच्यो वसतू जाय त्यो घेवन ये; नालायवे तूं आज'? ताणेंच रांदचे तें चिंताना हें सवाल आपापिंच म्हज्या तोंडांतून गळ्ळें.
चेड्यान तकली उकलून कुशीन दीषट वेली आनी परत आपल्या उज्व्या हाताचो ताळवो उज्व्या दोळ्यालागीं वेलो. आनी त्या धांपल्ल्या दोळ्या देगेन घषटिलो. एक थरशें भगलें म्हाका.
'पळे, म्हाका हऱ्येक नितळ आसोंक जाय, तुवेंयी. हांव होटेलांतलें जेविना. नितळ रांदाप मात्र हांव जेवतां. त्या देकून तुवेंयी नितळ उरोंक प्रयत्न कर्चें', म्हळें हावें दम्म बांदून. एदेशा चेड्या कडेन उलयताना अशें कित्या ताळो

बांदता तें मात्र म्हाका समजालेंना. ताच्या कुरुपाये वर्वीं म्हजी पिडा व्हड जाल्ल्यानगी?

रातीं जेवणाक उटचे पयलें हावें घ ` निचेव केल्लो. आज थावन म्हजे ह्ये संयबाचे सवयेक सलवतलो म्हण. चेड्यान एक पावटीं उलो दिल्लोच हांव उटोन जेवणाक गेलों. जिम्म जालें म्हाका मेजार मांडून दवरल्ली रीत पळेवन! म्हजी मांय सयत मेजार इतली नितळाय वापारिनातली कोण्णा. क्याबेज सुकी केल्ली आनी तांत्यां भाजल्लीं. डिशां सगळीं उजळतालीं. चेडो कुशिन्‌च रावला तें सुसतालें म्हाका. ताचें तोंड पळेल्यार संयबीक सवय जागी जायत म्हळ्ळे भिरांतेन तकली पंदा घाली आनी जेवंक सुरू केलें. बरी भूक लागल्ली जाल्ल्यान घड्येन जेवाण संपलें. हात धुवन कुडाक गेलों.

जेवंक कषट जातीत म्हण चिंतल्लें हावें, पूण तशें घडलेंना. देकून मतीक समादान भगलें. मेजा वयली नितळाय तसें रुचीक रांदाप हेंच हाका कारण म्हण लेकलें हावें. फुडेंय म्हजा जिवाची असकत्काय अशीच निवार देवा म्हण मागलें. निदोंक वेळ आसल्लो जाल्ल्यान वाटेर घेतल्लें एक मेगजीन सोडवन बसलों. अर्ध्या वोरार दारार ठोके पडले. आनी दार आर्धेंकुरें उगतें जालें.

"कितें जाय" विचारलें हावें

"हांगासर घर्च्या दारारच दूद विकुंक येता, वोडोल तूं निदोन आसल्लोय देकून विचारुंक जालेंना. हावें हफ्त्या लेकार सकाळीं सांजेर एकेक लिटर घेवंक सुरू केलां".

"बरें केलेंय" म्हळें हावें तकली उकलनासतां. "फाल्यां सकाळीं पयशे दितां घराक कितें सर्व जाय तें तुवेंच समजोन घेजाय, म्हाका लेख दिल्यार जालें".

"जायत बाबा" म्हणालो तो. उपरांतयी तो थंयच उबो आसचो समजोन हावें ताचे´शीं दीषट घाली. आतां म्हाका उडास आयलो "तुजें नांव कितें"? एदोळी तें म्हाका कळीत नातल्लें.

"जेरोम बाबा, आदलो धनी म्हाका जेरू अशें आपयतालो".

"थंयसर कित्याक काम सोडलेंय तुवें"?

"तो सरलो बाबा. बाबा उपरांत धनीन तिच्या पुता सर्शीं इंगलेंडाक गेली".

"हो..." उदगार सोडलो हावें. "जायत वच तूं आनी निदे. फाल्यां सकाळीं म्हाका उटंवचें नाका. तुवें उटोन तुजा कामाक लागल्यार जालें. सकाळिंचें म्हाका पेजेची सवय, तोंडलावंक कितेंय जाता – गर्ज पडल्यार गांवा थावन हाडल्लें लोणचें आसा, तें दवर".
"जायत बाबा" म्हणालो तो आनी दार आड करून चल्लो.
थोड्याच मिनुटानीं दार परत उगतें जालें.
"हांव विचारुंक आयिल्लों दुस्रेंच. रातीं निदचे आदीं दूद पियेंवची सवय आसामू बाबा"? चेड्यान तकली दारा भितर हाडली.
"व्हय" म्हळें हावें.
"त्याच खातीर हावें सांजेर एक लिटर घेतल्लें, हाडतां बाबा" म्हणात दार वोडून चल्लो तो.
'चेडो जाव्येत...' चिंतलें हावें मतिंतच. 'पळेवंक विद्रूप तर कितें करयेता, देवाची चूक ती. चेड्या विशीं म्हजा मतिचें समादान लेकून म्हाका संतोस भगलो. मद्रासांत हावें चिंतल्ल्या तितले कषट जायशेनांत म्हण धयर भगलें. हांव वाचून असतानांच परत दार उगतें जालें आनी जेरू दूदाचो ग्लास घेवन आतां उज्वाडांत मेजा सर्शीं आयलो. म्हज्या उज्व्या कुशिच्या मेजार ग्लास दवर्ताना हावें ताचेर दीषट घाली. आर्धो धांपोन आसल्लो ताचो दोळो आतां कुशी थावन पुर्तो धांपल्ल्यापरीं दिसतालो आनी उज्वाडांत सार्कीं दिसतालीं तीं दोळ्याक मांडल्लीं पिंत्रां. कांठळ्यान आनकिटी मुदो जावन गळ्याक आयिल्ल्याबरीं भगलें म्हाका. ताच्या तोंडावयली दीश्ट काडून मेजार घाली, दाव्या हातान मेज पुसून ताणे उज्व्या हातांतलो ग्लास मेजार दवरलो. ग्लास धुताना हात भीजल्लो आसतलो. उदकाची शेळ ताच्या हातांत आजूनी आसल्ली. ग्लास दवर्तानांच ताच्या उज्व्या हाताच्या बोटा थावन एक थेंबो त्या दूदांत पडचो रूपरूप दिसलो. दार वोडून जेरू चल्लो.
एदोळ खबर नातल्ली म्हजी सवयेची ताड–वोड आतां प्रारंभ जाली. त्याच उज्व्या हातान तो पिंत्रां पुसतालो आनी त्याच हाता थावन गळल्लो उदकाचो थेंबो त्या दूदांत भर्साल्लो... म्हजीं चिंत्ना बळ जालीं त्याच हातानीं ताणे रांदल्लें, थोड्या वेळा'दीं हांव जेवल्लों. चिंता चिंता म्हज्यान तडवुंक जालेंना. पोट म्हजें भरोन आयलें आनी घड्येन दार उघडन न्हाण्येक पावलों. पोटांतलें

सर्व वोंकोन गेलें. दोळ्यानीं दुखां देंवतालीं. कषटानीं तोंड धुवन हांव कुडाक आयलों.
मदल्या कुडांत आड पडल्लो जेरू मांद्रेर बसोन म्हाकाच पळेता तें समजालें. तरयी ताचेर दीषट घालिनासतां, शीदा कुडाक रिगलों आनी दार घालन, हांतुळणार पडोन, वोल मात्याक वोडून दोळे धांपले.
दूसऱ्या दिसा जाग जातासतां सूऱ्याची किर्णा भितर तिळतालीं तितलेंच. पंद्रा मिनुटां हांतुळणारच उरलों वयल्या फेनाक दीषट जोकून. आदले रातिचीं घडितां एका पाटापाट एक मती पडद्यार उदेतानांच हांतुळना वयलो एकाचफाणे उटलों. म्हज्या मुकल्या मेजार आदल्या दिसाचो दूदाचो ग्लास तसोच आसल्लो. वेळ काडिनासतां हांव न्हाण्येक गेलों आनी सकाळिंच्यो गर्जो तिर्सून कुडाक येतासतां दूदाचो ग्लास जाग्यार नातल्लो. बदला मेजार च्हा दवरल्ली. दुस्रें कितेंय येंवचे आदिंच हावें गानां गावंक सुरू केलीं आनी वसतूर बदलून, केस बी उगवन सालाक आयलों. पेपर तयार आसल्लें. जेरुच्या बुद्वंत्कायेक मेचवालों. अर्ध्या वोरान जेरून आपयलें "बाबा मेजार पेज दवरल्या". पेपर उडवन उटलों आनी जेवणाच्या कुडाक वेतासतां कितेंगी मन जालें. तसें परत पाटीं येवन पेपर घेवन्ंच जेवणाक बसलों. बोस्येंत पेज वाडन दवरल्ली. एका पिरिंत नारला चेटनी, आनी दूसऱ्यांत भाजल्लो गांलबो. म्हज्या प्रितिचें निसतें हें. मांयन वाडलें तर पोट फुग्ता पऱ्यांत जेवतालों. जेवंक सुरू केलें. कितेंगी उडास येता म्हणताना दाव्या हातान पेपर सोडवन ताचेर दीषट घाली.
पेजेची उंडी ताळ्यांतल्यान देंवताली तरयी पोटांत कितेंगी भग्तालें. कसलेयी उडास मतीक हाडिसोना म्हण गर्वान जेवाण मुकारिलें. जेरू पाटल्यान खंयगी रावला आसतोलो. मतिंत कसलोगी उडास उदेताना हांव विस्रोंक पळेतां ... च्यार उंडी, पांच उंडी... हांव सलवतां तें कळ्ळें. पोट दांबून पेपराचेर दीषट घाली. पेपराचीं आक्षरां म्हाका दिसलिनांत ... बगार कितेंगी थंयसर घुंवतालें. व्हय ग्लास ... हात ... थेंबो ... दोळे हावें परत धांपले. आनी... म्हज्यान जालेंना. ताळ्या थावन सूटल्ल्या व्हडा आवाजा संगीं न्हाण्येंत बागालों.

थारयार येवंक पांच मिनुटां लागलीं. चिंताना रडोंक आयलें. तोंड धुवन भायर येताना जेरू पिळिपिळी दोळ्यानीं पळेतालो.
"कितें जालें बाबा"?
हावें जाप दिलिना. कुडांत हांव बसल्ल्या कडेन तो दारालागीं आयलो– "कितें जाता बाबा? .."
हांव दम्म बांदून रावलों. तोंड उग्तें केल्यार कसलीं तरयी उत्रां भायर पडतीत तें कळोन वोंठ चाबोन धरले. मेजार च्हायेचो ग्लास तसोच आसल्लो. ताचेर दीषट पडल्लीच चाबोन धरल्ले वोंठ बलत्कारान उसाले. हांव परत न्हाण्येक धांवलों....
परत कुडांत येवन बसलों. फेन रभसान घुंवतालें. जेरू परत दाराकडे हाजर जालो. आतां दारा थावन तो चिक्के भितर सरलो, आनी 'बाबा, कितें जालें, जेवणांत कांय चडुणें...'
"जालीं तुजीं कर्मां, तो ग्लास घे आनी तुजें तें मुसकर घेवन भायर उसाळ! हावें आपयिल्ल्या खरीत आनी मुकार म्हजे हुजीर पडानाका!" म्हज्या ताळ्याक चेड्याच्या ताळ्यांतलो आवाज थंयच जिरलो आसतलो. च्हायेचो ग्लास घेवन तो भायर गेलो.
पंद्रा मिनुटां तसोच फेना पंदा बसलों. आतांच आशें तर फुडें कशें? चिंता चिंता म्हाका उडास आयलो म्हज्या बेंकाचो. आज मेनेजर जावन पयिल्ले पावटीं हांव त्या बेंकाक रिगोंक आसल्लों. म्हजी उरबा चडली आनी थोड्याच वेळान भायर सरोन बेंकाचे वाटेक लागलों.
जेरू संगी मद्रासांत म्हजे तीन महिने कसे पाशार जाले ते विवरुंक म्हाका कळाना. ह्या भितर म्हजीं ११ पौंडां जीरल्लीं! पयलोच असकत जिवाचो हांव, दिसा मधें म्हज्या केबिनांत होरलिक्स, एप्पलां, केळीं – ह्या वसतुनीं म्हजी भूक थांबयतालों. पूण रातीं म्हज्या घरांत भोगचे ते आटेविटे सांगचे न्हय! सांगू तरयी कोणाक? कोणाची चूक म्हण सांगची? हांव जाणां चूक म्हजीच म्हण. पूण ती मोडुंक खंच्या प्रयत्नानयी सकलों ना.
जेरू सदांय म्हाका वाडन दवर्तालो. जेवणाचो उडास आयिल्ल्याफरा दोळ्यां फुडें घुंवतालीं चित्रां तिंच, दूदाचो ग्लास, उदकाचो थेंबो, पिंत्रां. ह्या मधें

कांय पांच-स जेवणां म्हज्या घरांत जेवलां कोण्णा. म्हज्या घर्च्यांक ह्या विशांत कितेंच बरयलेंना, लोरिकी बरयलेंना.
एक दीस एका एका दाक्तेराक म्हजी मनोगत सोडवन सांगली. जेवणा वेळीं कितें घडता तें सर्व विवरिलें. ताणे दिल्लिसलहा एकच - "जेरूक कामांतलें काड.."
"तें जायशेंना, चूक ताची न्हय; म्हजे पिडेक वकात आसा तर दी".
घटायेचें टोनीक आनी वोरोड येना जावंक थोडीं ओक्तां ताणे बरवन दिलीं. पूण म्हज्या मारेकार उडासाक कसलें वोकात नाटवात? आयिन्न वेळा उदेवन येंवचो तो उडास - ग्लास, दूद, दोळो आनी पिंत्रां ...
थोड्या पावटीं हांवय मन घट कर्तालों, जेरूक कामांतले काडल्यार कसेंगी म्हण. पूण कसले चूकीक काडचें? पात्येणेचो चाकोर तो. लोरी म्हाका कितें म्हणात?. कसलीय वाट म्हाका दिसानातल्ली. ह्या दिसानीं जेरू म्हज्या झळकेकच पडानातलो म्हण्येत. जेवणाचेर तो म्हजे हाल-हवाल देक्तालो तरयी ह्या विशीं म्हज्येलागीं सब्द काडिनातलो ... त्या-त्या वेळार मेजार जेवाण तयार आसतालें - जेवल्यारी जेविनातल्यारी मात्र न्हय म्हज्या वेळा आनी क्रमां प्रकार त्या-त्या घड्ये त्यो-त्यो वसतू म्हज्या हाताक मेळताल्यो. सालांतल्या मेजार हरयेके सांजेर दिल्ल्या पयशांचें आनी वसतुंचें लेक चुकानासतां तो दवर्तालो. गांवांत पांचवी वा सवी शीकल्लो आसतलो. समजासार्कें बरयतालो. खांवचें पियेंवचें सोडन हेर खंच्याय संगतीं विशांत ताचे कडे उलंवची गर्ज पडानातली म्हाका.
दोन महिन्यां आदीं एक पावटीं तो म्हज्या कुडाच्या बागलार आयिल्लो कितेंगी म्हणोन हावें तकली हालवन विचारलें.
"बाबा, दिसां मधें चड काम आसाना, घरा मुकलो जागो खाली आसा, हांव ल्हान गार्डन कर्तां" - म्हणालो तो.
पूण हावें जाप दिलिना.
पाटल्या स्टोर रुमांतय जागो खाली आसा, थोडीं कुंकडा घाल्येत आसल्लीं.
"तुका खुशी आसल्लें कर" म्हळें हावें, "कुशिच्यानीं कोणेंय उलवंक कारण जावंक न्हजो".
"जायत बाबा", म्हणोन चल्लो तो.

थोडे पावटीं बेंका थावन येताना रात जाताली. सकाळीं हांव दर्वड्यान्ंच भायर सरतालों. जेरू हितलांत कसल्यागी कामार आसता तें म्हाका दिसतालें तरयी हांव मतीक घेनातल्लों. लेखाच्या बुकार झडांक, बियांक आनी कुंकडा पिलां खातीर थोडे पयशे खर्चिल्ले दाकवन आसताले पूण हांव त्या विशांत कितेंच चिंतुंक गेल्लोंना.

पूण एका सकाळीं घरा थावन भायर सरताना, कुशिच्या घर्चो मद्रासी एकलो आमच्या गेटी भितर रावोन जेरुकडे उलयता तें हावें पळयलें. ताणे म्हाका सलाम मारलो.

"तुमचें गार्डन पळेवन बोव खुशी जाली म्हाका, तुमचो चेडो भारी हुशार आसा. देकून ताचेकडेन थोडी माहेत विचारयां म्हण आयलां हांव" म्हणालो तो तोंडार हासो फांकावन.

विचित्र दिसलें म्हाका. ताणे सांगल्ल्यान्ंच म्हाकायी कळीत जालें. भोंवतीं एक दीषट भंवडायली. आदीं घरा मुकार पणगील पडोन आसल्ली सुवात आतां सोभीत एका गार्डनाच्या रुपार परिवर्तन जाल्ली. एदोळ ह्या विशीं खबर नातल्ल्या म्हाका त्या सेजारा मुकार म्हजीच लज भोगली. "व्हय, व्हय" म्हणात्त हांव दर्वड्यान मुकार चल्लों.

महिन्या उपरांत लेखाच्या बुकार तांत्यांचे लेक सुरू जालें. हीं तांत्यां चडोन चडोन येतालीं जायजाय, पयशे चड आनी चड भितर येताले.

"कितलीं कुंकडां आसात?" एक दीस हावें खबर काडली.

"दोन डजन आसात बाबा, आट्रा कुंकडां तांत्यां दितात, च्यार कोंबे" आयकोन शिरी चुकलों हांव.

हावें रांवच्या घरांत चवीस कुंकडां पोसतात! तरयी एदोळी एकाक पुणी हावें दोळ्यानीं पळेल्लें ना!. त्या दोनपरां हांव पाटल्या खुशीन गेलों. तीन रुकाडाच्या गुडांनीं कुंकडां पुर्पुरोन आसल्लीं. आपुरबाय दिसली म्हाका, दाटी–मोटीं रंग–रंगाचीं.

त्या सांजेर हावें जेरूक म्हळें. "तांत्यानीं मेळल्ले पयशे तुकाच दवर, ते लेकाक घाल्ची गर्ज ना".

"ना बाबा, तें कशें जांवचें"? सवाल ताचें

"ताचें काम कर्ताय तुंच न्हयवे?, ती राटावळ सगळी तुकाच आसोंदीं"....

"तशें जायना बाबा" म्हणालो तो खडाखड. "हांव काम कर्ता तुवें दिंवच्या सांबाळा खातीर. वयल्यान कुंकडांचो खर्च घर्चा खर्चा लेकारच वेता. ते पयशे म्हजे न्हय"...
"कितेंय जांव, ते पयशे तुका घेवंक खुशी ना तर आसों. पूण महिन्याच्या लेकार आयिल्ले तांत्यांचे पयशेयी हांव तुका सांबाळ दिताना कुडसून दितां. तुवें ते घेंवचेच पडतेले ... वच, भितर चल", जेरू गेलो.
दाक्तेरा थावन म्हज्या असकत्कायेचेर काय्ंच परिणाम जालोना देकून हांव एका सायकोलोजिसटा सर्शीं गेलों, ताणे थोडीं सुचनां दिलीं.
"एकच त्या भुर्ग्याक तुवें कामांतलो काडिजाय" म्हळें ताणे.
"तें म्हज्यान कषट, तसलो पात्येणेचो दुस्रो मेळचोना", हावें जाप दिली.
"तर, ताचो तुवें मोग करिजाय" म्हणालो तो.
"मोग करिजाय? शी.. ताका पळेतानांच म्हाका कांठाळो भोग्ता"... म्हळें हावें तोंड हिंवळावन.
"आयक', म्हणालो तो आपल्या कदेलाक वोणकोन, "एका मनशाचो मोग जर आमच्या काळजांत रिगलो तर, त्या मनशा थंय आसल्लें कसलेंच वायट आमच्या गमनाक पडना. मोगाखातीर हें सर्व लिप्ता. आन्येकल्याचेर दुस्मानकाय, राग, जिद्द, मोसोर वा ताचो कांठाळो उबजोंवचो तो आमकां मोग नातल्ल्यान मात्र शिवाय, दूसऱ्या खंच्याय कारणान न्हय. एकच तुज्या मोगाच्या मनशाबरी तुवें तुज्या चाक्राचो मोग करिजाय, ना तर तुज्या मुखलो काडन उडयजाय.... ह्या दोनां शिवाय तुजे पिडेक ओकात ना. उडास दवर, ह्या परीं सार्कें पोटाक घेनासतां तूं रावलोय तर, थोड्याच दिसानीं तुजी भलायकी चड भिगडतेली आनी नानांत्या पिडेंक तूं ओळग जातोलोय"... ताची जाग्वण आयकोन म्हाका कांप सुटली.
त्ये रातीं सुमार वेळ पऱ्यांत म्हाका नीद पडलिना. जेरूचो मोग कर्ची गजाल हावें मतिंतलीं भायर घाली तरयी म्हजे भलायके खातीर आज हावें चड चिंतिजाय पडलें.
ताका कामांतलो काडन उडयजाय? कशें? ताका कारण कसलें सांगचें? तूं कुरूपी, तुका पळेल्यार म्हाका कांठाळो येता म्हणचेंगी? कसलेंय कारण नासतां इतल्या पात्येणेच्या चाक्राक काडलो जाल्यार लोरी म्हाका कितें

म्हणात? सुमार रात पऱ्यांत कसलियी आलोचन मतीक आयलिना. पूण जेरूक काडचो काडिजायीच. कारण रचिजाय. तो पात्येणेचो व्हय तरयी न्हय म्हण रुजू करिजाय. म्हजोच म्हाका कांठलो भगलो. एदेश्या मनशा मुकार हांव कितलो ल्हान जातां?

पूण दुस्री वाट नातल्ली. ह्या दिसानीं भलायकी पाड जावन असकत्कायेन म्हाका दोळ्यांक काळोक येतालो. एप्पलां, केळीं, होरलिक्स हेंच घेवन कितले दीस जियेव्येत?. पाशार जाल्ले तीन महिने म्हज्या उडासाक आयले. ती पोटांतलीं मुड्डोणी, ताड–वोड, वोरोड...

जेरूचें रूप जें हावें पयल्या पावटीं पळयिल्लें तें आतां पर्त्यान मती पडद्यार उदेलें. हळदुवो दांत, तांबशे तोंड, अर्धो धांपल्लो दोळो आनी थंयसर मांडल्लीं पिंत्रां...

देवा जेरू विरोध हावें कर्च्या पात्काक प्राचीत करुंक हांव तयार आसां.... एक पावटीं ह्या खर्गांतले म्हाका निवराय म्हण मागलें हावें. आनी दूसऱ्या दिसा खंच्याय एक कारणान जेरूक कामांतलो उसळावन घरा धाडची आलोचन थीर केली आनी निदलों.

दूसऱ्या सकाळीं म्हज्या केबिनांत बसोन जेरू विरोध हावें एक पास तयार केलो. त्या दोनपारां घरा गेल्ल्यावेळीं हो ताचेर मांडिजाय म्हळ्ळी मांडणी केली. दोनपरांचें हावें घरा वेचे अपरूप, तशें मन जाल्यार वेचें आसल्लें. आयच्या दोनपारां हावें घरा वेची आलोचन केली. त्या फुडें जेरूक कामांतलें काडतच रागान तरयी म्हज्या मतिच्या समाधाना खातीर थोडे पयशेयी दिजाय म्हण मन केलें. अर्ध्या महिन्याचो सांबाळ दिसां आदिंच ताका दिल्लो. तो ते घरा धाडता असतलो ह्या विशीं हांव खबर घेनातल्लों.

दोनपरां बेंक बंध करून हांव घरा पावलों. बंध आसल्ली गेट उगडतां जेरून केल्लें गार्डन आज म्हज्या दोळ्यांक तोपलें.

ताका तूं अन्याय कर्ताय? म्हणालो म्हजो भितरलो ताळो. म्हजें मन हावें धारूण केलें. हांगा थावन म्हजें आयचें काम चालू जायजाय आसल्लें.

हांव दर्वड्यान आयिल्लेपरीं सरारां मेटां काडित्त भितर गेलों. आड केल्लें बागील उगडताना सालांतल्या मेजार बागलाक पाट घालन बसल्लो जेरू दिसलो. म्हज्या आवाजाक घडबडोन उटलो तो. हातांत ताच्या पेन्न आसल्लें,

कितेंगी बरवन आसल्लो जायजाय. म्हाका पळेल्लेंच ताणे कागत दोडून लोकाव्यांत घाल्चें पळेलें हावें. सरारां हांव कुडाक रिगलों. पूण करुंक कितेंच नातल्ले वर्वीं म्हजें दर्वडी नटन पळेवन म्हाकाच हासोंक आयलें. गेल्लो तसोच पाटीं आयलों आनी सालांत बसलों.
दोनपरां आयलों तर जेविनातल्यारी मेजार वाडन दवर्ची जेरुची सवय. म्हजें कोशेडद उग्तें दिसानाये म्हळ्ळयाखातीर हांव हात धुवन जेवणाक बसलों. तांतियांची कडी केल्ली. जेवणावेळीं म्हज्या मतिंत हावें जारी करुंक चिंतल्ल्या संग्तिचोच जोप आसल्ल्यान जावंक पुरो वाडल्लें खाली जाताच मात्र म्हाका कळीत – पयिल्ले पावटीं आज जेरून वाडल्लें पुरा जेवलां म्हण.
तोंड धुवन सालांतल्या मुकल्या कदेलार बसलों हांव. आलोचन केल्ल्या परिंच धा–धांचे नोट हावें भायर काडले आनी मुकार मेजार दवरले. उपरांत एक कागद घेवन लोरीक चीट बरवंक सुरू केली. त्या चिटीर लोरीक हावें ह्या तीन महिन्यांची ह्र्येक संगत विवरिली. जेरू निमतीं म्हज्ये कालेतीक जांवचे कषट रंगयले. सांगाताच दात्तेराची बूदबाळय कळयली. थोड्या दिसां भितर जेरूक हांव गांवाक धाडतां देकून बेजाराय करुंक न्हजो म्हळ्ळो उपकार मागोन कागद आकेर केलें. आतां थोडोच वेळ ऊरल्लो हावें बेंकाक पाटीं वचोंक. तितल्या भितर म्हजो खेळ हावें सुरू कर्न आकेर करिजाय आसल्लो.
"जेरू" म्हळें हावें भंवतीं पळेवन, तो कुजना थावन धांवोन आयलो.
"एक ग्लास उदाक घेवून ये" म्हळें हावें बरवन आसचे परिंच दाकवन. थोड्या वेळान जेरू उदक घेवन आयलो. ताणे मेजार ग्लास दवर्च्या वेळारच हावें जाय म्हणोन कागदा घडी कर्चे घुस्पडेंत ते 'धा'चे नोट लोटून सकला घाले. ग्लास दवरून जेरून धर्णिवयले नोट विंचले. ताणे ते मेजार दवर्ताना हावें विचारलें, "कितले नोट आसात?"
"पांच आसात बाबा" तो म्हणालो.
"हां, आतां भितर वच तूं" हांव बरयित्त रावलों कामार मग्न जाल्ले बरीं नटन करून. जेरू चल्लो.

लोरीक बरयिल्लें कागद मडचून लकोट्यांत चेपलें आनी ताचेर एड्रस बरवन दवरून कुडाक गेलों. पांच मिनुटां भेषटेंच कुडांत पाशार केलीं आनी तितल्याच दर्वड्यान म्हळ्ळेबरीं सालाक आयलों. मेजार पांच नोट आसल्ले. ओळू तांतलो एक नोट काडून कोटाच्या भितरल्या बोल्सांत चेपलो. आनी बरयिल्लें कागद घेवन भायर आयलों.

जेरू आतां भायरच उबो आसल्लें तें बरें जालें म्हाका. बेंकाक भायर सर्चे बरीं ताचे मुकारच गेटी पऱ्यांत देंवोन गेल्लों, कितेंगी उडास आयिल्लेबरीं पाटीं घुंवलों आनी जेरू कडेन म्हळें, "मेजार पन्नास रुपय आसात ते घेवून ये, म्हाका वेळ जालो"; आनी हांव भायरच रावलों. जेरू आतां भितर वेतासतां हांव चिंतुंक पडलों. 'जेरू चाळीस रुपय घेवन येतालो, पन्नास रुपय ताणेंच उकलन दवरल्ले तें ताका कळीत आसा. तितल्यार धा रुपय खंय गेले म्हळ्ळ्या एकाच कारणान ताच्या आंगार म्हळ्ळेबरीं उडाजाय आनी उलवंक आवकास दीनासतां पोटली बांद म्हणाजाय....

म्हज्या तोंडार घामाचे थेंबे उदेले. असल्या सर्व नटनांक हांव नवो जाल्ल्यान कोण्णा म्हजी कूड बारिकायेन कांप्ताली. तोंडार कितेंय कळानाशें हावें प्रयत्न केलें आनी जेरूच्या येण्याक राकोन रावलों. दोन मिनुटां उतरलीं. 'भितर सोदता आसतलो' चिंतलें हावें.

"कितें कर्ताय – म्हाका वेळ जाल्लो तें कळानांवे तुका...?" हांव बोबाटलों.

"आयलों बाबा" म्हणालो तो भितर थावन.

'येंवदी येंवदी, आजच दोनां भितर एक जावन हाचें सर्व संपाजाय' हांव राकलों.

थोड्याच वेळान जेरू भायर आयलो. तोंड ताचें गाबरले बरीं दिसतालें. भोंवतणी धर्णीर दीषट चरयित्त तो म्हज्येलागीं आयलो आनी हातांतले नोट ताणे म्हाका ओड्डायले. हावें मेजले, एक, दोन, तीन, च्यार..... पांच! शिरी चुकलों हांव. म्हजी सगळी आलोचन वयर पंदा जाल्ली!. क्षणान घुंवलों हांव आनी गेट धांपून भायर पडलों. तेदनांच मेळल्ली रिक्षा रावयली. आनी पांच मिनुटां भितर म्हज्या केबिनांत रिगोन बसलों.

अशें कशें जालें? बसल्लेकडे आलोचन केली. बोल्सांत हावें लिपयिल्लो नोट तसोच आसल्लो तर? अव्यक्त कांतवणी काळजांत कांतावक लागलीं.

तकलेक हात तेंकून चिंतुंक पडलों. जेरून आपले पयशे घालन म्हाका भर्ती करून दिल्यात, तें समजालें म्हाका. पूण – पूण ... हांव? एदेश्या चाक्रा मुखार हांव चोरा वर्नी पासट जालोमू?
असल्या भांगार मनशाक हावें करुंक चिंतल्लो अन्याय.. चिंतून म्हजी तकली विरार जाली. वाटेर लोरीक कागद पोसट करुंक्नातल्लें बरें जालें म्हण चिंतलें. बोल्सांतलो लोकाटो भायर काडलो आनी तो पिंजून उडयां म्हणताना म्हजी दीषट ताचे वयल्या आक्षरांचेर पडली. म्हजीं न्हय तीं... दर्वड्यान हावें कवर फोडलें.
जेरून बरयिल्लें कागद तें–

"मोगाच्या मौशेक आनी बाबाक,
जेरून बरंवची चीट. हांव बरों आसां. कालच हावें तुमकां पयशे धाडल्यात. आदल्या महिन्यांत धाडल्ल्या पयशानीं तुमीं हावें सांगल्ल्याबरीच केलां म्हण पात्येतां. मोगाचे मौशे, म्हज्या भावांचें इसकोल बिल्कूल रावयनाका. कितले कषट जाल्यारी, धा रुअप्य मात्र म्हजे गर्जेक दवरून ऊरल्ले चुकानासतां हांव धाडतां. म्हज्या भावानीं म्हजेबरीं जावंक न्हजो. हीच म्हजी आशा. ह्या महिन्यांत पंद्रा रुपय चडीत धाडल्यात. घरांत चड काम ना देकून हावें हांगासर कुंकडां पोसल्यांत. म्हजो धनी भारी बरो मनीस, तांत्यांचे पयशे म्हाकाच दिता. कषटांच्या वेळार देव सोडन घालिना म्हणचें हाकाच. उपकार कर्न कसल्यायी कारणानीं भुर्ग्यांचें इसकोल सुटयनाकात. ताणीं शिकाजाय, मुखार वचजाय – म्हज्या धनियाबरीं.
आकेर कर्ता मागोन बेसांव.
तुमच्या मोगाचो
जेरोम.

म्हज्ये तकलेंतल्यान झगलाणे पाशार जाल्लेबरी भगलें. चिंता चिंता दुखांची झरच म्हज्या दोळ्यांतल्यान पाशार जाली. एका कषटी जीवीक हांव करुंक चिंता त्या अन्याया खातीर देव म्हाका बिल्कूल भोगसुंचो ना. ना–ना, जेरूक हावें अशें चलंवचें सार्कें न्हय, हावें ताचो मोग करिजाय. हावें आधारल्ले

चूकी खातीर ताचेलागीं भोगसाणे मागाजाय. व्हय, आतांच; हेच घड्ये, तवळ मात्र म्हाका समाधान.
बसल्ल्याकडे म्हज्यान बसोंक जालेंना. जेरूचें तोंड पळेल्ल्या खरीत काळजांतली कांतावणी रावाशिना. तें लेकून बेंका थावन दर्वडी घरा पावलों. गेट बंद आसल्ली! भितर रिग्तां तर दाराक बीग घाल्लें!.
'जेरू खंय गेलो?' कळवळ्यानीं पाटीं धांवोन आयलो आनी कुशिच्या आंगडिंत विचार्ताना 'तुमचो चेडो ही चावी दीवंक सांगोन गेलो सर', म्हणालो.
"खंय गेलो तो"? विचारलें हावें दर्वड्यान.
"हांव नेणा सर, म्हज्येलागीं कितेंच सांगलेना". दार उघडताना सालाच्या मेजार म्हजें हणेबरप उग्तें पडोन आसल्लें. हावें लोरीक बरयिल्लें कागद जेरून वाचून जाल्लें. थंयच कुसकोन पडलों. सवकास मेजार दीषट गुंवडायली. आन्येक कागद थंयसर पडोन आसल्लें. तुर्तान तें विंचलें...

"बाबा,
हांव बोव चड बेजार पावतां, तुजेकडे सांगिनासतां भायर सरलां तें चिंतून. तीन महिन्यां थावन तूं कितलो कषटातालोय तें म्हाका आज कळ्ळें. आदिंच एक उतर सांगोंक न्हजो आसलेंगी? हांव तुजो चाकोर सांगल्लें आयकोतोंनांगी?. ह्या घरांत अनिकी रावोन तुका कषटुंक हांव तयार ना. दुस्री कसलीय चूक हांव तिद्वून घेतों, ही चूक देवाथावन घडल्या हांव ती सार्की करून घेवंक सकाना. म्हज्या उज्व्या दोळ्यांत मांडचीं तीं पिंत्रां काडले तितलीं येतात. हांव चल्ता बाबा, बरया बटलेराक दवर्न भलायकी सार्की कर्न घे. तुवें म्हाका मोगान पळेलांय देकून हांवय तुजे भलायके पासून माग्तां. तुजें कागद वाचल्ल्याक भोगसी. तें वाचुंक फावो केल्ल्या देवाक आर्गां दितां. ड्रावरांत तुवें खर्चाक दिल्ल्या पयशांचे लेक आनी ऊरल्ले पयशे दवरल्यात. नवो मनीस येता तर कुंकडांची आनी गार्डनाची चत्राय सांबाळुंक सांग, अकेर कर्तां
तुजो चाकोर,
जेरू."

"जेरू खंय गेलो?' ताचे हातीं पयशे नांत... आसल्ले धा रुपय ताणे म्हाका भर्ती करून दिल्यात... चड चिंतुंक वेळ नातल्लो. दार वोडून हांव त्याच आंगडीक धांवलों. "कितलो वेळ जालो ताणे वचोन?"
"तुमी येंवच्या थोड्या वेळादीं हेच्च वाटेन गेला सर तो..."
मुकल्यान वेची रिक्षा रावयली आनी ताचेर बसोन आंगडिगारान दाकयिल्ले वाटेन धांवडावंक सांगली. अर्धो घंटो परयांत रसत्यार सोदून निरास जांवच्या वेळा मुकल्या हैवेच्या फूटपातार एकलोच मनीस सवकास चलोन वेचो दिसलो. व्हय जेरू तो!... तो जेरूच! रिक्षा हावें ताचे सर्शीं धांवडायली. म्हाका पळेल्लेंच जेरू घडबडलो. हावें ताका उलवंक आवकास दिलोना. घञ्चोन बाग्वोन हावें ताका धरलो. "जेरू, जेरू ... म्हाका भोगसी, म्हाका सांडून वचनाका जेरू ..."
म्हज्या भुग्र्या साक्र्या रडण्याक तो सैर भैर जालो आसतलो. "सोड बाबा म्हाका सोड, हांव वचना". म्हजे वेगेंतलो तो सुटोंक उड्डाताना रिक्षा ड्रायवर आमकांच आजापान पळेतालो, हावें गण्णे केलेंना. दुखां भरल्ल्या दोळ्यानीं हावें जेरूकच पळेताना ताणे आपलो उज्वो हात दोळ्यालागीं वेल्लो तो थंयस धरलो हावें आनी ताच्या दोळ्याक मांडलेलीं पिंत्रां म्हज्या बोटानीं पुसून काडलीं. कित्या म्हज्या दोनी दोळ्यांक आजून मांडून आसल्लीं पिंत्रां आज ताणे पुसून काडल्लीं!.

***000***

# मूगुती

मोगाळ वाचप्या,

ही धाकटिशी काणी आतां तुवें वाचुंक धरताना कसलो संबंध म्हजे आनी तुजे मधें उबजालागी तसलोच्च संबंध ह्या काणियेच्या नायकाक आनी म्हाका आसल्लो. ताणें ताची जिण्ये कथा खुद्द आपल्याच तोंडान म्हाका सांगल्ली, हावें ती तुका वाचुंक दिल्या.

ताचें नांव प्रभाकर..... ताच्या जिवितांतलें पूर्ण जायनासतां बाकी ऊरल्लें एक महत्वाचें काम ताणें म्हज्या वांट्याक ओप्सिल्लें. आपल्या अती मोगाच्या एका वेक्तीक आपणें दिंवची एक वसत ती हावें पावीत करिजाय म्हण म्हज्येलागीं ताणें उपकार मागल्लो.

ती वसत जावनासल्ली धाकटिशी एक भांगाराची 'मूगुती'. परीक्षेच्या पेपरांचें मौल्यमापन कर्चें खातीर हांव आनी हेर दोग म्हजे हैसकूलांतलें सांगाती मेसत्री –च्यार दिसां खातीर बेंगळूर पावल्ल्यांव, आनी बेंगळूरच म्हजी आनी प्रबाकराची पयली भेट जाल्ली. त्ये भेटे वेळीं तो देदेस्परार आसल्लो.

ताच्या गांवच्या कोणी एका मनशाक तो सोदतालो. बेंगळूरच्या बस्स निल्दाणांत, म्हजे संगीं आयलेल्या मेसत्रिंक पाटीं पावंक हांव गेल्ल्या तवळ – आमी तुळू भाशेन उलयतेल्यांव तें आयकोन – हांव तांकां पावन येताना म्हजी पाट धर्न तो आयिल्लो. हांव एका ल्हान म ाच्या होटेलांत रावतालों. करेक्षन कर्चें थोडें चडतीक काम म्हज्या वांट्याक आनिकी ऊरल्लें जाल्ल्यान हेर मेसत्री पाटीं गेल्यारी हावें मात्र दूसऱ्या दिसा पऱ्यांत रावाजाय

पडल्लें. होटेलाच्या प्रमूक दारालागीं पावतानांच पाटल्यान कोणेंगी आवाज कर्न आपयलेपरीं भगल्ल्यान हांव पाटीं घुंवलों. एक वेक्ती म्हजे सर्शी येताली. हातांत ताच्या एक बेत आसल्लें.

त्या बेताच्या आदारार चल्तालो. त्या वेक्तिच्या हाता–पांयांक बळ ना व आर मारल्या म्हळ्ळें तो चल्तानांच कळीत जातालें. तोंडार दाटायेन वाडल्ली खाड–मिशी... पिंजकर वसतुरां....... निजायकी तो एक वाटेवयलो भिकारी तशें म्हाका सुसतालें. ताका पळेवन हांव परत घुंवोन म्हजे वाटेक लागतानांच ताणें आनएक पावटीं कसलोगी आवाज केलो आनी सरारां म्हजे सर्शी आयलो.

म्हाका कांय ताची वळक नासली. हो भिकेकच म्हाका धोसुंक आयला म्हण लेकून आसताना– "ऊरदार...... ईरेडा ओंजी निमिषा पातेरेरे इत्त्ड," म्हण तुळवेन सांगताना हांव घुस्पडलों.

"कितें?" हावें म्हळ्ळें तुळवेन्‌च पूण गंभीरायेन. होटेलांतले जण भायर–भितर वेताले जाल्ल्यान मदें बागलार रावोन ताचेलागीं उलंवची खुशी म्हाका नातली.

"....हांव तुका पयश्यांक धोसुंक आयलां म्हण चिंतिनाका...... बस्सस्टेंडांत तुमी उलयताना तूं गांवचो आनी वालेन्सियांत रांवचो म्हण म्हाका कळ्ळें. त्या देकून हांव तुज्या पाटल्यान्‌च आयलों......... म्हणालो तो तुळवेन. म्हाका ताची लांबांय–रुंदांय नाका आसल्ली.............

"तुका कितें उलवंक आसा तें सांग वेग्गीं. म्हाका वेळ जालो............."

हावें म्हळें म्हजी गंभीराय सांबाळून. ताचें तोंड भावलें. थोडो वेळ मौन रावोन उपरांत तो म्हणालो–

"सबार दिसां थावन हांव एका गांववाल्याक सोदतां. बोव गर्जेचें म्हाका उलवंक आसल्लें. हांव आनी थोड्याच दिसांनी मोरचो मनीस......."

ताणें तकली पंदा घाली. ताचें खाल्तेंपण पळेयताना म्हाका म्हजीच लज भगली. तितल्या कठीणायेन उलवंक न्हजो आसल्लें म्हण भगलें. पूण ताका पळयताना ताचेलागीं उलवंक मन येनातलें. अड्डादिडदी वाडल्ल्या खाड–मिश्शांनी तशें चिकलान दाटलेल्या काती वर्वी ताचें तोंड विद्रूप दिसतालें. तो कसल्या तरयी कळवळ्यांनी वळवळता तें ताच्या निराशेच्या तोंडाक

पळयताना कळतालें. ताचें गाल फोंडांत आसल्यारी तोंडा वयलीं दाडामां बळादीक आसल्लीं. जीव सगळो गळल्लो पूण ताची लांबाय आनी दोनी भुजांच्या हाडां मदली रुंदाय पळयताना एका प्रायेर तो दडंग जिवाचो जावनासल्लो म्हळ्ळें सुसतातालें.

ताचे हात भुजां सकयल उमकाळतालें मात्र शिवाय, त्या हातांनी सकत नातल्ली. ताच्या पांयांकी त्या जिवाक व्हावंवच्ये तितलें बळ नातलें. आपलें सगळें त्राण त्या बेतांचेर तेंकून तो उबो आसलो. म्हाका कठीण पुरासण जाल्ली. सुटकानातल्ल्या आट वोरांच्या करेक्षना वर्वीं म्हजे दोळे वोळोन गैरे जाल्ले.....पाट वोळताली.....एक पावटीं मात्याक थंड उदाक वोतून कूड खटल्यार नीट सोडुंक अन्रेग्तालों. ह्या म्हनशाक आतां कितें कर्चें? तरयी हावें समादानेन म्हळें......

"कितेंयी उलवंक आसा तर फाल्यां उलव्यां.......हावें गांवांक वेचें फाल्यां रातीं. सकाळिंचें थोडें काम जाताच उपरांत रातीं बस्स सुटता परयांत म्हाका पूरसोत आसा....." "जायत धन्या...." म्हणालो तो व्हडा खुशेन आनी संतोसान...

"हांव फाल्यां म्हणासर खंडीत वांचतां... म्हज्या खुशे शिवाय हांव खंडीत मोराना" ताणें हासोन्ंच म्हळें. हासताना ताच्या सूकल्ल्या गालांचेर मिरियो पडल्यो. दाट जाल्लें नाक पुल्लें. दाडामां विसतारलीं.... हासतानांयी तो विद्रूप दिसतालो.

ताचे मुकार पूड करन उलवंक एक थरशें जालें म्हाका. तरयी उत्रा–उत्राक 'मोर्नाचें' नांव काडच्या ताच्या उलवण्यांत म्हाका आतुराय भग्ताली. तो म्हज्येलागीं कितें सांगोंक आशेतागाय?

"तूं घड्येन घडी मोर्नाची खबार कित्याक काडताय? तुजी प्राय कितली?" चिक्के जोरान्ंच हावें विचारलें.

"सत्तावीस वर्सां......"

"सत्तावीस वर्सां?" हांव शेर्मेलों. ताका पळयताना तो पन्नासांक लागीं पावला'सो दिसतालो.

"व्हय धन्या.... प्रायेन तुजे वरनी धाकटो हांव. पूण म्हज्या पात्कांच्या प्रायश्चिता खातीर हांव आसो जालां."

"कसली पिडा तुका?" म्हज्या सवालाक थोडो वेळ जाप आयलिना.

"पिडा? कसली म्हण सांगूं? ताचे बदलाक हावें केल्ल्या कर्मांचो फळ हांव भग्तां म्हळ्यार सार्कें जायत...." म्हणालो तो. "....तूं पात्येशिगी? म्हजें ग्राज्युवेशन जालां..."

"ग्राज्युवेशन जालां.... तरयी......" अजापोन हांव हांक्रेताना, तो परत्यान हासलो.... "व्हय म्हाका पळेंवचे कोणी हें पात्येनांत, पूण हावें सांगचें सत, तरयी ह्या सताचो आतां कांयच उप्योग ना, संसारांत आवक मुगदोन येता'शें भग्ता म्हाका. त्या आदीं म्हज्या अती मोगाच्या मनशाक भासायली वसत हांव ऋण आसां. ती पावीत करच्या खातीर हांव म्हज्या गांवच्या मनशाक सोदतां. मंगळूर सूटर-पेटेंत म्हजें बिडार आसा...."

"सूटर-पेटेंत? सूटर-पेटेंत खंयसर?"

"मुन्सिपल इसकोला पाटल्यान. लागीं लागीं तीन वर्सां जातात हावें तें घर सोडन आमी थंय भाड्याक रावताल्यांव..."

"आतां थंय कोण आसात?" विचारलें हावें दुबावान. "म्हजी पतीण आसा....म्हज्या मोगाचें सुंदरी. धन्या... बस्सस्टेंडांत तुमी उलयताना तूं थंयस सूटर-पेट लागसार वालेन्सियांत रावताय म्हण तुज्या उलंवण्यांत म्हाका कळ्ळें. उपकार करन तुवें म्हाका कुमक करिजाय धन्या... धाकटिशी कुमोक... हावें दिंवची एक वसत तुवें म्हज्या पतिणेक पावीत करिजाय..." तो दोन मेटां मुकार येवन मुंदरसून म्हणालो-

"...धन्या... दया करन तुवें जायना म्हणोंक न्हजो. हांव जायत्या तेंपा थावन तुजे तसल्याक सदां त्याच बस्सस्टेंडांत सोदतालों. एक दोग जण म्हळ्ळे. पूण म्हाका पळेवन उलवंक सयत ते भिंयेले. आतां म्हाका तुजेर भर्वसो उदेला. सबार वेळ तूं म्हज्येलागीं उलयलोय जायना म्हणानाका धन्या... मोर्च्या मनशाची निमाणी आशा ही-नेगार करिनाका,"

ताणें परातून दांबून म्हळ्ळें. गरज नातल्ल्या राटावळिंनी शिर्कालोंगाय म्हण भगलें. पूण आतां हावें कूस मारल्यार म्हज्या मनशापणाक तो मोल बांदतलो म्हण लेकून हावें ना-खुशेनशें म्हळें-

"वालेन्सियांत हांव आयलेवारच नवें घर करून रावलां तितलोच, चडावत हांव थंयच्या कोणायकी वळकाना. पूण तुवें दिंवची वसत कसली ती?"

"मूगुती..."

"मूगुती... कसली मूगुती?" हांव शेरमेलों.

"मूगुती भांगाराची धन्या..." म्हणालो तो हळू स्वरान.

"भांगाराची?" आतां हांव निजायकी भिंयेलों. ह्या मनशाक कशें पुणी निस्रायजाय म्हळ्ळें हावें खंडीत चिंतलें. "आशे सायबा, हावें तुका सांगलें वालेन्सियांत हांव नवो शिवाय तुजे थावन तसली भांगाराची वसत वरुंक..."

"तुवें भियेंवची गरज ना धन्या..."

तो मदेंच उलयलो.

"म्हजे तसल्या भिकारयालागीं भांगाराची मूगुती आसा तें चिंतून तुका तशें भगचें सहज. पूण म्हज्येलागीं ताची म्हज्याच नांवार रशीद आसा. पाटल्या देड वर्सा थावन हावें भीक मागोन जमयिल्ल्या पयश्यांनी हावें ती करयल्या. म्हज्या जिण्येंत आनी कसलेय अन्नेग उरोंकनांत. सुंदरिच्या नाकाक एक मूगुती सोबयजाय म्हळ्ळी आशा म्हाका ताचेलागीं काजार जाल्ल्या दिसा थावन आसल्ली.... धन्या... हांव समादानेन मरोंक आशेतां. तुवें ती ताका पावयली जाल्ल्यार संसारांत आनी म्हाका कितेंयी नाका.. तुवें हें जारयेक हाडिजाय धन्या.. ना म्हणोंक न्हजो. तुवें ही मूगुती ताका दिताना प्रभाकरान दिल्ल्या म्हण सांगाजाय.... "

ताच्या त्या विनंतेक कितें जाप दींव म्हळ्ळें सुसतालेंना. तरयी त्ये घड्ये ताचे थावन पाशार जावंक हावें ताका सांगलें–

"जायत... पूण आतां म्हाका तुजें आयकोंक वेळ ना. फाल्यां दोनपारां म्हजें काम जाताच म्हाका तूं हांगासरच मेळ आनी तुजी गजाल आसा तशी सांग. म्हाका तुजेर पात्येणी भगली तर या तुज्या कामांत म्हाका कसलेयी तोंद्रे नांत म्हण खात्री जाली तर ती मूगुती हांव व्हरतां. आतां तूं वच म्हाका वेळ जालो... इतलें म्हणोन हांव घुंवलो.

"जायत धनिया, हांव हांगासरच राकोन रावतां..."

व्हड ताळ्यान ताणें म्हळ्यारी हावें पाटीं पळयलेंना. रिसेपशनिसटा कडची चावी घेवन म्हज्या कूडा तेवशीं मेटां काडलीं. दूसऱ्या दिसा म्हज्या वांट्याचीं पेपरां मुगदाताना दोन वोरां जाल्लीं. जेवाण तीरसून, गांधिनगर येवन रातच्या बस्साची हावें टिकेट घेतली आनी होटेलालागीं पावताना एकाच्छाणे म्हाका

ताचो उडास आयलो. तो काल्च्या जाग्यार उबो आसलो. कामा मदें म्हाका ताची विसार पडल्ली. आदल्या रातीं नीद पडतावरेग हांव ताचेविशीं नियाळतलों.

ताच्या जिणियेंत कसलोयी मिसतेर आसा म्हळ्ळो दुबाव म्हाका जाल्लो. ताचे थावन्ंच आयकोंची आतुराय म्हजे थंय उबजाल्ली. म्हाका पळेवन तो हासताना परत्यान ताचें तोंड विद्रूप जालें. आदल्या रातीं वीज दिव्यांच्या मसक उज्वाडाक तें तोंड सार्के झळकानातलें. पूण आज ताचेर दीश्ट घाल्ताना म्हज्या कुडिंत शिर्शिरो धांवलो.... ताची मुसतायकी... ताचो जिनोस.... बळ नातल्लो हात चिक्के उकलन ताणें म्हाका सलाम केलो. ताका पाटीं हात उकलून तशेंच करुंक म्हाका पुटवालेंना.

पळयतेले कितें चिंतीत म्हण भिंयेलों. तरयी उलयल्या शिवाय निर्वोग नातलो. एक मिनूटभर हावें आलोचन केली, आनी ताका तसोच राव म्हण सांगोन हांव रिसेपशनिसटालागीं गेलों. ताची थोडी सळावळ म्हाका जाल्ली. ताचेलागीं मटव्यान संगत सांगून म्हजी गरज विवरिली.

सुर्वेर ताणें प्रभाकराचेर दीश्ट घालून ना–खुशी दाकयली तरयी उपरांत... तो वळकिचो–म्हज्याच गांवचो मनीस म्हण सांगल्ल्याक तो ओपलो आनी अशें हावें ताका म्हज्या कुडाक आपवन व्हरन उलवंक साद्य जालें. वाचप्या... हाचे उपरांत हावें बरंवची कथा ताचे थावन्ंच आयकोंची बरी म्हण लेकून, ताच्या उत्रांनी हांगासर लिकल्या.

म्हज्या जल्माचें नांव प्रबाकर न्हय.... मधुकर... पूण म्हजें सवें आनी निमाणें काजार सुंदरिलागीं जाताना हावें प्रबाकर म्हळ्ळें नांव घेतल्लें जाल्ल्यान तेंच नांव आतां कायाम उरलें. म्हाका म्हज्या भूरग्यापणाचां दिसांचो सारको उडास ना. बापूय म्हजो म्हज्या बाळपणारच सरले खंय. हांव दूसऱ्या क्लासिंत शिक्ताना म्हजी आवय अंतरल्ली. ह्या वेळीं बोंबैंतल्या म्हज्या मावळ्यान मंगळुरांतलो आमचो ल्हान घर जागो विकून म्हाका बोंबै वेल्लो. ताका वाडचीं पांच जणां चेडवांच आसलीं. फकत च्यार दीस म्हाका ताणें आपल्या घरांव रावयलें. उपरांत गांव वाल्याच्या एका होटलांत कामार लायलें. थंयसर जेवन–खावन थोडे पयशे म्हाका मेळताले.

अपरूपशें हांव मावळ्यागेर पावल्यारी तीं म्हाका हुंगानातली. भूरगीं सयत वाटेर मेळ्ळ्यारी लेकिनातलीं. आमचो घर जागो विकून मेळ्ळेल्या पयशांविशीं ताणीं खबार सयत काडलिना... विचार्चें धयरयी म्हाका नातलें. होटेलांत कामाक लावन, रावोंकयी थंयच आस्रो करन दीवन म्हजी खबार सोडल्ली... आनी हांव होटलांत 'एक जीव सदाशीव' जावन दीस काडतालों. होटलांत म्हजे बराबर कामाक आसचे चेडे गांवचेच जावनासोन दिसाक काम करन रातिचें इसकोलाक वचोन शिक्काले.

हाका होटेलाच्या धन्याचियी पर्वणगी मेळताली तशेंच चडतीक कुमकय मेळताली. अशें तांचें संगीं म्हजियी जिणी मुंदरसून गेली. दिसांचें काम... रातिचें शिकाप... मदें वेळ मेळ्ळो तर व रजेचो दीस तर आमी आमच्या होटला कुशीन आसच्या धन्याच्या व्यायाम शालांत व्यायम करताल्यांव. तवळ आदल्या दिसांचो म्हाका उडास येनातलो. मुकल्या पुडाराचो हुसकोच नातलो. दीस कसो सुरू जातलो कसो आकेर जातालो म्हळ्ळें हांव चिंतिनातलों. म्हज्या भंवतिच्या संसाराची वळक जावंक म्हाका थोडीं वर्सां लागलीं. ह्या वेळार हांव कोलेजीक सेरवाल्लों. तर्नाटपण सुरू जाल्लें.

व्यायामा वर्वीं आनी होटलाच्या खाणान हांव म्हज्या प्राये वरनीं चड फूलल्लों. जिवांत तशें मतिच्या बदलावणे संगीं ताळ-मूळ नातलीं चिंत्नां म्हाका धोसुंक लागल्लीं. पयशे आसल्यार मात्र मनीस, तसल्याक मात्र मान-मरयाद... हें म्हजे थंय धृड जालें. म्हजी कोलेज संपलीं. म्हजो धनी भांगार मनीस. हावें ताका मोस केल्लो ना. ताणें म्हाका उणें करुंक ना. म्हजी कोलेज जाताच ताणेंच म्हाका आपवन सांगलें.... 'मधुकर... आनी तुवें ह्या कामाक रांवचें नाका... मुकार कसली आलोचेन केल्याय तुवें?' आलोचेन्यो जायत्यो आसल्ल्यो म्हज्या मतिंत, पूण खंचियी पोंत पांवची तसली आलोचेन धरन मुकार वेचें त्राण जांव-पयशे जांव म्हज्येलागीं नातले.

बोंबै आपिसांनी काम करन दीस काडचें जिवीत भोगून हांव नेणां तरयी पळेवन म्हाका कळीत आसलें. पयलें एक काम.... उपरांत घर..... बायल..... भूरगीं..... हीं सर्व चिंत्नां कोलेज जाल्या नंतर म्हजे मतीं घुंवतालीं. एदोळ म्हाका तसली खंत नातलीं. होटलांत फोळचें, थंयच जेंवचें, निदचें..... आतां असलें जिवीत म्हाका शिकप्याक सजानातलें. पूण कर्चें तरयी कितें सदांच

हांव चिंतालों आनी स्वपणेतालों. बोंबैंत एक घर घेजाय तर आनी हावें पंद्रा वर्सां तरयी घोळाजाय... तितल्यार म्हजें अर्चें जिवीत संप्तेलें, तर काजार? बायल? भूरगीं? कुटाम.....?.... बोंबैंत शिकाप मुख्य न्हय.

पयशे कर्ची विद्या मुख्य. हें हांव जाणां आसल्लों. देकून तसली विद्या शिकोंक आनी तसले पयशे जोडुंक हांव चिंतालों. म्हज्या मतिंतलीं चिंत्नां पारकुन्ंच म्हळ्ळेपरीं म्हज्या धन्यान म्हाका वाट दाकयली. तो म्हणालो 'तुजे लागीं डिग्री आसा. पूण तसली डिग्री आसोन भायर थावन हांगा आयिल्ले हजारांनी आसात.

हांव तुका एक चीट दितां... ती घेवन तूं लक्कशेि लागीं वच... ह्या होटलाचो धनी हांव व्हय... पूण म्हजो धनी तो... तुजे तसल्या तरूणांक पोंत पाववंक ताचेलागीं जायत्यो वाटो आसात.' अशें हांव लक्कशेिच्या वरतुलांत शीरकालों. लक्कशेिचें नांव हावें आयकाल्लें. ताच्या दुडवा विश्यांत, ताच्या कामा विश्यांत, ताच्या कारबारयां विश्यांत म्हजे सांगाती केदाळायी उलयताले. '.... नशीब म्हळ्ळ्यार लक्कशेिच्या होटेलांत ग्लास धुवन आसल्लो तो आज बोंबै शहरांतल्या अरद्या होटलांचो धनी. व्हडले–व्हडले हिंदी पिंतुरांचे नीर्वत्पक पयशां खातीर ताचेलागीं येतात. जायते सरकारी आडळतेदार ताच्या मूटिंत आसात. लेक मीत नातलेल्या काळ्या दुडवान बोंबैंतलें राजकीय तो हालवंक सक्ता...' अशें उलयताले.

तसल्या मनशालागीं म्हज्या धन्यान दिल्ली ल्हानशी एक चीट घेवन ताच्या कोलाबाच्या बोंगल्याक हांव पावल्लों. लक्कशेिचें नैज चित्रण म्हजे मतीं रूपीत जाल्ल्या चित्रा वरनीं विबिन्न आसल्लें. बारीक जीव ताचो स फुटी लांब... तोंड लांबशें जावन केदाळायी गंबीर. लांब काळे केस तो पाटीं उगयतालो. धोवो पैजाम आनी तसलोच कूरता न्हेसतालो. ताचेलागीं सगळ्या बोंबैक हालंवचे तितले पयशे आसतीत म्हण पयलें पावटीं ताका पळयिल्लो कोणी सांगचोना. पूण ही खरी संगत जावनासली. कोलाबाच्या बोंगल्या भितर सरताना ताचे भोंवतीं राक्सा कासताचे चोवग जण अंगरक्षक आसले.

चड वेळ ताच्या कदेलार तो बसलोना. हावें हाडलेली चीट म्हजेच करना ताणें वाचयली. उपरांत एक मिनूटभर म्हाका तीक्ष्ण द्रश्टेन पळेवन बोंगल्याच्या मेनेजरालागीं तो उलवंक लागलो. हांव ताचे समोर उबोच

आसलों. म्हजेबरीच ताचे अंगरक्षक ताचे भोंवतीं उबे आसले. तो आनी मेनेजर कितें उलयताले, हांव जाणां. फुगासांव हाडच्या तसल्या वातावरणांत उस्वास बांदून म्हळ्ळेपरीं हांव थोडो वेळ रावलों. एकाच्याणे लक्काशेठी कदेला वयलो उटलो. मेनेजर आनी अंगरक्षक ताका वाट सोडन कुशीक वोंद्वाले. ऊटल्लोच कोणायकी लेकिनासतां तूरतान शीदा बागला भायर चल्लो. ताच्या पाटल्यान ती पाटलामयी गेली. कूड खाली जालें. कितें जालें म्हळ्ळें कळनासतां हांव थंयच रावलों.

तितल्यार शेठीक आपवन हाडुंक गेल्लो मेनेजर परत आयलो आनी एका मेजा सरशीं आपयताना म्हाका ताचे मुकल्या कदेलार बसोंक हिशारो दिलो. म्हज्येलागची चीट घेवन ताणें परत्यान वाचली. मेनेजर सादारण म्हातारोच म्हण्येत. पूण जीवांत दढंग आसोन त्या कामांत हेळ्ळा म्हळ्ळें पारकियेतें.

"कसलें काम जाय तुका?" तकली उकलन म्हाका पळेत्त ताणें सवाल केलें.

"कसलेंयी जाता...." होटलाच्या धन्यान सांगल्ले परीं हावें जाप दिली.

"कसलेंयी जाता म्हळ्ळ्यार? हांगासर येताना आपूण कसलें काम करतालों म्हण तूं चिंतून येवनांय?"

"तशें कांय चिंतुंक ना... म्हाका एक काम जाय, तुमी दिल्लें काम करुंक हांव तयार..." हावें जाप दिली. कदेलाक वोणकोन थोडो वेळ तो म्हाका पळेवंक लागलो. हावें ती दिश्ट बदलिली.

"बोंबैंत तुका कोण आसात?"

"कोणीनांत. एक मावळो आसल्लो तो आतां सरला. ताच्या भूरग्यांक आनी म्हाका तितलो बरो संबंद ना..."

"गांवांत खंय तुका?"

"मंगळूरच्या मंगळ देविलागीं. पूण म्हज्या धाकट्या प्रायेर आवय सरल्ल्याफरा म्हाका बोंबै आपवन हाडल्लो त्या नंतर हांव थंय पाटीं वचोंक ना..."

हावें दिंवच्यो जापी तो कान दीवन आयकातालो. म्हजी खंत करतेलीं–तूं खंय गेल्लोय..... कितें करताय म्हण विचार करतेलीं कोणी नांत–म्हळ्ळें समजोंक तो सवालां करता म्हण म्हाका कळीत जालें. लक्काशेठीच्या

व्यवहारांत असल्याच मनशांक तो कामाक घेता.... आनी तसल्या कामांनी मात्र पयशे करयेत –हो हिशारो म्हज्या धन्या थावन म्हाका पयलोच मेळोल्लो. 'ताचीं कामां रिसकेचीं.

तूं तूरतान पयशे करुंक आशेताय तर मात्र असल्या कामाक कबलात दी. ना तर हेर दिस्पडतीं कामांयी ताचेलागीं आसतेलीं... विचारन पळे... ' अशें म्हज्या धन्यान तिळसिल्लें. पूण म्हाका तुर्तान पयशे करिजाय आसले. जाता तितले वेग्गीं बोंबैंतच म्हज्या मावळ्याच्या भूरग्यांनी रांवच्या चाली मुकार हावें एक फ्लेट घेवंक जाय आसले. फ्लेट घेतल्या उपरांत म्हज्या मावळ्याच्या धुवांनी मोसोर करिजाय, होटेलांत ग्लास धुवन आसल्लो आज फ्लेटांत रावता म्हण झळाजाय, आनी तवळ हावें तांकां भितर आपवन म्हज्या फ्लेटांत आसची विदेशी टी.वी., स्टीरियो, फ्रिज्ज, गोड्रेज हें सर्व दाकयजे. आनी ताणीं म्हाका तांच्या घरांत च्यार दीस राववन धांवडायिल्लो उडास काडिजाय. इतलें सर्व हावें करिजय तर तूरतान जोड्येत तसल्या पयशां वर्वीं मात्र साद्य. हांव सरवांकी तयार जावन्ंच त्या बोंगल्याक पावल्लों. मेनेजराचे हेळल्ले गिदा–दोळे कितेंगी म्हज्या तोंडार सोदताले तें म्हाका समजातालें.

थोड्या मौना नंतर तो म्हणालो "बोसान तुका काम दिव्येत म्हळां... पूण तुका काम दिंवचें व दीनासतां रांवचें म्हज्येलागीं आसा..."

तो थोडो वेळ रावलो. हांव ताकाच पळेत्त बसलों.

तोच उलयलो– ".....लक्कशेच्या हाताखाल कसलीं कामां चल्तात जाणांय?" "आयकोन थोडें जाणां......" म्हळ्ळें हावें हाळवायेन.

उपरांत धयर घेवन हावें सांगलें –

"सर... म्हाका पारकुंक तुवें चड वेळ घेंवचोनाका. हांगा येतानांच हांव एका तीर्मानाक आयलां. कसलें काम तुमी म्हाका दितात तें हांव करुंक तयार. म्हजे वर्वीं तुमकां लुक्साण जांवचें ना."

तो एकपावटीं म्हजे कुशीक बाग्वोन परत वोणकोन बसलो.

"वेरिगूड.... तर तूं विशय जाणांय.... विवरसून सांगचें काम उरलें. पूण इतलें मात्र हांव तुका सांग्तांकी... एकपावटीं तूं ह्या वरतुलां भितर आयल्या उपरांत पाटीं वचाजाय तर तुजी खुशी चल्चिना. एकच आमी तुका धाडिजाय ना तर तुवें जीवघात करन घेजाय."

ताच्या उलवण्याच्या धारीन म्हज्या काळजांत तोपल्लेबरी जालें. पयशे म्हाका जाय आसले... पूण मोरणाचें चिंतुंक नाका आसलें. मरयादीन आट वोरां आफिसांत घोळच्या ग्राजुवेटांक हावें पळेलां. बायल–भूरग्यांक घेवन ते होटलाक आयिल्ल्या तवळ भूरग्यांनी मागचीं खाणां दिवयताना तांच्या तोंडार मिरियो पडताल्यो. फुडाराच्या खरचाचें लेकच तांचें जिवीत सगळें गिळतालें. म्हाका असलें जिवीत नाका आसल्लें. फासट मनी... बिंदास लैफ हेंच हांव आशेतालों.... मेनेजराक हावें सम्मती दिली. सबार सवालां ताणें केलीं. तरयी हावें समादानेच्यो जापी दिल्यो. आक्रेक म्हणालो तो

"उडास दवर. तुज्या डिग्रे खातीर तुका हें काम फावो जावंक ना. बोसाक तुजी पर्सनालिटी पसंद जाल्या. त्या शिवाय तूं तुळू, कन्नड, इंगलीश, हिंदी, मराठी वाचुंक बरवंक जाणांय देकून हजारां लेकान जोड्येत तसलें काम हावें तुका दिव्येत. तुवें बोसाच्या वार्सोवाच्या बोंगल्यांत रावाजाय पडतेलें. त्या बोंगल्याक तूं गेल्या नंतर थंय आयकाल्लें–पळयलें... तुज्या कूडिंत जीव आसता परयांत दूसऱ्यांक सांगोंक न्हजो. एकादावेळा कानूनाच्या हातीं शीरकालोय तरयी मेल्यारी व्हड ना–तुज्या तोंडांतून कसलेंय भायर येवंक न्हजो. जर हांतूं कितेंय उळटें घडलें... भिंयान तुवें कितेंय सांगोंक चिंतलेंय..... तुवें तें सांगचे आदिंच मोरण तुजे मुकार येतेलें... हाका तूं तयार आसाय तर..... हांव तुका कामाक घेतां..."

इतल्या सुडाळायेन तरयी गंबीरायेन उलवन मेनेजर म्हज्या तोंडाक त्याच तीक्ष्ण नद्रेन पळेत्त बसलो. कूडी भितर म्हज्या कितेंगी चल्तालें. सिनेमांनी गुंडांच्या हातीं कश्टोंचीं व पोलिसांचे हातीं दगदोणी भगचीं थोडीं द्रश्यां म्हज्या दोळ्यां मुकार घुंवलीं. नियंत्रीत हव्याच्या त्या कुडांती हांव पूरण घामेल्लों. पूण तोंडार हावें कितेंच दाकयलेंना. ईचील्ण प्ब्टीज्थी.... खत्छीण टत्जीज.... हावें ताच्या सर्व शरतांक सय घाली. म्हजें नवें जिवीत सुरू जालें वार्सोवाच्या बोंगल्यांत हांव लक्कशेच्या अदीन जाल्या उपरांत म्हजी जिणी बदल्ली. लक्कशेक बोंबैंत तीन बंगले आसले. पालिहिल्ल्यांतल्या रायाळ बंगल्यांत तो आपल्या कुटमासंगीं रावतालो. हांगासर आपल्या व्यवहारा बाबतीं तो कोणायकी भेट दीनातलो.

कोलाबांत आसलल्या ताच्या दूसऱ्या बंगल्यांत स्मगलिंगाचीं आनी हेर कामां उग्त्यान चल्तालीं. वार्सोवांतल्या तीसऱ्या बंगल्यांत शेटिच्या पर्वणगे शिवाय कोणायकी प्रवेश नातलो. हांगासर ताचीं गुप्तीं कामां चल्तात म्हण हावें आयकाल्लें. बोंबैंतलीं शेटिचीं होटेलां तीं नांवा तेकीद मात्र... आपलो काळो दुडू धोवो कर्चे खातीर!! पूण ताचो प्रमूक व्यवहार दुस्रोच आसलो. तो कसलो आनी कितें म्हण चडताव कोणायकी कळीत नातलें.

वार्सोवाचो बोंगलो दोन माळियांचो, सकयल आसलल्याक वयल्या माळ्येर कितें चल्ता तें कळीत जायनातलें. शेटिच्या लागशिल्या मनशांनी मात्र थळाच्या कुडांक येव्येत-वच्येत शिवाय वयल्या माळियांच्या खंचायी खासगी कुडांक वचोंक शेटिच्या हुक्मे शिवाय कोणायकी पर्वणगी नातली. तो बोंगलो एका विसतार कंपौंडा भितर आसल्लो. चारांयी कुशीन उबार दोरो. रूक झडां दाटायेन वाडल्लीं आनी तांच्या मदें आसल्लो हो बोंगलो भायल्या लोकाक पारको पारको दिसतालो. चोवीस वोरांयी मुकल्या गेटीर पारोत चल्तालो. बंगल्याच्या चारांयी कोनशांनी च्यार आलशेसियन पेटे दीस रात भोंवोन आसताले! सूरवेचे दोन मयने अशेच बोंगल्याक येवन वचोन पाशार जाले. म्हाका नमियारल्लो सांबाळ चल्तालो. तेदोळ परयांत कसलेंयी काम म्हज्या वांट्याक आयलेंना मात्र न्हय बंगल्यांत कितें चल्ता म्हळ्ळें आयकोन जांव-पळेवन जांव म्हाका कळ्ळेंना. हांव सर्तेक राक्तालों.

आनी एका दिसा ती सर्ती आयलीच! त्या बंगल्याचो मेनेजर म्हज्येलागीं त्या दीस घंटोभर उलयलो. ताणें म्हज्या वांट्याक दिल्लें काम जाणा जाताच हांव शिरीं चुकलों. असलो एक व्यवहार हावें रांवच्या बंगल्यांत चल्ता म्हळ्ळें पाटल्या दोन मयन्यांनी हावें स्वपणांती चिंतुंक नातलें. आतां तें खरें जाल्लें मात्र न्हय, हावें तांतूं मुख्य पात्र घेवंक आसल्लो. हांव ताणें दिंवचो सांबाळ घेतां-तांच्या हरयेक फर्माणाक हां-हूं करिनासतांखाल जातां म्हण हावें पयलीच भास दिल्या. आतां पाटीं सरोंकयी अवकास नातल्ल्या गोंदोळांत हांव शीरकाल्लों. दक्षीण कन्नड जिल्ल्याच्या उप्पिनंगडिंत म्हाका एक सैरीक आसल्ली. ती सैरीक पक्का जाल्ली. हावें कमलाक्ष म्हळ्ळ्या नांवान थंय वचाजाय आनी त्या चेडवालागीं काजार जावन दोन दिसांनी त्या

म्हज्या होकलेक घेवन ह्या बोंगल्याक पाटीं येजाय, म्हजें काम इतलेंच! म्हाका सैरीक उलवंक फूवम्म म्हळ्ळी एक स्त्री त्या गांवाक पयलीच गेल्या.

हांव तिचो पुल्यो जावनासतलों आनी ती म्हजी मावशी. म्हाका बोंबैंत जांव, गांवांत जांव कोणी संबंदिकां नांत, आसाती एकलीच मावशी. तीच मुकार पडोन हें काजार करयता. होकलेच्या घरच्यांलागीं हावें कितें उलयजाय... तांच्या सवालांक जापी कस्यो दीजाय – हें सर्व मेनेजरान म्हाका विवरसिलें. कोणायी कडेन चडतीक उलवंक न्हजो, कितेंयी उलंवचें आसल्यार तें पूवम्मंच करता. आपणाक बोंबै एका मिल्लाच्या आफिसांत क्लार्काचें काम. कूरलांत एक ल्हान घर–इतलें गरज पडल्यार मात्र सांगाजाय.

कसल्यायी दुबावाक इडें दीनाशें गंबीर आसाजाय. काजार जाताच होकलेक आपडचें सोड– उलवंक सयत धैर घेनाये.... काजार जाल्ल्या दूसऱ्याच दिसा चेडवाक घेवन हावें आनी पूवम्मन बोंबै वार्सोवाच्या बोंगल्याक येंवचें! उपरांत कितें करिजाय म्हळ्ळें पाटीं पावताच कळतेलें. ह्या म्हज्या कामाक धा हजार रुपय बोनस जावन मेळतलो! दोन हजार भायर सरताना आनी आट हजार पाटीं पावल्या नंतर!!

हावें दीर्घ स्वास सेवलो. म्हज्या जिवा भितर जांवच्या भगणांचीं खुणां म्हज्या तोंडार दिसतीत म्हळ्ळ्या भिंयान हावें मेनेजरा हुर्त्रीं हासचें प्रयत्न केलें. पूण तो असल्या बांयतलें पूरा उदाक पियेल्लो मनीस हासोन म्हणालो

"तुवें भिंयेंवची गरज ना. चड–उणें कांय जांवचें ना. पूवम्म ह्या संग्तिंनी बरीच हेळ्ळया. हाचे आदीं आमच्ये खातीर असलीं काजारां तिणें डजना गटल्यान केल्यांत. तूं मंगळूर पावताना बस्सालागीं तुका ती मुकार येतेली. तुजी फोटो तिचेलागीं आसा. तिची फोटो तुका भायर सरताना दितां. मंगळूर थावन उप्पिनंगडीक तुका ती व्हरतेली आनी एका वळकिच्या घरा रावयतेली... भिंयेनाका–वेळा–वेळा जाय जाल्ली माहेत दीवन तुका सांबाळतेली. हांतूं चड उणें भिल्कूल घडचेंना. तुवें चिंतचें नाका आमी तुका सोडन घाल्तेल्यांव म्हण, कसलोयी व्यवहार कोडतीक व पोलिसां परयांत पावोंक शे ी भिल्कूल अवकास दीना. आतां तुवें वच्येत, आनी फाल्यां मंगळूर भायर सरची तयाराय कऱ्येत. भायर सर्च्या एका वोरां आदीं हांगा येवन तुवें जाय जाल्ली माहेत,

टिकेट आनी पयशे घेवन वच्येत. उडास दवर, हावें–तुवें हांगासर उलयलें आमच्ये मदेंच आसतेलें. स्वपणांत पासून तें भायर पडचेंना"

इतलें सांगोन ताणें वचोंक हिशारो दिलो.

अशें हांव दूसऱ्या दिसाच्या बस्सार म्हज्या पयल्या काजाराक नोवरो जावन मंगळूर भायर सरलों. मेनेजरान हें काम म्हाका ओप्सिल्या उपरांत नांनांती दुबावाचीं–कावजेणिचीं चिंन्नां म्हाका धोसतालीं.

आपूण शीरकान तर म्हजी गत कितें जाताली म्हळ्ळें चिंताना म्हाका भ्यें दिसतालें. असल्या एका कामाक आपणें देंवानाये आसल्लें म्हण भग्तालें. पूण केदाळाय व्हड गोंदोळांत हांव शीरकालां म्हण हावें लेकल्लेंगी तितल्याच सुलबायेन हांव सुटोन गेलों. रगळ्यांविणें म्हजें काजार जाल्लें. जायतें चिंतून – जायती तयाराय हावें केल्ली तरयी कसल्याचियी गर्ज पडलिना. सवालां विचारुंक मनशांच नासलीं. हावें काजार जांवच्या होकलेचें घर आनी घर्च्या मनशांक म्हज्या मतीं राज करन आसलें भ्यें पयस धांवल्लें.

एकदम पापाचीं मनशां तीं! पांच चेडवां आनी तेग धाकटे चेर्के. दिसाक एका जेवणाची गतयी सार्की नातल्ली. प्रायेक पावल्लीं दोगां चेडवां बिडियो भांदतालीं. आनी त्या पयशांनी घर चल्तालें.

बापूय तांचो कसलेंयी काम करिनातलो–वयल्यान नाकभर सोरो पियेतालो. आवय सदां पिडेसत. पूवम्मन काजारा बाबतीं पांयशीं रुपय तांकां दिल्लो. तांकां सरग मेळल्ल्या तितलो आनंद जाल्लो. घरांतल्या जोडच्या एका चेडवाक भायर धाडिजाय पडता म्हळ्ळी मात्र खंत तांकां वाडलेलीं चेडवां काजार जावन भायर वचोंक एका पांयांन म्हळ्ळेपरीं तयार रावल्लीं. तांतल्या व्हडल्यालागीं–जमुनालागीं, हिंदू शासत्रा प्रकार कसलियी गद्दळाय नासतां म्हजें काजार जावन गेलें. पूवम्माच्या बुद्वंत्कायेक हांव मेचवालों.

असल्या काजाराक तसल्याच चेडवांक ती सोदताली म्हळ्ळें म्हाका सुसतालें. बोंबै व्हरन कितें केल्यारी विचार करुंक तांक ना तसलें घर तें जावनासल्लें. बोंबै म्हळ्ळयार आपल्या दीश्टी भायर... थंय येंवचें सोड्ढां त्या विशीं चिंतची सकत सयत तांकां नासली. असलीं मनशां कसलीं सवालां म्हाका कर्तीत? निजायकी सांगचें तर पूवम्मन दिल्ल्या पांयशी रुप्यां खातीर

काजारा विणेंच तीं चेडवाक धाडुंक तयार आसल्लिंगी कोण जाणां? अशें कसल्यायी रगळ्यांवीण आमची राटावळ मुगदाली.

दूसऱ्या दिसाच पूवम्म, हांव आनी म्हजी नवी होकाल बोंबैक भायर सर्न, तीसऱ्या दिसा सांजेर वार्सोवाच्या बंगल्याक पावल्यांव. आनी दोन –आडेज मयन्यां नंतर पयलें पावटीं त्या बोंगल्याच्या पयल्या माळियेक चडचें भाग म्हाका फावो जालें. त्ये माळ्येर मदें साल आनी दोनी कुशिंनी दोदोन आनी च्यार विविंगड कूडां आसलीं. तांतल्या उज्व्या कुशिच्या एका कुडाक म्हाका धाडलो आनी म्हज्या कूडा मुकारच आसल्ल्या दाव्या कुशिच्या कुडाक पूवम्म आनी जमुना गेलीं.

भितर रिग्ताना तें कूड म्हणोंक कश्ट जाले. सार्कें सांगचें तर तें एक बोंबैंतल्या हेर फ्ल्याटांबरीच आसल्लें. भितर एक ल्हान साल, एक रांदपा कूड, म्होरी आनी एक डब्बल कोट आसल्लें निदचें रूम.

बेडरूम एकदम विशाल आसल्लें पळेवन म्हाका विचित्र दिसलें. वोणतिच्या चारांयी कुशिंनी मोलादीक पडदे वयर थावन सकयल पऱ्यांत उमकाळताले. मदगात दाट गजडी तशें रंगाळ उश्यांनी सजल्लें खटलें. जाय जाल्ल्यो रायाळ सवलत्यो सर्व तांतूं आसल्यो. कितेंयी चिंतिनासतां हांव वसतूर बदलून न्हावंक गेलों. न्हाण जावन केस उगयताना नांनांतीं चिंत्लां म्हजे मतिंत घुंवोंक लागलीं. हांगासर चल्ता तरयी कितें? आनी मुकार आपणें कितें करुंक आसागाय? दुबावी सवालांक जापी मात्र झळकाल्योनांत. तितल्यार दाराची कांपीण व्हाजली. हावें दार उगडताना मेनेजर भितर आयलो.

सुर्वेर ताणें म्हज्या यशस्वी कामाक होगळीक उचारली. उपरांत गंभीरायेन म्हणालो– "शेिच्या दंद्यांत मुख्य पात्र तुवें आज थावन खेळोंक आसा. आज रातीं भारा वोरां तुज्या होकलेक घेवन पूवम्म हांगासर येतेली, आनी तुज्या होकलेक तुजे अदीन दितेली. पूवम्म चल्तच तुवें तुज्या होकलेक बेड रूमाक व्हरिजाय, तुज्या होकले संगीं तूं आज काजाराच्या प्रथम रातिचें काम सुरू कर्तलोय. त्या वेळीं चिंतिनातल्येंबरीं तेग–चोवग दादले तुज्या बेडरुमांत प्रवेश जातेले. आनी तुजे मुकारच तुज्या होकलेसंगीं ते बलात्कारान संबोग चलयतेले....."

"कितें?" हांव एकाच्छाणें आकांतलों. अशें हावें चिंतुंकच नातलें...

"पूण हें सर्व कित्या खातीर?" विचारलें हावें रागान बोब मारून, "समादानेन आयक" मेनेजर म्हणालो म्हज्या भुजाक थापडून,

"तशें हावें तुका सांगोंक आसा आनी तुवें तशेंच करुंक आसा. हांतू कुसकुटाची बदलावण जांवचिना. तुज्या होकले संगीं मोग करुंक तूं सुरू कर्ताना चोवग दादले तुज्या रूमांत प्रवेश जाताले. आनी तुवें आसच्या स्थितेरच तुका बांदून घाल्तेले. उपरांत तुज्या नव्या होकलेचेर ते अत्याचार चलयतेले. तुज्या बेडरूमांत हें सर्व चल्ताना च्यार कोनशांनी आसच्या प्रोजेकटरां मुकांत्र हीं सर्व द्रश्यां चित्रीत जातेलीं."

हांव सगळोच गळोन गेलों. एका थराचो अव्यक्त शिर्शिरो म्हज्या शिरांनी धांवलो. हांव थंयच कदेलार कोसाळ्ळों. ह्या बोंगल्यांत चल्चो शेचिो व्यवहार आतां उगडापो जाल्लो... ब्लू फिल्म... निशेधीत पिंतुरां... आनी हांतूं पात्र घेवंक हावेंयी तयार जायजय आसल्लें. मेनेजर म्हजे सर्शी आयलो...

"भिंयेनाका व घाबर्नाका...." म्हणालो तो म्हज्या खांद्यार हात दवरून,

"... सुर्वेर तुका अशें भगचें सहज. पूण उपरांत सर्व सवयेर पडतेलें. ह्या देड–दोन वोरांच्या कामाक तू धा हजार मेळतात म्हळ्ळें चिंत. चेडवाक पयलेंच कितेंयी तिळसिनाका. कितेंयी तुका कळीत ना तशें आसाजाय, आनी एकाच्छाणे चिंतिनासतां घडचें परीं जाजाय.

कितल्या नैजतेन हीं द्रश्यां चित्रीत जातात तितल्याच व्हड मापान त्या फिल्मांक मार्केट आसता. देकून सर्व सहजपणीं जायशें तुजो पात्र बरयान खेळोन तुवें सहकार दीजाय..." हावें कसलीय जाप दिली ना.

उलवंक म्हजी जीब सुटानातली व्हय. पूण उलवन जांवचेंयी कितेंय नातलें.

"तुका पियेंवची सवय ना म्हण हांव जाणां. तरयी अजीक थोड्या धैरा खातीर इल्ली विसकी घे.... कपाटांत आसा. आनी रातीं धा वोरार तयार राव....."

इतलें सांगोन मेनेजर म्हाका सोडन बागील वोडन भायर गेलो. सबार वेळ बसल्ल्याथंयच आसल्लों हांव. सवकास म्हज्या वोचार हावें दीश्ट घाली.

वोरां आट उतरल्लीं आनी थोडोच वेळ उरला. कितेंगी म्हज्या जीवांत भास जातालें.

पूण तें कशें, कितें म्हळ्ळें समजानातलें. हावें कपाट उगडून व्हिसकेची बोतल भायर काडली. एका ग्लासांत अर्धो ग्लास भर वोतून एकाच घोटान खाली केलो. त्या दीस म्हज्या जीवमानांत पयल्या पावटीं हांव अमाल पियेलों.

वेळ उतर्तालो, अमाल चडोन येतालें. आतां त्या अमालाच्या भरान – कितेंय जांवदी... म्हाका कितें? पयशे मेळतात न्हयवे... ऊरल्ल्या विशीं हावें कित्या चिंतचें? अशें म्हाका भग्तालें. परत हावें व्हिसकी घेतली आनी त्याच्च वेळार दाराची कांपीण व्हाजली.

बोतल कपाटांत दवरून हावें वोरां पळयलीं. भर्तीं धा!! हावें बागील उग्तें केलें. पूवम्म आनी जमुना बागलार उबीं आसलीं. जमुनाक पळेवन हांव तटक्क जालों. पाटल्या दिसांनी हावें ताका सार्कें पळेवंक नातलें.

हळ्ळेचें चेडूं तें... तशेंच न्हेसतालें. ताका पळेंवची उर्भा सयत म्हाका भगानातली. पूण आतां... बोंबैच्या फेशानांच्या चेडवांक सोडन दीना तशें तें न्हेसून आसलें. प्यूर सिल्क निळशें कापाड आनी तसलोच ब्लौज शिवाय केसांची स्टैलय बदल्लेली. पूवम्मान ताका तयार करुंक जायते कश्ट काडल्यात तें जमुनाक पळयताना कळतालें. तोंडाक क्रीम... पोल्यांक तांबडो रंग... निजायकी जमुनाक पळेवन हांव आजापलों. गांवाथावन आयिल्ल्याक आनी आतां पळेल्ल्याक रात दीस म्हळ्ळयापरीं फरक दिसतालो. जमुना मात्र भितर आयलें. पूवम्म भायरच रावल्ली. एक घडी म्हाका पळेत्त रावली. उपरांत–

"बागील धांपिनाका... ताका घेवन बेडरूमाक वच" अशें गंभीरायेन सांगोन ती चल्ली. म्हजो वेळ आयिल्लो. चडतीक चिंतुंक अवकास नातलो. मुकार घडच्या सर्व घटानांक हांव बलात्कारान म्हळ्ळेपरीं तयार जालों. आनी जमुनाक घेवन हावें बेडरूमाचें दार उगडलें. आमी भितर पावल्याबरीच रूमांत एकाच्छाणें उज्वाड फांकलों. विशेस थराचो उज्वाड तो. बेडरूमाच्या चारांयी कुशिंचें पडदे कोनशाक वोंदाले. आतां म्हाका सर्व कळीत जावन येतालें.

डबलकोटाच्या मुकल्या दोनी कुशिंनी वोणद आसल्ली ती अश्र्यांची जावनासल्ली. सगळो प्रकास आमच्या कूडांत मात्र आसल्लो. अस्र्याच्या भायल्या कुशीन दाट काळोक आसलो. थंयसर कोणी आसा आनी आमकां पळेत्त आसा म्हळ्ळें म्हाका सुसतालें. म्हज्या जिवा भितर कितें घडता तें थांबून धरुंक म्हाका तांकां नातलें.

तरयी हावें आतां म्हज्या वांट्याच्या पात्राक तयार जावंक आसलें! जमुनाक हावें खटल्यार बसयलें. ताच्या भुजांचेर हावें वळू हात घालो. म्हज्या स्पर्शाक तें बारीक कांपलें. भिर्मत चेडूं....

मुकार कितें सर्व घडोंक आसा ताका कळीत ना! ताच्या तोंडार हावें दीश्ट घाली– निजायकी निसकळ आनी मुगद मुकामळ. आतां जमुना खंडीत जावन सोबतालें. क्षणान हावें ताका गोपांत आरायलें आनी हांव मुकल्या कामाक आयतो जालों. उपरांतलें विवरुंक म्हाका बरें लागाना. पूण सगळें मेनेजरान सांगलेल्येपरीं घडून आयलें. थोड्या वेळान तोंड वसत्रांनी लिपयिल्ले चोवग दढंग दादले त्या कुडाक प्रवेश जाले. भितर आयिल्लेच ताणीं बागलाक खीळ घाली. म्हज्या वेंगेंत आसल्या जमुनाक कितेंयी चिंतचें आदिंच एकल्यान ताका खटल्याक दांबून धरलें. दोगांनी म्हाका खटल्या थावन वोडन घालो..... आमच्ये मदें उर्डोणी जाली.

पूण तेगांनी सांगाता मेळोन म्हाका सुलबायेन परतिलो. म्हजे हात–पांय दोरियेन बांदले. म्हाका उबो करन, हाताक बांदलेल्या दोरियेचें पोंत, बागलाच्या हेंगर उमकाळांवच्या कोक्क्याक ताणीं बिगदिलें. आतां हांव विणग्या स्थितेर कोक्क्याक उमकाळोन आसलो!! जमुनाच्यो बोबो आनी अक्रंदन सांगचें न्हय..... घड्ये भितर ताच्या आंगा वयलीं वसतुरां पिंजून तीर जालीं.

अशेंच जायजाय म्हण पाटल्यान नीरदेशन दिल्ल्यापरीं तें घटन म्हजे समोर घडतालें.... हावें एदोळ पळेवंक ना तसलें, चिंतुंक्ना तसलें –संसारांतलें निमाणें द्रश्य थंयसर रूप रूप चल्तालें. चोवग दादल्यांनियी त्या नेणत्या कूडी वयर नमुन्यावार रीतिंनी अत्याचार चलयलो. जमुना किंक्राट मारन रडतालें, खटल्यार रगताचीं खतां दिसोंक लागलीं.

थोड्या वेळान जमुना मतिहीन जाल्लेपरीं दिसलें. ताची बोबाट रावली. पूण मतीर नातल्ल्या कुडी वयरयी अक्रमण मुंदरून गेलें. लांबायेच्या उद्वेगा नंतर सर्व अकेर जालें. पडदे पडले आनी उज्वाड पालवालो.

त्या उपरांत हावें त्या चेडवाक पळेवंक ना. मुकल्या थोड्या दिसां वरेग तें भिरांकूळ आनी मारेकार द्रश्य म्हज्या दोळ्यां मुकार येतालें. तवळ हांव जातातितलें अमाल सेवतालों आनी तें घडीत विस्रोंक प्रयत्न करतालों.

दीस पाशार जाल्लेपरिंच हें सर्व सवयेर पडलें. दोन वर्सां भितर पांच हळ्ळ्यांनी जमुना तसल्याच पांच चलियांलागीं हांव काजार जालों. एका वरनीं एक विभिन्न आनी विविंगड थरांच्या अत्त्याचारांक हीं चेडवां बली जालीं. थरावळ रीतिचीं 'ब्लू फिल्मां' ह्या क्रत्यां वयर चित्रीत जालीं.

असल्या पिंतुरांनी शे ीन कोरोडांनी पयशे कमयले. चड जावन ताणें तयारसिल्ली हीं ब्लू फिल्मां भारता भायर चोरयां विकून वेतालीं. नैजता आनी स्वाभाविकता त्या फिल्मांनी हाडचाक कांयच नेणा'स्ल्या हळ्ळेच्या मुगद तशें निसकळ चेडवांक तो बली घेतालो. म्हाकायी दरबसत पयशे मेळताले. पूण ते म्हज्येलागीं ऊरलेनांत. मतिच्या समादाना खातीर नानांत्या वायट सवयांक हांव वळग जालों. चड जावन बोंबैंतल्या वेश्या ग्रहांनी म्हजो दुडू उदकाबरी खरचून वेतालो. हांव आतां सुटोंक जायनातल्या बांदपासांत म्हाकाच चड आनी चड अंदून घेतालों. सव्या पावटीं म्हजें काजार उडपी लागशिल्या एका हळ्ळेच्या सुंदरी म्हळ्ळ्या चेडवालागीं जालें. आनी हें चेडूं म्हजें सगळें जिवीत बदलुंक काराण जातेलें म्हण त्या वेळार हावें चिंतल्लेंच ना.

सुंदरी ताच्या बापायच्या पयल्या बायलेची एकच धूव. बापूय ताचो दूसऱ्यापणाक काजार जालोना तरयी ताणें दवरन घेतलेल्ल्या ताच्या दूसऱ्या बायलेक, तिच्या सरलेल्या घोवा थावन जल्माल्लीं तेगां भूरगीं आसल्लीं. उपरांत हाचेथावन दोगां जालीं. आनी प्रायेक पावल्लें सुंदरी त्या घरांब जड जाल्लें. मावशेच्या हातीं कश्टोंच्या आनी अणकण्याचें शीत जेंवच्या सुंदरीक पूवम्मान म्हज्येलागीं काजार करन घरा थावन सुटका जोडन दिल्ली. हेरां काजारां बरी हेंयी जावन गेल्लें तरयी चेडवान मात्र म्हजें अक्कल पिड्ड्यार केलें. कसलेंगी आकरशण म्हाका ताचे थंय वोडतालें.

आदीं काजार जाल्ल्या म्हज्या होकलांक पळेंवची म्हाका भगानातली..... पूण ह्या चेडवाक परत-परत पळेव्यां म्हण जातालें. तशें कांय विशेस सोबायेचें न्हय तें. पूण कसलिगी सकत म्हजी नदर वोडची तसली ताच्या तोंडार आसली! बोंबैच्या बस्सार म्हज्या मुकल्या सिटीर पूवम्म आनी सुंदरी बसल्लीं. पूवम्म जनेलालागीं बसलेली आसतां तिच्या उज्व्याक बसल्ल्या सुंदरिचें अर्वास तोंड म्हाका सार्कें दिसतालें. काजारा दिसा हावें त्या तोंडा वयर तितलें गमन दिल्लें ना. पूण ताका घेवन बोंबै भायर सरताना हावें ताच्या तोंडार सार्कीं दीश्ट घाली. मुगद उरूट तोंड तें. तांबशी गोरसाण त्या कातिची. दोळेयी ताचे परजळीक आसोन व्हड आसले.

पूण त्या मुखामळार उटोन दिसतालें ताचें नाक! विशेस एका थराची सोबाय त्या नाकाक आसल्ली. मोंडू नाक तें. नाकाची लांबाय रुंदाय हळताची. पूण नाकाचीं फुडां मुकल्या कुशीन उटोन रावल्यांत तशें आसोन, नाकाचें पोंव आकासाक पळयता म्हळ्ळेपरीं पाटीं बाग्वालें. त्या नाका वरविंच जाव्येत एकाथराचीं पोक्री खुणां तोंडार उटोन दिसतालीं.

व्हय..... त्या नाका खातीरच जाव्येत परत-परत त्या तोंडाक पळेव्यां म्हण म्हाका भग्तालें. बापायक सुंदरिचो चिक्के चड मोग आसलो जायजाय. ताका घेवन आमी भायर सरताना तो ताका पोटलून धरन रडल्लो. सुंदरीय रडल्लें. उपरांत धुवेक ताणें आमच्ये संगीं धाडलें. आपल्या धुवेक आपूण कसायगारांच्या हातीं दीवन धाडतां म्हळ्ळें त्या भीरमोत गरिबाक कितें कळीत? बस्स धांवतालें आनी हांव चिंतालों.

वार्सोवाच्या बोंगल्याक पावल्या नंतर ह्या चेडवाची गत कसली? ताची बोब..... ते आकलास.... हावें मुकार मुकार पळेवंक आसात! बारीक तेल्ती कूड ताची थोड्या वेळा भितर त्या चोवगांचे हातीं पूड जातेली. त्या प्रोजेकटरा समोर ताच्या हरएका निसकळ-निर्मल विश्व्यांक ते घास मारतेले. म्हाका हीं द्रश्यां सवयेक पडलेलीं व्हय. पूण आज सुंदरीक मुकार दवरून तें नियाळताना म्हज्या जिवांव एक थरशें भगलें. हावें परत्यान सुंदरिचेर दीश्ट घाली. कितेंच कळीत नातली ती शेळी आपल्याच चिंत्नांनी रेवडोन, धांवच्या रूक-झडांक आजापोन म्हळ्ळेपरीं पळेवन बसल्ली.

म्हजी दीश्ट ताच्या नाकार गेली. तें सोबीत नाक ते राक्कोस चाबोन पिड्ड्यार करतात कोण्णा.... एकाच्छाणें काळजाक सुरी तोपल्ल्या बरीं जालें म्हाका! दोळे धांपून हांव सिटीक वोणकालों आनी तीं चिंत्नां मतिंतलीं धांवडावंक उर्डालों. पूण ना.... तीं द्रश्यां बलात्कारान म्हजे मुकार येवंक लागलीं....... सुंदरी बोबो मारतालें. दोगांनी ताचे बावळे खटल्याक धांबून धरल्ले. एकल्यान पांय वोडन धरल्ले.... आन्येकलो त्या कुडीर अक्रमण करतालो.

सुंदरी किंक्राट मारन म्हाका कुमकेक आपयतालें.... देदेस्परार जालों हांव एक घडी बस्स रावन जातातितली विसकी घोटून येंव्यांगी म्हण भगलें. आज कित्या अशें जाता? कितलें विस्रोंक प्रयत्न केल्यारी वयर-वयर तीं द्रश्यां कित्याक उडासाक येतात?

म्हजी दीश्ट परत सुंदरिचेर गेली. दाव्या कुशिच्या जनेलांतल्यान भायर पळेत्त आसल्ली ताची दीशछ एकाच्छाणें म्हजेर घुंवली. आनी लजेवन तें हासलें. हांव केदनांयी गंबीर रावोंक प्रयत्न करतालों. देकून जायजाय तें म्हाका पळेवन हासोंकी भिंयेतालें. एदोळ वरेग एक सब्द सयत हांव ताचेलागीं उलयलोनां. तें चोरयां म्हाका पळेवन हासोंक प्रयत्न करता तें हांव जाणा'स्लों. आतां ताची म्हाका भिर्मत दिसली. हावेंयी हासो पाटीं दिल्यो. हांव हासल्लों पळेवन ताका भगलेल्या संतोसाचीं खुणां ताच्या तोंडार परजळ्ळीं. नाक ताचें फुल्लें. आतां तें आनिकी सोबीत दिसलें.

एकाच्छाणें ताणें आपलो हात मुकार वोड्डायलो.... त्या हातीं चणें आसल्लें, कितें करूं? म्हाका तक्षण गम्लें ना. हावें तें घेतलेनांत तर चेडूं निरासतेलें. ताका दुकवंक म्हाका बरें लागलें ना. हावें चणे घेतले... आनी दोळ्यांनी हातांनी–

"तुज्या कुशिची मोटी, पूवम्म पळेयत चत्राय' म्हळ्ळें बरी हिशारो केलो. ताका कितलें समजालें हांव नेणां... पूण त्या उपरांत तवळ तवळ म्हाका पळेवंक आनी हासोंक सुरू केलें. हासताना त्या तोंडाक पळेंवचीच एक माझ्झा! कळात जाल्यार पूवम्म एकाक एक दुबाव करीत म्हळ्ळो उडास आसल्यारी त्या तोंडांक, त्या नाकाक पळेंवचो संद्राप हावें होगडायलोच ना.

बस्स धांवतालें. वोरां दोनपारांची बारा जाताना आमचें बस्स कुंदापूरच्या एका होटला मुकार जेवणा खातीर रावलें. हावें लागशिल्या बाराक वचोन व्हिसकी घब्चोन खाली केली शिवाय आनएक क्वार्टर पार्सेल करवन सुंदरी आनी पूवम्म जेवणाक बसल्ल्या मेजा सरशीं आयलों. सुंदरी म्हज्या तोंडाकच पळेवन आसा तें म्हाका कळतालें तरयी पूवम्म म्हाकाच्च पळेवन आसली जाल्ल्यान हांव गंभीरायेन्ंच बसलों.

बस्स परत चालू जालें. बस्स सूटल्लेंच सुंदरीन पाटीं घुंवोन आपलो उज्वो हात मुकार हाडलो. ताच्या हातांत दोन चोकलेटां आसल्लीं. म्हज्या पाटल्यान मुकल्यान बसल्ले पयणारी आमकां पळेवन हासलें. म्हाकाच्च कळीत नासतां म्हळ्ळेपरीं हावें चोकलेटां घेतलीं. "दोनी न्हय-एक म्हाका जाय' म्हणालें तें आनी अवाज करन हासलें. भिंयान म्हजो जीव मुयेतेदो जालो. पूवम्म पळयत तर?

हावें वे-वेग्गीं एक चोकलेट ताका पाटीं दिलें आनी 'आवाज करिनाका-बस' म्हळ्ळेबरी हातभास केली. 'नीरबागी नेणतें चेडूं.....' चिंतलें हावें '.... आतां कितल्या संतोसान आसा.... आपूण सुखाक पावल्यां... बोंबैंतल्या सुखाळ फुडारा खातीर नोवऱ्या संगीं भायर सरल्यां म्हण तें चिंता जायजेय..... मुकार केदी व्हड निराशा ताका राकोन आसा...' हें चिंताना म्हजी मत पिसांतूर जाली.

शेचिं काम जाताच त्या चेडवांक तो हेरांक विक्तालो. आनी अशें हाता थावन हाताक पावोन निमाणें चिंवोन काडल्लीं चिंवडां कशीं खंच्यायी तीसऱ्या वरगच्या गल्लेक पावतालीं. निराशेचो एक दीर्घ श्वास सोडलो हावें. ह्या चेडवाचियी गत तिच्च... हावें ताका बचाव करुंक न्हजोगी? एकाच फरा तकलेंत घडगडो मारललो अनुभव जालो म्हाका.

हें चिंताप म्हज्या मतिंत कशें आयलें? हावें सुंदरिचेर दीश्ट व्हेली. गोमटी लांब करन मुकल्या रसत्याक तिळून आसलें. 'सुंदरीक हावें बचाव करुंक जायनांगी?' परत तेंच सवाल, म्हजी चिंत्नां बदलुंक हांव सिटिवैर हुळवुळोन सार्कों बसलों. हावें दोळे धांपले. आतां तिंच आदलीं द्रश्यां..... पडदे...... उज्वाड......

प्रोजेकटर..... किंक्राटो..... देवा..... देवा..... तकली खंचायी पात्राक आपटियां म्हण भगलें. कांय तरयी वाच्यां म्हण हावें कुंदापूर घेतल्लें म्यागजीन सोडयले दोळे अक्षरां वयर आसल्लें.....

पूणमत म्हजी दूसऱ्या कामार आसल्ली. हांव सुंदरीक घेवन धांवतालों... पाटल्यान सुरियो तलवारी घेवन शेचिें गूंडा धांवोन येताले......

आनएक कडेन एक घर.... धाकटुलें सोबीत एक घर! हांव आनी सुंदरी तांतूं जियेवन आसतां, एकाच्छाणें पाक्याचे नळे काडन शे ी गूंडा दोरियांनी सकला देंवालागले! सुंदरीक ताणीं व्हरनाशें हांव ताचेलागीं झगडतालों....

चित्रां म्यागजिनाचेर धांवतात'शीं भास जातालीं. हावें म्यागजीन धांपलो. चिंतां चिंतां बस्स धांवतालें..... वेळ उतरतालो....

सुंदरी वार्सोवाच्या बंगल्याक लागीं जातालें. सांजेच्या पांच वोरार बस्स शिर्सी रावताना हांव एका दृढ नीरदाराक आयलों.

सांजेची काफी पियेवंक प्रयाणीक देंवताना हांवी उटलों. पूवम्म उटली ना, आपणाक कांय नाका – ह्या चेडवाक जाय तर आपवन व्हर म्हणाली. हांव सब्द काडिनासतां बस्सा वयलो देंवलों. म्हज्या पाटापात सुंदरियी आयलें. होटलांत एका कोनशांत म्हज्या मुकल्या कदेलारच तें लजेन बसलें. हावें ताच्या तोंडार आतां सारकी दीश्ट घाली. ताचें नाक म्हाका हेडायताशें भगलें. अपरिमीत सोबाय त्या नाकाची! पाटीं काडिनातल्या म्हज्या दिश्टीन सुंदरीक सलवयलें आनी ताणें तकली पंदा घाली.

"कितें जाय तुका?" हावें विचारलें. "कितेंयी जाता.... तुवें सांगल्ले!" तकली उकलनासतां ताणें जाप दिली. हावें वेयटाराका केळीं हाडुंक फरमायलें. सुंदरीक ताका मुकार जांवच्या अपायांचो हिशारो दिव्यांगी म्हळ्ळें चिंताप म्हजें थंय उदेलें. पूण तक्षण हावें ती आलोचन सोडली. भिंयान ताणें करच्या वरवीं पूवम्माक दुबाव जायत तर चिंतलेली मांडावळ पिड्ड्यार जातेली.

आतां कितेंच सांगचें नाका. हांव एका नीरदाराक पावल्लों. शेच्या हाता थावन सुंदरीक बचाव करची मांडणी हावें केल्ली. एक दीस ना तर एका दिसा हावेंयी शेच्या पंगडा थावन भायर येजाय आसल्लें. तीन वर्साचें म्हजें जिवीत ताचे खाल कांठाळ्याचें जाल्लें. सुंदरीकयी बचाव करचें,

सांगाताच आपणाकयी तांतलें सुटंवचें एक योजन म्हज्या मतिंत रूपीत जाल्लें. हावें केल्ली मांडावळ व्हडा अपायाची म्हळ्ळें हांव जाणासलो तरयी भीरमोतेन ताचेर जयत व्हेल्लें. कसल्यायी अन्वारांक फूड करुंक हांव आयतो जाल्लों.

बेळगांवांत रातीं बस्स जेवणाक रावलेल्या वेळीं सुंदरीक घेवन पूवम्म थावन फळापळ घेंवची आलोचेन हावें केल्ली. कितेंयी कळीत नातल्या सुंदरीक आतां हें तिळसिल्यार ताच्या तोंडार व चालिंत जांवच्या बदलावणेंनी पूवम्माक दुबाव जातालो म्हण लेकून हावें ताका कितेंच सांगलेंना. काफी पियेताच आमी परतून बस्सार बोसल्यांव. बस्स परत्यान बोंबैक मुकार धांवताना हांव बोंबै थावन पाटीं धांवोन येंवची आलोचन मुंदरिली. सवकास काळोक पडोन येतालो.

आट वोरांचेर हावें पारसेल बांदून हाडल्ली व्हिसकेची भायर काडली. उदाक कांयच भरसिनातलें तें द्रव्य ताळ्याक वोतलें. नंतर बस्सार पेटलेल्या मसक दिव्यांच्या उज्वाडाक हावें मात्या वयल्या कंताळांत दवरलेली सूटकेस वळू सकयल काडली. सूटकेस भायर व्हरुंक अस्पद नातलो. पूण सूटकेजिंत म्हज्या कामाक जाय पडचे थोडे पयशे आसल्ले. ती नोटांची आ ी काडन हावें बोल्सांत घाली. आनी सूटकेज आसातसीच पाटीं दवरली. उपरांत चन्नायेन हावें पयशें लेक केलें....

शेंबोरांचे पांत्तीस नोट आसल्ले. भायर सरच्या आदीं मेनेजरालागीं पांच हजार मुंगड घेतल्ल्यान बरयाक पडलें. शे च्या दोळ्यां थावन पयस पावोंक हे पयशे सद्द्याक पुरो म्हण हावें लेकलें. बस्स रातिच्या सुमार साडे नोवांचेर बेळगांव जेवणाक रावताना ऊरल्ली व्हिसकी खाली करन हांव उटलों. म्हजें नशीब बरें आसल्लें जायजाय. पूवम्म आतांयी सिटी वयली उटलिना, ती अरद्या निदेंत आसल्ली. आपणाक पोट दोनपारांथावन सार्के ना. म्हाका कांय नाका. तुमी जेवन येया... म्हणाली ती....

हांव बस्सा थावन देंवलों आनी म्हज्या पाटापाट सुंदरी, आमी दोगांयी होटला कुशीन मुकार गेल्यांव. बस्स रावल्लें होटेलाच्या मुकल्या मारगार, बस्सार बसल्ल्यांक होटेलाची मुकली वाट सारकी दिसताली.

बस्सा थावन पूवम्म आमकां पळेयत आसतेली म्हळ्ळो अंदाज म्हजो. होटेलाच्या बागलार पावताच हावें वळू घुंवोन पळयलें. एकाच्छणें काळजांत म्हज्या धसक जालें. बस्साथावन देंवोन पूवम्म होटेला कुशीन येताली. हांव रावल्लों पळेवन सुंदरियी रावलें. पूवम्म आमच्ये संगीं देंवोन आयिल्ली तर म्हजो उपाव दुस्रोच आसलो. पूण तिणें आपूण येना म्हळ्ळ्यान सर्व सार्कें जालें म्हण लेकल्लें हावें. आतां कित्याक तिणें आलोचन बदलिलिगाय?

तोंडार कितेंयी दाकयनासतां हांव तिकाच राक्तां म्हळ्ळेपरीं थंयच रावलों. ती लागीं पावली 'वचा तुमी जेवाण करा... म्हाका चिक्के कूडिची गरज तीरसुंक आसा...' अशें म्हणोन ती काक्साचे वाटेन मुकार गेलीं. ती आमच्ये संगी आयिल्ली तरयी हांव ह्याच संदरबाक राक्तालों...... ती तसल्या एका गरजेन सुंदरी थावन विंगड वेतेली.

त्याच वेळार सुंदरीक घेवन परारी जांवचे.... अशें हावें लेक घालें. आतां जाल्यारी घडलें तशेंच. ती आमच्या दोळ्यां भायर जाल्लीच सुंदरिचो हात हावें आरायलो. एकाच्छारां तें घडबडलें.

पूण हावें ताका कितेंच उलवंक अवकास दिलोना. हाताक धरन वोडन्ंच म्हळ्ळेपरीं ताका हावें रसत्याक हाडलें. बस्सा थावन चिक्के पयस वरेग आमीं सरारां चलोन्ंच गेल्यांव, नशीबान मुकार एक खाली रिक्षा मेळ्ळी. ती हावें रावयली, सुंदरीक लोटून म्हळ्ळेपरीं रिक्षार बसवन बेळगांवच्य बस्सस्टेंडाक रिक्षा धांवडावंक हावें फरमायलें.

धा मिनुटां भितर रिक्षा बस्सस्टेंडाक पावली. सर्व आमकां जाय तें घडोन येतालें. बस्स निल्दाणांत एक व्याक्सी उबी आसली. जाता तितल्या वेग्गीं हुबळी सोडल्यार जाय तितले पयशें दितां म्हण सांगल्ल्यान ड्रैवर ओपलो. अशें आमी त्वरितायेन हुबळी पावल्यांव.

सुंदरीक कितेंच समजोंक ना. आमी बस्स कित्याक सोडलें? कारार कित्याक पाटीं वेचें? हें कांयच ताका कळीत नातलें. 'आपणांचें बेग बस्सार आसा' म्हणालें तें एक पावटीं... 'व्हड ना– हांव तुका नवीं कापडां घेवन दितां' म्हळ्ळें हावें उपरांत तें कितेंच उलयलें ना. हुबळिच्या एका होटलांत आमी ती रात सारली. सुंदरिचेर हावें बोट सयत लायलेंना.

तसली हुमेदयी म्हाका नातल्ली. हांव दूसऱ्याच चिंतांनी मग्न जाल्लों... सुंदरी निदलें. हांव सगळी रात घड्येन-घडी विसकी मारन मुकलें योजन नियाळतालों. होटला थावन भायर वचोन एक कार हावें भाड्याक केलें. आनी सकाळिंच्या आटां भितर आमी हुबळी उत्रोन मंगळूरच्या वाटेक लागल्यांव.

आनी हांगा थावन म्हज्या जिविताचो रसतो बदल्लो. हांव आतां संसारी मनीस जाल्लों. सुंदरी संगीं म्हजी जिणी हावें सुरू केल्ली. मंगळूर पावताना थोडे पयशें म्हज्येलागीं आसल्ल्यान नागोरिच्या गरोडी पाटल्यान आसच्या वठारांत थोडे पयशे मुंगड दीवन एक ल्हान बिडार हावें भाड्याक घेतल्लें. सूरवेचे थोडे दीस संतोसान्‌च पाशार जालें म्हण्येत. हातांतलें पयशे मुगदोन येताना म्हाका फुडाराची खंत सुरू जाली.

पूण म्हज्या अदृश्टान जायजाय आमच्या सेजारच्या एका मनशाच्या म्हिनतेन कोडियालबैल एका वकीलालागीं गुमासताचें काम लागलें. सांबाळ उणो, पूण हावें परवा केलिना. नशीब आसल्यार बरें काम मुकारीं मेळतेलें म्हण चिंतून कामाक लागलोंच. आतां म्हजें जिवीत संतोसाचें जाल्लें. सुंदरी संगीं आदलें सर्व हांव विसारलों. बस्सार हावें धैर घेवन घट मन केल्ल्यान कितल्या बरयाक पडलें म्हण हांव चिंतालों.

शेठिचो उडास येताना म्हजें काळीज कावजेणेन दडदडतालें तरयी मंगळूर थावन तो आतां सुमार मैलां पयस आसा- त्या शिवाय हांव बेळगांव थावन मंगळूराकच्च धांवोन आयलां म्हण ताका कशें कळीत? थोडे दीस बोंबै-बेळगांवचा सुत्तुरांनी सोदयतालो, नंतर आपापीं विचारतालो-असल्या चिंतांनी हांव म्हाकाच धयर दितालों. सुंदरी बोव खुशाल आसलें. ताच्या तोंडाक पळयताना, हावें आदीं केल्ल्या सर्व कर्मांची विसर पडताली. एका चेडवाक पुणी त्या येमकोंडा थावन हावें सुटका दिली म्हळ्ळें चिंताना म्हाका समादान भगतालें. संतोसान आमी दीस सारताल्यांव.

सुंदरी संगीं बसोन उलंवच्या आशेन हांव कामा थावन धांवोन येतालों. तितल्याच अत्रेगान सुंदरी म्हाका राकोन आसतालें. त्या नेणत्या मुगद तोंडार आसच्या त्या सोबीत नाकाक पळयताना म्हजी पुरासण धांवताली. त्या नाका वरविंच म्हज्या जिण्येंत बदलावण जाल्ली. घर करन सांगाता जियेंवच्या

जिवितांत मेळचें खरें सूख हावें भगुंक काराण जाल्लें तें नाक.... ताका हांव जन्म–जन्मांतर ऋणी जावनासतोलों म्हण हावें निचेव केल्लो.

पूण एक उणेंपण त्या नाकार दिसतालें. तें नाक मूगुती नासतां बोर आसलें. ल्हानपणार काडल्लो बुराक थंय आसल्लो तरयी तांतूं एक मूगुती आसल्ली तर त्या नाकाक आनी कितली सोबाय येती कोण्णा. सुंदरीक पळयल्या नंतर म्हज्या मतिंतलीं चिंत्नां हीं. असली–तसली मूगुती न्हय, भांगाराची मूगुती त्या नाकाक सोबयतोलों– म्हळ्ळीं म्हजी गुपित्त आशा जावनासली.

पूण भांगाराची मूगुती करंवची म्हळ्यार उण्यार तिनशीं–चारशीं रुप्यांची संगत. आतांच्या म्हज्या परिसथितेंत ती असाद्याची गजाल जावनासली. वयल्यान आमचो नवोच संसार जाल्ल्यान मयन्या–मयन्याक घरा जाय जाल्ल्यो गरजेच्यो वसतू–बोशियो, कोपां, आयदाना, कदेल, बांक –इत्यादी एएकच घेतालो तरयी हरएका मयन्यांत थोडे पयशे तरयी उरवन त्या नाकाक एक मूगुती करन घाल्तालों म्हळ्ळो निचेव हावें केलो. कश्टांनी तरयी संतोसान आट मयने पाशार जाले. त्या एका सकाळीं हांव सदांचे परीं बस्सा थावन हंपनक ा देंवोन कोडियाळ बैल्च्या वाटेन घुंवच खातीर रसतो उतरचें आ ाणे करताना, मुकल्या रसत्यार दीश्ट पडल्लीच म्हजें काळीज रावलें.

रावलेल्ल्याकडेन हांव रूक जालों. मुकल्या रसत्यार म्हजेबरी रसतो उतरन हेवशीन येवंक राकोन आसल्ली एक वेक्ती–घड्येन हावें ताची वळक धरली. जन्ना –लक्काशे ि चो बोडिगारद! कितें करुंकी म्हाका तक्षण मतीक आयलेंना. घुंवोन पाटीं वचोंकी अवकास नासलो. रसत्या मदें वाहना उणीं जाल्लीं देकून तो तूरतान ह्या वाटेक येतालो. तक्षणांच हावें खंय नातल्लें धयर घेतलें आनी शीदा ताका पळनातल्याबरीच मुकार–मुकारच ताका उतरन तेवशिल्या वाटेक पावलों. पाटीं–घुंवोन पळेंवचें धैर म्हाका नातलें. हांव म्हज्या वाटेन चल्तालों तरयी मत थारयार नातली.

आफिसाक पावताच स्थिमिताक येवंक थोडो वेळ लागलो. ताणें म्हाका पळेलेंगाय? पळैल्यार उलयलोना कित्याक? वळक पुणी मेळ्ळिनांगी? या पळेवन पळेनातल्यापरीं नटन पुणीं केलेंगाय? नांनातीं दुबावी चिंत्नां मतिंत घुवोंक लागलीं. हांव मंगळूरांत आसां म्हळ्ळी खबार शे ीक पावली तर

आपल्या जणांक धाडन सगळें मंगळूर वोमतें-उदारें करन शे ी म्हाका धरयतोलो खंडीत.

ह्या उपरांत मंगळूरांत रांवचे करुटांचें जालें. कठीण निराशा म्हाका भगली. सुखाचें म्हजें जिवीत एका पांवड्यार आसतानांच अशें घडल्लें चिंतून देदेस्वार जालों हांव. तरयी 'जन्नाक वळक मेळ्ळया या ना' हो दुबाव म्हाका धोसतालो.

ताचेर म्हजी पयली नदर पडतां तो म्हाकाच पळेवन आसलो. पूण रसतो उतरताना हावें ताच्या तोंडाक पळेवंक ना, तो म्हाका पळयतालो या ना तेंयी म्हाका कळीत ना.....

हांवच कांय भेरुटो दुबाव करतांगाय? सुंदरी संगीं आदल्यां सर्व संग्तिंक हांव विस्रोन येतालों. आतां परत भिंयाचो शिर्शिरो म्हज्या शिरांनी व्हाळोंक सुरू जाल्लो. शे च्या पंगडांत आसात चडावत जण मंगळूरचे.... जन्ना रजेर गांवाक आयिल्लो जायजेय. आतां किंतेंयी जांव, जन्नान म्हाका पळयलेंच जालें, पूण सद्याक ताका म्हजें आफीस या म्हजें घर खंय तें कळीत ना.... कसली तरयी बंधबसत करिजाय.

रजेर आयिल्लो जन्ना पार्टी वेतासर पुणी आपणें चन्नाय घेजाय. अशें म्हाकाच थोडें समादान करन घेवन हांव म्हज्या कामाक लागलों. दनपरां तीन वोरार वकीलासंगी कोडतिचें काम मुगदोन आफिसाक पावताना आफिसांतल्या स्टेनोन म्हाका एक मारेकार खबार सांगली. अरद्या वोरा आदीं दोग जण आफिसाक आयिल्ले मधुकर म्हळ्ळ्याक विचारन, पूण स्टेनोन तांकां तिळसिलेंकी मधुकर नांवाचो हांगा कोणी ना...

प्रबाकर जाल्यार आसा म्हण. उपरांत मधुकर न्हय-प्रबाकरच जाय जाल्लो वेक्ती म्हण ते ओपवाले. म्हजें घर खंयसर म्हण ताणीं विचारलें. पूण चेडवाक हांव गरोडिलागीं रावतां म्हण मात्र कळीत नातलो. देकून ताणें खंयगी गरोडी लागीं रावतां म्हण मात्र तिळसिल्लें. त्या नंतर ते चल्ले. ताचे थावन ही खबार आयकोन हांव एकाच्छाणें लागशिल्या कदेलार गळ्ळों. चेडवालागीं हावें तांच्या जीवाची परिचय विचारली. ताणें सांगल्ल्या प्रकार दोगां पयकी एकलो खंडीत जावन 'जन्ना' जावनासलो! तर जन्नान काम सुरू केलां. हावें

आफिसाच्या घडियाळार दीश्ट घाली. वोरां साडेचार जातालीं. जिवांत भलायकी नां म्हण सांगोन हांव उटाउटीं रिक्षा धरन घरा पावलों.

दाराक खीळ घाल्ली. म्हाका तक्षणा उडास आयलो... सुंदरीक थोड्या दिसां थावन पांयांचीं–हातांचीं बोटां वोळतालीं....

चिमटे काडल्यारी दुकाना म्हण तें म्हणतालें. देकून हावेंच ताका आज दाक्तेरालागीं वचोन परीक्षा करय म्हण सांगल्लें. घरा कुशिच्या स्त्रीयेक सांगाता घेवन वच म्हळ्ळेल्यान हांव तांच्या घरा गेलों. भूरगीं भायर सोप्यार खेळतालीं. तांची आवय सुंदरी संगीं गेल्ली जाल्ल्यान हावें तांच्या आज्येक उलो दिलो. थोड्या वेळान भायर आयली ती....

"अरे..... आज कितें वेग्गीं आयलोय....." म्हणाली ती हासोन,

"चिक्कें पयलें पावल्लोय तर तुजे ईश्ट तुका मेळते. धा मिनुटां आदीं तुका विचारन गेले मात्र." तिचीं उत्रां आयकोन परत्यान हांव कंगाल जालों. जन्ना तर हांगांयी पावला? चिंतानांच जिवांत म्हज्या कांप सुटली. म्हातारेलागीं सारकी खबार काडताना ती म्हणाली:

"सुंदरी आनी ह्या भूरग्यांची आवय दाक्तेरालागीं भायर सरन गेल्ल्या १५ मिनुटांनी दोग तरनाटे रिक्षार आयले. प्रबाकराचें घर खंचें म्हण ताणीं विचारलें. तीं घरा नांत म्हळ्ळें हावें. तो कामाक गेला आनी ताची बायल दाक्तेरालागीं गेल्या. तुमी कोण म्हण विचारलेल्याक आमी ताचे ईश्ट म्हणाले ते. चडतीक कांय उलयनासतां तांचे–तांचे भितर कितेंगी पुस्पसले आनी आमी तो घरा आयल्या उपरांत येतांव म्हण सांगोन आयिल्ल्याच रिक्षार चल्ले...."

इतलें सांगोन म्हातारी भितर गेली. हांव तूरतान म्हज्या बिडाराक आयलों. मुकार कितें करूं तें म्हका कळ्ळेंना. ह्या घरांत फुडें रावल्यार म्हज्या तशें सुंदरिच्या जिवाक अपाय आसा तें खंडीत म्हळ्ळें हांव जाणा'स्लों. जन्नान सकाळीं म्हजी वळक धरल्या. बहुशा तो म्हज्या पाटापट येवन म्हजें आफीस पळेवन पाटीं गेला. उपरांत आपल्या सांगात्याक घेवन परत येवन, हांव नातलों पळेवन स्टेनोलागचो म्हज्या घरचो अंदाजाचो विळास घेवन ते गरोडीक आयल्यात. आनी सोदून–सोदून म्हज्या घरायी पावल्यात–आसो हावें अंदाज केलो. म्हजें घर ताणीं सोदून काडल्या नंतर आमी हांगा

रावानाये... हावें आम्सोरान गरजेच्यो वसतू सर्व बेगांत आनी गोण्येंत व्हरुंक जांवच्यो तसल्यो भरन घेतल्यो.

वेळ काडुंक उपाव नातलो, खंचायी वेळार ताणीं परत येव्येत आसल्लें. मारेकार मनीस जन्ना खंचायी संगतीक पाटीं सरचो न्हय, आतां हें काम शे ीचेंच जाल्ल्यान शे ीक खूश करुंक कितें करुंकी तो तयार आसतलो. जातातितल्या दर्वडान हावें थोडो सामान, सुंदरिचें बेग, ताचीं गरजेचीं वसत्रां तशें म्हजेंयी वसतूर सर्व आरायलें. रसत्याक येवन एक रिक्षा हाडन सर्व सामान ताचेर भरलो आनी घराक भीग घालन कोणायकी तिळसिनासतां हांव भायर सरलों. कंक्नाडी एका खासगी दाक्तेरालागीं वेतां म्हण सुंदरीन म्हाका सांगल्लें. पुन्यान हांव थंय पावताना तीं भायर येतालीं मात्र. सुंदरीक हावें रिक्षार बसोंक सांगलें. सांगाता आयिल्ल्या बायलेक तूरतान एका सयऱ्यागेर वचुंक आसा म्हळ्ळें नीब दीवन तिका रिक्षाक पयशे दीवन धाडलें.

हांव आनी सुंदरी शीदा वालेन्सियाच्या सूटरपेटेक आयल्यांव. थंयसर थोडीं बिडारां खाली आसात म्हण हावें आयकाल्लें. नशीबान चड तक्रार नासतां दोनशीं रुपय मुंगड दीवन एका कुडाचें बिडार आमकां लाबलें. ह्या वेळीं खंचायी मात्यांत रिगोन बसोंकी हांव तयार आसलों. सुंदरिच्या मूगुती खातीर पाटल्या थोड्या महिन्यां थावन उरयिल्ले पयशे आतां उपकाराक पडले. एकपावटिंचाक आमी आन्वारांतलें सुटल्यांव, पूण मुकार कितें? कावजेणेन आनी भिंयान थोडे दिवस पाशार जाले. भायल्या रसत्यार एक रिक्षा रावली तर म्हजें काळीज दडदडतालें. ह्या वेळार सुंदरी म्हाका धयर दितालें. शे ीची गजाल हावें थोडी-थोडी ताका समजोंच्या रितीर सांगलेली.

पूण ह्या परिस्थितेचो दाव म्हाका लाग्ता तितलो ताका भगानातलो. हांव शे ीक परिपूरण वळकातालों. ताचे हातीं आमी परत्यान शीरकाल्यांव तर तो कितें करीत म्हण जाणां'स्लों. म्हाका म्हज्या जिवाची खंत नातली. मेळ्ळ्यार म्हाका धरतेले आनी जिवेशीं मारतेले..... मारुंदीत! ताका हांव तयार आसलों! पूण सुंदरिची गत कितें जायत?

हें चिंतुन्ंच हांव चड आनी चड विरार जातालों. दीस पाशार जाताले. हातीं आसल्ले पयशे कितल्या सुक्षिमायेन खरचिल्यारी खिरोन येताले. कितले दीस भितरच बस्येत? परत म्हज्या आफिसाक वेची आलोचन हावें

सोडल्ली. मंगळुरांत आनी हावें रांवचें अपायाचें. बोंबैंत शेच्या पंगडांत आसचे सर्व मंगळूरचे. ते जन्ना बरी येवन–वचोन आसतेले. खंचायी वेळार आपणाक परत हीच गत येतेली.

हावें एक धाड आलोचन केली. सुंदरिच्या बचावे खातीर हावें ताचे थावन थोड्या तेंपाक तरयी पयस आसाजाय. सुंदरिची वळक पूवम्माक शिवाय शेच्या पंगडांतल्या हेरांक ना. तशें जावन आपणें लागीं नातल्यार सुंदरीक कसलोयी अपाय आसचो ना.

खंय तरयी पयशिल्या शहेरांत घोळचें आनी मयन्या–मयन्याक पयशे धाडन सुंदरीक पोसचें. पूण तें एक्सुरें रावात? म्हाका कुशिल्या बिडारांत रांवच्या म्हातारेचो उडास आयलो. तिका तिचीं म्हळ्ळीं कोणी नातलीं.

व्हडांगेल्या घरांनी कात्ते चाक्री कर्न ती आपलें पोट भर्ताली आनी रातीं येवन घरा निदताली. हांगा पावल्ल्या थोड्याच दिसांनी सुंदरीक तिची ईश्टागात जाल्ली. सुंदरीक धयराक ती आसतेली. जाय जाल्ल्यार तिच्या पोटाचो खर्चयी आमिंच पळेंवचो......

असल्या चिंन्नांनी म्हजी आलोचन दृड जाली. त्या रातीं जायतें समजावन आनी विवर्सून म्हजी आलोचन हावें सुंदरीक सांगली. सुर्वेर तें रडलेंच.

पूण हांव चोरियेन तरयी तवळ तवळ येवन–कर्न रावतां म्हण सांगलेल्यान निमाणें तें ओपलें. आनी अशें म्हज्या हातीं ऊरल्लें एक वोच मेळ्ळेल्या मोलाक विकून, थोडे पयशे सुंदरीक दीवन, एका रातीं हांव बस्सार बसोन बेंगळूर पावलों. बेंगळूर म्हाका कोणी नातलीं.

काम सोदून थोडे दीस भोंवल्या नंतर शहेराक तेंकुन्‌च आसल्ल्या काचरकना हळ्ळी म्हळ्ळेकडेन एक पोल्ट्रिंत काम मेळ्ळें. थंयसर पांच हजार कुंकडां आसल्लीं. हेर पांच जण म्हज्या संगीं घोळताले. तांत्यांचे लेक दवर्चें काम म्हज्या वांट्याक पडलें मात्र न्हय रावोंकी थंयसरच आस्रो मेळ्ळों.

आतां हांव एक्सूरपणीं दीस सार्तालों. हांव्‌च रांदून, हांव्‌च जेवतालों. सदांनीत पयशिल्या त्या काळोकाच्या बिडारांत एक्सुरें जियेंवच्या सुंदरिचो म्हाका उडास येतालो. ह्या बिर्मत चेडवाक म्हजेनिमतीं कसली स्थिती प्राप्त

जाली तें चिंतून हांव सदां कळवळतालों. हांव बेंगळूर पावोन धा मयने सरल्ले.

एक दीस पुणी मंगळूर वचोन सुंदरीक मेळोन येजाय म्हण चिंतालों तरयी म्हजी आशा पाटीं पडताली. सांबाळ म्हाका बोव उणो आसलो. म्हजो खर्च काडन थोडें–थोडें हांव सुंदरीक धाडतालों. हातीं कांयच उरानातलें. गांवाक वेताना सुंदरिच्या नाकाक एक 'मूगुती' व्हरिजाय म्हळ्ळी आशा जावनासली. ती पोंत पावानातली जाल्ल्यान हांव गांवाक वेचो दीस पाटीं पडतालो. निमाणें एका दिसा हावें गांवाक वेची आलोचन केली! मूगुती तयार जाल्ली!! बोव कश्टांनी हावें ती करयली.

सबार दीस हावें त्या खातीर उपाशीं रावोंक पडल्लें. पूण मूगुती म्हज्या हातीं मेळ्ळेल्या संतोसान हावें भगल्लें कश्ट सर्व म्हज्या उडासा भायर गेल्ले. हावें धन्यालागीं च्यार दीसांची रजा मागली. म्हाका ती मेळोंक कश्ट जालेनांत. आनी एका दिसा–धा मयन्यां नंतर मूगुती घेवन गांवाक वेचे खातीर बस्सस्टेंडाक पावलों. केदाळा गांवाक पावतां आनी केदनां म्हज्या सुंदरीक गोपांत आरावन ती मूगुती ताच्या नाकार सोबयतां म्हळ्ळी आतुराय म्हज्या जिवांत भरल्ली.

पूण बस्स येवंक नातल्लें. साडे–नोव वोरांचें बस्स सुटोंक आनिकी अर्दें वोर ऊरल्लें. म्हजे बरी हेर पयणारी थंयसर बस्साक राकोन आसले. हांव म्हजें एक धाकटें बेग हातीं उमकाळावन हेवशीं–तेवशीं पासायो मार्तालों. त्या वेळार एक संगत घडली. एकाच्छणें एक प्रायवंत मनीस म्हज्येलागीं येवन – "तुका स्टेंडाच्या गेटिलागीं कोणगी आपयता" म्हणालो.

'कोणगाय?' चिंतलें हावें. धनी पुणी कसल्यायी गर्जेन आयलागाय? या पोल्ट्रिचे कामागार पुणी सोदून आयल्यात? कितेंयी चडतीक चिंतिनासतां हावें त्या मनशाबराबर मेटां काडलीं. आमी दोगी स्टेंडाच्या गेटिलागीं पावताना– क्षणान कसलोगी दुबाव म्हजे मतीं पाशार जालो. आनी हांव थंयस रावलों.

पूण वेळ उतरल्लो. हावें कितेंयी चिंतचे भितर चोवग जण बळिश्ट जिवाचे म्हजे भंवतीं कुडसाले, तांतल्या एकल्यान हातीं आसल्लो सरळ म्हज्या तकलेक उबरायिल्लो मात्र म्हाका कळीत. हांव सनीन जाताना एका कूडांत

हात–पाय भांदून घाल्ल्या स्थितेर धर्णीर पडोन आसलों! बेंगळुरांत ह्या वेळीं घोड्या रेस चल्तालो. त्या खातीर शे ी आपल्या पाटलामे संगीं बेंगळूर पावल्लो. ताका रेसिचें जब्बोर पिशें आसलें. आनी रेसीक आयिल्ल्या वेळार रांवचा खातीर बेंगळुरांत ताचें घरयी आसल्लें. ही संगत म्हाका कळीतनातली.

शेिच्या पंगडांतल्या कोणेंगी एकल्यान म्हाका बस्सस्टेंडाक येताना पळयलें आनी म्हज्या दुरादृषटान हांव तांचे हातीं शिर्काल्लों. दोळे उगडताना शे ी म्हजे मुकार बसल्लो. आनी ताचे पाटलावदारी चोवग जण ताचें भोंवतीं हात बांदून रावल्ले. लागीं लागीं दोन वर्सां नंतर म्हजी आनी लक्कशेिची मिलागत जाल्ली. बेंगळूर पावल्या उपरांत म्हाका शेिचो उडास तवळ तवळ येतालो व्हय...

पूण हांव म्हज्या कामा शिवाय हेर खंयसरी भायर वचानातलों जाल्ल्यान म्हाका ताच्या भिरांतेची विसर पडल्ली. शे ी म्हाका पळेवन हासतालो. ताणें हासचेंच अपरूप, गांटी बांदल्ल्याबरी केदाळाय ताचें तोंड गंबीर, ताणें हासचें पळेवंक मेळतालें–वार्सोवांत तीं ब्लू–फिल्मां पळेताना मात्र. चेडवांनी किंक्राट मार्ताना ताणें अवाज कर्न हासचें आसलें. आनी आतां तो म्हाका पळेवन धादोशी हासतालो.

इतल्या तेंपा उपरांत तरयी म्हाका धरल्लो संतोस ताच्या तोंडार दिसतालो. आतां हांव कितेंयी चिंतच्या स्थितेर नातलों. म्हजें अंत्य लागीं पावलां तें म्हाका कळीत जाल्लें. इतल्या कश्टांनी तयार केल्ली मूगुती सुंदरीक दिल्या उपरांत तरयी मेल्यार व्हड न्हय आसल्लें म्हण म्हाका भग्तालें. सर्व आकेर जालें.

म्हजी आशा जावन्ंच ऊरल्ली. शेिची तनकी सुरू जाली. ती कसल्या वरगाची तें हावें विवर्सून फायदोना. ताच्या हातीं शिर्काल्यार कितें सर्व भोगुंक मेळात म्हण हावें लेक घाल्लेंगी ती सर्व दगदोणी हावें भोगली. हावें उसळावन हाडल्ली चली खंय आसा तें सांगच्या खातीर आनी म्हजें तोंड सुटंवचें खातीर म्हज्या दोनी कानांचे पाळूं ताणें सुरियांनी अर्दां केलीं. नाक्ष्यांच्या इड्यांनी सुवियो तोपल्यो. पांयाच्या ताळवेक दाग दिलो. हांव सांगोंक तयार नातलों. म्हज्या वांट्याक ऊरल्लें एकच समादान....

सुंदरी शाबीत आसा म्हळ्ळें. आनी तें होगडावंक जांव कबूल नातलों. शे ी निराशी जाल्लो. ताणें ताच्या जणां करनां म्हाका विणगो करयलो आनी म्हज्या जनानांगाचेर खोटावंक तांकां फरमायलें.

सोसुंक तांकां नातली इजा हावें भगली. ताणें सुवियांनी त्या जाग्यार तोपून तें खंचायी उपकाराक पडानाशें केलें, तरयी हावें सांगलेंना. तांकां तांक्ता वरेग ताणें प्रयतन केलें तरयी मत चुक्ता पासून हावें तोंड सोडलेंना..... एका मयन्या उपरांत सरकारी आस्पत्रेच्या एका खटल्यार हांव मतीर आयलों. सगळी कूड म्हजी ब्यांडेजांनी गुटलायिल्ली. शे च्या मनशांनी हांव मेलां म्हण लेकून म्हाका रसत्यार उडयिल्लो जायजाय. बेंगळूर श्हेराभायर राज रसत्याच्या एका पोंतार म्हजी कूड पडोन आसली. उस्वास आसलो पळेवन वाटसूरयांनी म्हाका आस्पत्रेक दाकल केल्लो. दाक्तेरांनी म्हजी आशा सोडल्ली. पूण हांव वांचलों......

सात मयने हांव त्या आस्पत्रेंत आसलों. हावें वांचल्यारी प्रयोजन ना म्हण दाक्तेरांक कळीत आसलें. म्हज्या कूडिचे विश्वे म्हजे अदीन नातले. हाता–पांयांच्यो शिरो असकत जाल्ल्यो. तरयी हांव जिवंत आसलों! सात मयन्यांनी ह्याच स्थितेर हांव आस्पत्रे थावन भायर आयलों. खंयसर वचोंकी म्हाका ठिकाणें नातलें. शे ची भिरांत आतां नातल्ली. हावें सुंदरी सरशीं वच्येतें. पूण आतां म्हजे वरवीं सुंदरीक कसलोय फायदो जांवचो नातल्लो.

एका वर्सा थावन हांव हांगा भीक मागोन दीस काडतां. सुंदरिची कसलीय खबार हांव नेणां. पूण हांव जाणां तें म्हाका राकोन आसतेलें. त्या देकून हावें भीक मागोन परत ती 'मूगुती' तयार केल्या.... ती सुंदरिच्या नाकार सोबाजाय.... ताणें म्हाका आनी राकचें नाका... दूसऱ्या कोणायलागीं काजार जायजेय म्हजे वरवीं पिड्ड्यार जाल्लो ताचो फुडार ताणें पर्त्यान नंदन करिजाय......

***

मोगाळ वाचप्या –प्रबाकरान म्हाका सांगलेली काणी तुमी वाचली. प्रबाकरान सुंदरीक मूगुती पावीत करुंक म्हाका नमियारलेलें जाल्ल्यान ह्या काणियेचें निमाणें पोंत म्हज्या हातीं ऊरलां... हावें तें तुमकां सांगाजाय पडलां. त्येच रातिंच्या बस्सार हांव गांवाक पाटीं पयण कर्तालों. हांव गांव

सोडन पांच दीस जाल्ले. चड दीस घरा भायर रावोन सवय नातल्ल्या म्हाका एक पावटीं गांवाक पाव्यां म्हळ्ळी आतुराय भरल्ली....

बायल बुर्ग्यांक मेळची आतुराय ती सहज जावन म्हाका आसल्ली तरयी प्रबाकराच्या सुंदरीक पळेवंक हांव द्रवडतालों. एदो व्हड साक्रिफीस प्रबाकरान भेटयला तर सुंदरिच्या नाकाची सोबाय कसलिगाय? रातीं पयणाच्या सगळ्या वाटेर हांव हेंच नियाळतालों. आपल्या जिवेतांतलीं घडितां म्हाका वरणून सांगताना प्रबाकराचे आटेविटे हावें पळयले. बोव कश्टांनी म्हाका ती वरणितालो. हावें सुंदरीक ती मूगुती खंडीत जावन पावीत करिजाय म्हळ्ळ्या खातीर ताची गरज तो म्हाका विवरसितालो. ताची निमाणी आशा ती जावनासल्ली. कोडसाणेन भरल्ली ताची काणी आयकोन ताका संतोस करयां म्हण हावें ताका सांगल्लें

"प्रबाकर, ह्या विशीं तूं खंत करिनाका.... तुजी निमाणी आशा हांव खंडीत जावन ज्यारी कर्तालों. फाल्यां गांवाक पावल्लोंच पयलें हांव सुंदरीक सोदून काडतालों. आनी तुवें दिल्ली मूगुती ताका पावीत कर्तालों...." हावें ताका भास दिली.

त्या वेळीं अपरिमीत संतोस ताका जाल्लो..... आपुण्च आपल्या पतिणेक– ती ओप्सिताना भोग्येत तसलो संतोस. थोड्या वेळान खंतीन तो म्हणालो–

"धन्या..... मूगुती दिताना तुवें ताका सार्कें समजायजाय..... म्हाका ताणें भिल्कूल राकोन रावानाये.... दयाकरून म्हजी आतांची नीज हकीगत ताका सांगानाका.... तें खंत घेतेलें... बदलाक सांग –प्रबाकर दुस्रें काजार जाला... उतार दिल्ल्या परमाणें मूगुती धाडून दिल्या तरयी ताची वाट राकोन कांय फायदोना म्हण ताका तिळसी. आनी ताणेंय कोणांयलागीं काजार जांवच्यांत म्हजी आडकळ ना म्हण ताका समजाय..."

"जायत" म्हळें हावें ताच्या समादाना खातीर, ताच्या पतिणेक

"तूं दुस्रें काजार जा" म्हण हांव सांगों? पूण मूगुती पावीत करची आलोचन मात्र हावें खंडीत केल्ली. कित्याक सुंदरीक आनी चड जावन प्रबाकरान वरणिल्ल्या त्या नाकाक पळेंवची आशा म्हाका लागल्ली. व्हडा संतोसान प्रबाकर म्हज्या कुडा थावन भायर सर्न गेल्लो. हात पांय ताचे

थारयार रावानातले. वर्त्या कश्टांनी तो चल्तालो तरयी ताच्या तोंडार आतां समादानेचो प्रकास फांकल्लो. बागलार रावोन ताणें म्हळ्ळें–

"आनी जाल्यार हांव मोर्ता धन्या. लक्ष्मीच्या हाता थावन देवान म्हाका वांचयलो ह्याच खातीर! आशा संपैनासतां हावें मोरानाये म्हळ्ळ्या खातीर!! आनी जाल्ल्यार हांव मोरोंक तयार आसां....... संसारांत आनी म्हाका कसलियी आशा ना.... तुका मसतू देव बरें करूं...."

म्हणोन तो भायर सर्न गेल्लो. दूसऱ्यादिसा फांत्यार हांव मंगळूर पावलों. त्या दीस म्हाका रजा आसल्ली जाल्ल्यान प्रबाकरान दिल्लें काम मुंदर्सूक हावें येवजिल्लें. इक्रां वोरां भितर म्हजें इतर कामां तिर्सून हांव चलोन्ंच सूटर–पेट पावलों. मुन्सिपालिटिच्या इसकोला पाटल्यान थोडीं बिडारां आसल्लीं. पूण तसलीं बिडारां लागसारच सबार कडेन दुस्रिंयी आसल्लीं.

आतां खंय म्हण सोदचें? कोणालागीं विचारचें? आक्रेक जाल्लेबरी जाता म्हण हांव इसकोला लागसारच आसच्या बिडाराच्या लायनीक पावलों. सूरवेचें घर म्हण प्रबाकरान सांगल्लो उडास तशें त्या बिडारालागीं गेलों. दार उग्तेंच आसलें. पूण मुकल्यान कोणी दिसलिंनांत. थोडो आवाज करतेच मद्यम प्रायेची एक स्त्री भायर आयली. तिच्या तोंडार हावें पळयलें. सांगचें तसलें नाक न्हय तें, बदलाक बारादीक त्या व्हड नाकार तेदीच व्हड मूगुती तोपल्ली आसल्ली.

"कोण जाय तुका?" म्हणाली ती तुळवेन रागानशें. हांव तिच्या तोंडाक पळयतां तें लेकून तिका राग आयिल्लो जायजाय. म्हाका म्हजीच लज भगली. त्या वठारांत हांव प्रबाकराचें बिडार सोदताना वाटेर मेळ्ळेल्या स्त्रीयांच्या तोंडार सुंदरिचें नाकयी सोदतालों!

"बेजार करिनाका" हावें म्हळें तुळवेन समादानेन

"हांव सुंदरी म्हळ्ळ्या स्त्रीयेचें घर सोदून आयलां. तिच्या घोवान म्हाका बेंगळूर थावन धाडला. हांगासर त्या नांवाचीं कोणी आसातवे?" थोडो वेळ ती चिंतित्त रावली उपरांत–

"सुंदरी कोण सुंदरी?" तिणें म्हाकाच पाटीं सवाल केलें. "हांगा सुंदरी म्हळ्ळीं कोणी नांत – ओ त्या मुकल्या घरा सुंदर म्हळ्ळो चेडो जाल्यार

आसा...." तिचेलागीं उलवन कांय फायदो ना म्हण म्हाका भगलें तरयी हावें आन्येक सवाल केलें

"तुमी ह्या घरांत येवन कितलो तेंप जालो?"

"एक वरस जाता...... " म्हणाली ती तक्षण.

"त्या आदीं हांगा कोण रावतालीं..." हावें आन्येक सवाल केलें.

"हझां,.... व्हय.... म्हणाली ती ".... आमी येंवच्या आदीं एक स्त्री हांगा आसल्ली खंय. तिचें नांव हांव नेणां. पूण तिचो दादलो बेंगळूर आसल्लो खंय. तुवें सांगचीं ती स्त्री जावंक पुरो. पूण ती आतां हांगा ना. तिणें हें घर सोडल्ल्यान न्हयवे आमी हांगा आयल्यांव? तांचे विशीं म्हाका चडतीक कांय कळीत ना...."

तिणें सांगल्लें आयकोन हांव निराशी जालों. तर सुंदरीक आनी खंयसर सोदचें? हें घर ताणें सोडुंक काराण कितेंगाय? अशें चिंताना एकाच्छाणें म्हाका प्रबाकरान सांगल्ल्या म्हातारेचो उडास आयलो. देकून हावें विचारलें. "कुशिच्या बिडारांत कोण रावतात?" "थंय कोणी नांत... एकली म्हातारी मात्र आसा" म्हणाली ती स्त्री.

म्हाका थोडो भरवसो उदेवन आयलो. "तर सारकें...." म्हळ्ळें हावें तिका. "....कुशिच्या घरांत एकली म्हातारी रावतां म्हण बेंगळूरच्या मनशान म्हाका सांगलां. तिचेकडेन म्हाका उलयजे आसलें...." म्हळ्ळें हावें– 'तूं तिका चिक्के भायर आपय' म्हळ्ळ्यापरीं नटन करून. म्हज्या सवालांक जापी दीवन ती थकली आसतेली. "ती हुशार ना –भितर निदल्या.... तुंच आपय तिका...."

जडायेन तिणें म्हळें आनी भितर चल्ली. व्हाणो भायल्या मेटार दवरून बागलालागीं रावोन वळू 'अज्जे' म्हण तुळवेन उलो दिलो. भितर थावन कसलोयी आवाज ना. दूसऱ्या पावटीं आपयताना इल्ली पिंर्गोणी मात्र आयकाली. धैर एकटांवन हांव आड आसलें बागील लोटून भितर गेलों. भितरल्या काळोंकांत एक मांद्री सोडयिल्ली. आनी त्या मांद्रेर कोण तरी एकली निदल्या दिसतालें. हावें तिचेलागीं सरोन परत 'अज्जे' म्हण उलो केलें. पर्त्यान पिंर्गाली आनी उपरांत खोंकली काडन "एर अव" म्हणोन उटोन बसोंक प्रयतन करिलागली.

"नाका नाका तुवें उटचें नाका" म्हळें हावें तक्षणा ती आडावन, त्या बराबर हावें पाटीं घुंवोन येवन मुकलीं दोनी बागलां सारकीं उग्तीं केलीं– भायलो उज्वाड थोडो भितर सरलो जाल्ल्यान कुडांतलो काळोक भायर धांवलो. हांव तिच्या लागसारच बाग्वोन बसलों.... वळोक धरच्या खातीर माव्यांनी आसल्ले दोळे तिचे भायर येवंक उर्डातात तशें दिसतालें. 'कोणगाय' म्हळ्ळें सवाल तिच्या मिरियेल्ल्या तोंडार उदेल्लें. हावें चड लांबाय केलिना.

'अज्जे' म्हळें हावें तिका वळू ताळ्यान.... तुका म्हजी वळक ना.... देकून घडबडनाका..... पूण म्हाका तुजी वळक बेंगळुरांत आसच्या प्रबाकरान सांगल्या..... आनी ताणेंच म्हाका हांगासर धाडलां... प्रबाकराची पतीण सुंदरी खंय आसा....? तिच्या तोंडाचो छहारो बदल्लो.... गैरया दिसटिंची असकत दोळे म्हजी वळक धरुंक परतून उर्डाले. हांव तिका आनिकी लागीं सरोन बसलों आनी मांड्रेर आसल्लो तिचो हात वळू धरलो तिका धयर लाबोंदी म्हळ्ळ्या उद्देशान.... जायित्तो वेळ ती म्हाका पळेयत रावली.... उपरांत म्हज्या सवालाक जाप दिंवच्या बदलाक आपलो हात म्हजांतलो निस्रावंक तिणे पाटीं वोडलो...

"अज्जे.... तुवें भियेंवची कांय गरज ना..... हांव प्रबाकराचो ईश्ट.... ताणें म्हाका सगळी संगत सांगल्या" म्हळ्ळें हावें पत्यान तिका धैर दीवन "सांग...... सुंदरी खंयसर आसा?"

"कोण सुंदरी?" तिणें म्हाकाच पाटीं सवाल केलें. हांव शिरीं चुकलों, तरयी सांबाळून म्हळें

"कुशिच्या बिडारांत रावतालें तें... ताका तुजा अदीन सोडन प्रबाकर बेंगळूर गेल्लो...." ती वळू पिंर्गाली तरी तिचे दोळे म्हज्या तोंडाकच पळेताले.

"हांव कोणायकी वळकाना" म्हणाली ती थोड्या वेळान. उपरांत ती नीदल्ल्या कडेनच इल्लें हुळवुळोन पत्यान पिंर्गाली...

"म्हाका कांय तांकां ना" म्हणाली दोळे धांपून आनी हात भाशेन 'तूं वच' म्हळ्ळ्याबरी हिशारो कर्न. हांव केल्ली चूक म्हाका आतां समजाल्ली. एकाच्छारा सुंदरिचो प्रसताप काडल्ल्यान म्हातारेक म्हजेर दुबाव जाल्लो..... उपरांत तिणें हावें खंच्या रीतीन समजायल्यारी सारकीं जाप दिलिना.... तरयी

हावें हठ सोडिनासतां घुंवडावन घुंवडावन थोडीं सवालां केलीं... एक पावटीं मात्र ती म्हणाली.

"तें वर्सां आदीं घर सोडन गेलां... खंय गेलां आपणाक कळीत ना"

चडतीक तिणें म्हाका कितेंच सांगलें ना. निराशेन हांव थंय थावन पाटीं आयलों. आनी कितें करचें? बगलेच्या थोड्या घरांनी हावें विचार केलो. पूण तांकां कोणायकी सुंदरिची खबार कळीत नातली. म्हातारी जाणा आसल्ली तरयी सांगोंक तयार नातली. म्हाका भारीच निराशा भोगल्ली. सुंदरीक पळेंवची म्हजी ऊरबा निंवोन गेल्ली.

प्रबाकरान वरणिल्या त्या नाकार दीश्ट घाल्ची, एका तरनाट्याक आपलो जीव परयांत होगडावंक काराण जाल्ल्या त्या नाकाची सुंदरता, ताची सकत पारकुंची आशा ती बेंगळूर थावन हावें व्हाववन हाडल्ली तसलीं आतां चूरान चूर जाल्ली. खरचिल्या वेळाचो आनी भोगल्ल्या निराशेचो आटव करित्त हांव घरच्या वाटेक लागलों. आनी तवळ मुकार थावन येंवचो त्या वठाराचो टप्पाल पेदो म्हज्या दीश्टीक पडलो. हाचे कडेन खबार काड्येत म्हळ्ळें म्हज्या मतीक सुसतालें आनी ताका राववन हावें सुंदरी विश्यांत ताचेलागीं विचारलें. तो सुंदरीक वळकातालो.

तीन वर्सां थावन त्या वठाराक कागदांचें बटवाडे तोच्च कर्तालो जाल्ल्यान प्रबाकरान धाडल्लीं मनियोर्डरां सुंदरीक तोच्च पावयतालो. ताचे थावन थोड्यो संगती कळीत जाल्यो म्हाका. 'सुंदरी' एका वर्सा थावन त्या घरांत ना. ताणें घर सोडच्य साता'ट मयन्यां आदिंच ताक येंवचे पयशे बंद जाल्ले. त्या वेळार केदाळाय ती आपणालागीं ते कागदां विश्यांत, पयश्यां विश्यांत विचार्तालें. पूण उपरांत ताणें विचारचेंच सोडलें.

तें घरांत आसतालें जावंक पुरो पूण आपणें ताका पळेवंक ना म्हणालो तो. पूण पाटल्या एका वर्सा थावन सुंदरीन घर सोडलां म्हण संगत तो जाणा आसल्लो. हावें ताका म्हजी गरज विवरसिल्ली. ताच्या घोवान आपणाक ताचेलागीं गरजेन धाडलां म्हण सांगलें आनी कुशिच्या घरा म्हातारी भियान आपणाक संगत लिपयता म्हणोनयी तिळसिल्लें. टपलाल पेदो म्हाका पळेवन वळकातालो जाल्ल्यान म्हाका कुमक करुंक तयार जालो.

"सुंदरी खंय गेलां म्हळ्ळें म्हातारेक खंडीत कळीत आसतेलें" म्हणालो तो.

"तुजी ती वळक नातल्ल्यान भियेल्या आसतेली... म्हजे संगीं ये, हांव तिका समजावंक प्रयतन कर्तां" अशें ताणें म्हाका परतून म्हातारेच्या घर आपवन व्हेलो. सूरवेर म्हातारी पेद्याकडेनयी तशेंच उलयली. अक्रेक तिणें तोंड सोडलें.

"सुंदरीन ही गजाल कोणायकी सांगोंक न्हजो म्हळां" म्हणाली ती खंतीनशें, उपरांत तिणे खरी संगत सांगली.

"सुंदरी हुशार ना. तें वर्सां थावन कंक्नाडिच्या काती पिडेच्या वारडांत दाकल जालां. प्रबाकरच आयलो तरयी आपूण खंय आसां तें सांगोंक न्हजो म्हळ्ळी ताकीद ताणें आपणाक दिल्या" म्हणाली म्हातारी. आयकोन आंगार शेळे उदाक वोतल्ल्याबरीं भगलें म्हाका. हांव थंयस कुसकोन बसलो. उपरांत हावें तिका जायतीं सवालां केलीं तरयी तिचे थावन इतलेंच कळीत जालेंकी 'प्रबाकराचे पयशे येंवचे बंद जाल्या उपरांत सुंदरी बोव कश्टार आसल्लें. त्याच वेळार ताका पिडा सुरू जाल्ली. पूण पिडा जून जातासरी सुंदरीन आपल्या पिडेविशीं म्हातारेक सांगलेंना. घरा भितरच तें रावतालें.

उपरांत एका दिसा म्हातारेचाच वोत्तायेक तें कंक्नाडी आस्पत्रेक गेल्लें. आनी आतां थंयसरच आसा. आस्पत्रेंत दाकल जाल्या उपरांत म्हातारेनयी ताका पळेवंक ना. पोसटमेनाचो ताच्या कुमके खातीर हावें उपकार भावुडलो आनी हांव घरा पाटी आयलो. तकली म्हजी जड जाल्ली. प्रबाकरान ताची निमाणी आशा पोंताक पावयतां म्हण हावें भास दिल्ली. पूण आतां हावें कितें करयेत?

जायतें चिंतून निमाणें हांव त्याच दनपारांच्या च्यार वोरांचेर कंक्नाडी भायर सरलो. आस्पत्रेंत म्हाका थोड्यांची वळक आसल्ली जाल्ल्यान सुंदरिची खबार मेळोंक कश्ट जालेनांत. हांव कातिच्या पिडेच्या वारदांत आसच्या सिसटरीक भेटलों आनी संगत विवर्सिली. सुंदरिच्या घोवान आपणाक धाडलां आनी सुंदरी लागिंच आपणाक खासगेन उलवंक आसा म्हण हावें तिका सांगलें.

"हांगासर एडमीट जाल्ल्याक तिणें एदोळ कोणाकयी भेट दीवंक ना" म्हणाली सिसटर.

"कितेंयी गरजेचे सांगोंक आसा तर म्हज्येलागीं सांग. हांव तिका सांग्ता म्हणाली ती पयलें. हावें तिका मूगुतिची खबार सांगोंक्नातली. मूगुती खुद्द हावेंच सुंदरीक दीजाय म्हळ्ळी म्हजी आशा जावनासल्ली. देकून हावें म्हळें–

"संगत ती घोवा–बायले मदली सिसटर, तिच्या दादल्यान सांगल्लें तें हावेंच खासगेन तिका सांगाजाय पडलां. देकून कशेंय पुणी म्हाका तिचेलागीं भेटचो अवकास कर्न दिल्लो तर तुजो उपकार जातो.... दोन मिनुटां मात्र हांव तिचेलागीं उलयतां..."

हावें पोरात्तून विचारल्ल्याक सिसटरीक थोडी दाक्षेण जाली जावंक पुरो. देकून 'आपूण प्रयतन कर्न पळयतां म्हणोन आनी म्हाका बसोंक सांगोन ती भितर गेली. थोडो वेळ हांव सिसटरिची वाट पळयत राकोन बसलो.

प्रबाकराचें काम आजच तिर्सून सोडिजाय म्हळ्ळ्या हटाक हांव पडल्लों. कितल्या कश्टांनी तरयी 'मूगुती' सुंदरीक पावीत करिजाय आनी प्रबाकराक दिल्ली भास पाळिजाय.... सकाळीं थावन ह्यां संग्ती पाटल्यान नाचोन तकली म्हजी वीरयार जाल्या. सिसटर थोड्या वेळान पाटीं आयलीं. तोंड तिचें गंबीर आसल्लें पळेवन, म्हजे काम जांवचेंना म्हळ्ळो दुबाव म्हाका उबजालो. आपल्या कदेलार बसोन तिणें म्हळें.

"तें भिल्कूल आयकालेंना. कोणायकी भेटचें ताका खुशी ना. हावें ताका तुजी गजाल समजायल्या. आनी म्हज्या वत्तायेक मात्र दोन्ंच मिनुटां तुका उलवंक तें मेळतेलें."

हावें समादनेचो उस्वास सोडलो आनी सिसटरिचो मनपूर्वकीं उपकार भावुडलो. उपरांत तिणें म्हाका भितर आपवन व्हेलें. एका धाकट्या होलाक आमी पावल्यांव. थंयसर म्हाका राववन ती बागलांतल्यान मुकार गेली. लागसार कोणी नातल्ली पयस थावन थोड्यांनी उलंवचो आवाज मात्र मात्सो आयकातालो. हांव सिसटरीक राकोन धम्म बांदून म्हळ्ळ्याबरी रावलों. भोंवतणी वक्तांचो वास नाकाक आदाळतालो. थोड्या वेळान पाटीं आयिल्ल्या

सिसटरीन 'तें आयलें उलय' म्हळ्ळो हिशारो दिलो आनी म्हाका उतर्न ती पारलाराक पाटीं गेली.

हावें रावल्ल्या होलाच्या बागलार दीश्ट व्हेली. एक सावळिशी थंय आयली आनी बागलार रावली. हांव लागीं गेलो निळशा देगेच्या धोव्या कापडार एक स्त्री थंयसर बागलाच्या दार्वाट्याक वोणकोन रावल्ली. म्हाका पाट कर्न ती रावल्ली आनी पालोंव तिणें मातेंभर घुटलायिल्लो. कशें उलवणें सुरू करचें तें म्हाका कळ्ळेंना. हळताची एक खोंकली काडन हावें म्हळें. "तुजो पती प्रबाकर म्हाका बेंगळुरांत मेळल्लो." तिचे थावन कसलीय प्रतिक्रिया आयलिना.

"ताणें तुका रेकाद धाडन दिल्यात... आनी तुजी खबार समजोन घेवंक म्हाका सांगलां" हावें चिक्के व्हडल्यान सांगलें. तरयी कसलोय आवाज मुकार थावन आयलोना. आतां आनी कितें उलंवचे तें म्हाका कळाना जालें. सुंदरिची पाट मात्र म्हाका पूड कर्न आसल्ली जाल्ल्यान ताच्या तोंडार जांवचीं खुणां सयत देकोंक म्हज्यान असाद्य जालें. घोवाची खबार सांग्ताना ताका संतोस भग्ता या राग येता तें हांव पारकुंक सकाना जालों. हावें बोल्सांतली मूगुती गुटलायिल्ली कागदाची पोटली भायर काडली आनी ती सोडयली.

"ताणें तुका एक काणीक धाडन दिल्या" म्हळें हावें दोन मेटां मुकार काडून, म्हज्या मेटांचो आवाज आयकोन सुंदरी रावल्ल्याकडेन्ंच चिक्कें हाल्लें आनी पर्त्यान ताणें पालोंव मात्याक सारको वोडलो. "तूं उलयनांय कित्याक...?

तुमची सर्व संगत प्रबाकरान म्हाका सांगल्या. तुवें म्हज्येलागीं भियेंवची गर्ज ना" हावें म्हजो ताळो आनिकी वाडयलो. आतां सुंदरिचें मातें सकला बाग्वालें आनी तें हुसकार्न हुसकार्न रडोंक लागलें. थोडो वेळ हांव मौन रावलों. रडणें थांबतच ताचो बारीक ताळो म्हाका आयकालो "तो कसो आसा....?"

"प्रबाकर बरो आसा, सदांनीत तुजो उडास काडता" हावें जाप दिली.

"दयाकर्न ताका म्हज्या पिडेची खबार सांगिनाका. तो थंयस पयस आसोंदी...... आन्येक काजार जांवदी.... ताणें म्हज्या खातीर एदोळ कश्टाल्लें पुरो..." तें पर्त्यान रडलें.

चूप धारियेच्या सुरियेन कोणगी म्हज्या काळजा वयर सवकास गीट वोडता तशें म्हाका भास जातालें. दोनदुबळ्या काळजांच्या मोगाच्या ग्रेसतकाये मुकार हांव मौनपणी साक्स जावन रावल्लों. पर्त्यान सुंदरीच उलयलें

"तुवें ताका कितेंच सांगोंक न्हजो. हांव मेल्यां म्हण तुवें ताका तिळसिजाय, न्हय तर तो पर्त्यान काजार जांवचोना. म्हजे खातीर तूं हो एक उपकार करशिगी.....?"

सुंदरी सवकास उलयतालें. तें उलयताना तितल्याच सवकासायेन म्हज्या काळजाचो शिरो धर्न तें वोडतालें. हांव ताका कसली जाप दीव...? तरयी हावें म्हळें

"आनी तो पर्त्यान म्हाका मेळचो ना कालच पयल्या पावटीं बेंगळुरांत तो म्हाका मेळल्लो आनी हांव तुमच्या घरा लागसारच वालेन्सियांत रावतां जाल्ल्यान तुजी खबार ताणें म्हाका सांगल्ली. ताणें तुका पावीत करुंक एक वसत म्हज्येलागीं धाडन दिल्या.... आनी ती तुका दीवंक हांव आयलां....."

सुंदरीन लांब एक श्वास भितर घेवन भायर सोडल्लो आवाज आयकालो. "कसली वसत ती....?" विचारलें ताणें वळू ताळ्यान.

"तुंच पळे, ती तुवें पळयल्यार तुका वरतो संतोस भग्तालो म्हणतालो प्रबाकर.... धर घे....." आनिकी दोन मेटां मुकार वचोन हावें मूगुती घेतल्लो म्हजो हात मुकार व्हेलो. आतां निमाणें तरयी सुंदरीक पळंवचो संदरब म्हाका लाबल्लो. तें सवकास म्हज्या कुशीन घुंवलें. आतां तें म्हाका फूड कर्न रावल्लें.

ताणें ताचो हात मुकार हाडताना हावें ताच्या तोंडार दीश्ट घाली. थटाक्क जालों हांव! एका घड्येक म्हजो उस्वास रावलो आसतलो मूगुती वोड्डावन सुंदरीक दीवंक मुकार व्हेल्लो हात म्हजो कांप्तालो. प्रबाकरान वरणिल्लें तोंड पळेवंक अन्नेगच्या म्हज्या दोळ्यां मुकार आतां तें तोंड रूप रूप दिसतालें... पूण त्या तोंडार... त्या तोंडार.... नाकच्च नातल्लें! नाकाच्या जाग्यार व्हड एक बुराक आसल्लो. कोडाच्या पिडेन सुंदरिचें सोबीत नाक

ग्रासिल्लें! आनी त्या नातल्ल्या नाका खातीर हांव सुंदरीक मूगुती वोड्डायतालों.....!

ब्यांडेजांनी रेवडायिल्लो सुंदरिचो हात मुकार येंवच्या आदिंच हावें म्हजो हात पाटीं हाडलो. हावें वेळ काडलो ना. आनी थंयसर रावोंक म्हज्यान साद्य नातल्लें. एकाच्छारा हांव थंय थावन घुंवलों आनी होला थावन भायर धांवोन आयलों! पारलरांत सिसटर नातल्ली. दांबून धरल्ले भोगणार म्हजे एकाच्छाणे काट तूटल्ल्याबरी फासाळ्ळे. आनी हांव लागशिल्या बांकार कुसकोन गळगळ्यां रडलों

***000***

# फातिमाचें काजार

सकलेशपूर थावन हासनाचे वाटेक वेताना सात मयलां मुकार बाळुपेट म्हळ्ळी ल्हान एक पेंट मेळता. हांगा थावन आड वाटेन तीन–साडेतीन मयलां चल्ल्यार मेळता ती हळ्ळीच 'चिन्नहळ्ळी'. ह्यें हळ्ळेंत कांय लगबग चाळीस–पन्नास बिडारां आसात. चडावत ओकलां हरिजन आनी मुसलीम. ह्या चिन्नहळ्ळिंत व्हडली एक कंपेनी एसटेट आसा. हांगाचो चडावत लोक ह्ये एसटेटिंत घोळोंक वेता. लागीं लागिंच दोन तीन खासगी काप्ये तोटांय आसात. हांतलें एक म्हज्या धनियाचें. कांय पन्नास एकऱ्यां भितरलें. काप्ये वेळार तीस चाळीस जण आमच्या तोटांत घोळतात तरयी हेरा संदर्भानीं सदां कामाक म्हण धा–पंद्रा जण आळ नमियारल्लेच आसतात. आनी हांचे भितरलो एकलो अब्दूल लतीफ.

सगळ्या चिन्नहळ्ळिंतलो लोक अब्दूल लतीफाक मांदतालो. प्राय ताची पन्नास तरयी जीवन धडंग तो. पूण बोव खाल्तो. हळ्ळेंतले दादले पियोण्यान आनी जुगारेन जोडल्ली जोड होगडावन बायले भुर्ग्यां संगीं म्हेळ्या वसतुरानीं कोलवाच्या घरानीं जियेताना हाणे कश्शीसेन जोडिंतलें इल्लें इल्लें उरवन आपल्या घराक नळे घाल्ले.

म्हज्या हाताखाल आसचो आळ तो. हावें सांगचें कितेंय ताणे करिजाय तरयी, ताच्या शीदा तसें उण्या उलोवण्या वर्वीं खंचेंयी काम ताका फर्मायताना थोडे पावटीं हांवीं पाटीं मुकार कर्तालों. तरयी सांगल्लें काम चाचू करिनासतां वयसितालो लतीफ.

फातिमा लतीफाच्या भावाची धूव. लतीफ आंकवार, काजारी भाव बायलेलागीं समा पडनासतां आपल्या पांच वर्सांच्या धुवेक घेवन गांव सोडन चिन्नहळ्ळीक आयिल्ल्या वेळार लतीफान तांकां आस्रो दिल्लो. आट वर्सां सांगाता जियेवन मोर्च्या वेळार भावान ताका सांगल्लें – "लतीफ, फातिमा म्हजी धूव न्हय, तुजी. ताच्या समा प्रायेर बरया गुणेसत आनी जातिच्या चल्यालागीं ताका ओप्सी. ताणे ताच्या आवय सार्कें जावंक न्हजो. तिका फातिमाचेर हक्क ना..." आनी लतीफान दुखां भरल्ल्या "जायत" म्हळ्ळी भास आपल्या भावाक दिल्ली.

हें जावन आतां वर्सां च्यार उतरल्यांत. फातिमा जिवांत भरोन सगळे चिन्नहळ्ळीक सोभायेचें नेकेत्र जालां. प्रायेच्या चेड्वांक तें सपणांतली राणी तर मोस्री बायलांक गिळुंक न्हजो जाल्ली नळी जावन ताळ्यांत शिर्काताना, हळ्ळेंतल्या जाकीर खादराक मात्र मोगाची राणी जावन सोभतालें.

खादराचे गूण पार्कून लतीफानय तांच्या मोगाक सय घाल्ली. तरयी प्राय भरल्ल्या फातिमाक पळयित्त तो गुपित्त रडतालो. इतलीं वर्सां धुवे साक्र्या मोगान वागयिल्ल्या चेडवाक ताच्या फुडारा खातीर भायर धाडुंक ताचें मन आयकानातल्लें. खादराक ताणे सांगल्लें; "म्हजे धुवेक हांव तुकाच दितां, खंच्याय संग्तिंत तूं दर्वडनाका, पयश्यांची आतां इल्ली अडचण आसा, ती सार्की जातएच फातिमा तुजेंच."

"पयशे कित्याक?" विचारल्लें खादरान

"तुजे खातीर न्हय ते, म्हज्या समाधानाक, जर जोड म्हजी चड आसल्ली, एका राणियेबरीं म्हज्या फातिमाक हांव तुमगेर धाडतों..." हें सांगताना ताच्या दोळ्यानीं दुखां भरलीं.

फातिमाय चिंतालें – 'बापय सार्को मोग दिल्ल्या चीचाक सोडन आपूण रांवचिना...' "तोयी म्हजे संगीं येंवदी, ना तर तूं आमच्ये संगीं राव..." म्हण खादराक ताणे समजायिल्ल्या वेळा "तुजी खुशी" म्हळ्ळें ताणे. पूण ह ी आनी एकाच उन्नाचो लतीफ हाका ओपवोंचो ना म्हळ्ळें तो खंडीत जाणासल्लो.

उण्यान दोनशीं रुप्यांची गर्ज आसल्ली लतीफाक, फातिमाचें काजार करुंक. ताका मेळची जोड दिसाक च्यार रुपय. वायट सवयो नातल्ल्या वर्वीं फातिमाक तो उपाशीं घालिनातलो. पूण दिसाक आट आणे उरवंकय ताका कषट मारताले. एका वर्सांत कषटानीं उरवन जमायिल्ल्या पयशांत फातिमाक जाय जाल्लें ओदगसून आपणाक एक खमीस आनी मुंडू मात्र काणगेतालो तो, तर दोनशीं रुपय एक्ये गांटीन खंय थावन?

"हांवय घोळोंक वचूं?" एकच पावटीं विचारल्लें फातिमान. रागान तांबसेल्ल्या चीचाचे दोळे पळेवन उपरांत ताणे ह्या विशीं सब्द काडल्लो ना.

फातिमा तसल्यान कामाक वेचें चिन्नहळ्ळिंत कांय विशेस न्हय. प्रती एका घरांतलीं भुर्गीं, चेडवां चेडे, दादले, बायलो आशें सकटां दीस कूलीक वचोन आपापलें पोट भर्तालीं. ल्हान म ाच्या लतीफाचें हें व्यक्तित्व पळेवन थोडे पावटीं म्हाकाय विशेस दिसतालें.

आसें आसतां एक पावटीं लतीफान पयश्यां खातीर ओद्दाडचें पळेवन हावें ताका सवाल केल्ल्याक ताणे म्हळें, "नाका धन्या तें म्हज्या हातांत आसता परयांत ताच्या हातांक हांव काम दिंवचोना."

"तर काजार जावन भुर्गीं जातच ताका काम कर्ची गर्ज पडाशिनांवे?"

"खादराक हांव वळकतां. तापयल्यार कडचा मेणा साक्र्या म्हज्या धुवेक तो सुखान दवर्तोलो. फातिमाक काजार कर्तच म्हजी एक आलोचन आसा धन्या... त्या वेळा म्हाका एकल्याक म्हज्या दीस कूलिंतलो अर्धो वांटो जायित्तो पुरो. अर्धी जोड हांव जमायतोलों आनी व्हडल्ये गांटीन खादराक

दितलों. तवळ व्हडलीं कामां ताणे हातीं घेव्येत आनी म्हज्या फातिमाक सुखी दवरुंक ताका कषट मारचेनांत. धन्या, फातिमाचेर कषट येंवचे म्हळ्यार म्हाका सोसुंक जायना तसली दूख. खरेंच जावन एदोळ तें लागीं आसताना हांव काजार जावंक ना म्हळ्ळो उडास म्हाका आयलोच ना!".

लगबग एक महिनो पाशार जालो. काप्येचो वेळ. कायामाच्या आळांक ह्या वेळार चडीत काम दिताल्यांव. आशें आनी तशें लतीफान ह्या भितर चडतव जोडीन लागीं लागीं चाळीस रुपय जमवन म्हजेकडे दिल्ले.

ह्या मधें एक दीस हांव म्हज्या कामार आसताना फातिमा म्हजे सर्शी आयलें.

"कितें फातिमा?" म्हळें हावें तें म्हज्येलागिंच उलवंक आयलां म्हळ्ळें समजोन.

"म्हाका एक काम दी धन्या..."

"तुका?, लतीफाक कळ्ळ्यार तुजेर भिगडत तो".

"व्हड ना धन्या, ह्या दिसानीं तो म्हजेखातेर चड काम कर्ता आनी रातीं निदेंत खोंक्ता. तो म्हजेंच चिंता धन्या. म्हाका ताचो हुसको नांगी? वयल्या तोटांत तो घोळताना, म्हाका तूं सकयल्या तोटांत काम दी. दिसाक दोन रुपय पुरो धन्या. ताचे कषट चिक्के हाळू जातीत".

चेडवाची भिर्मत दिसली म्हाका.

"फातिमा, म्हळें हावें, "तुवें घोळोन ताचे कषट उणे जांवच्या बदलाक ताच्या बेजारायेक तूं कारण जातेलेंय. वच, पिशी आलोचन करिनाका".

चेडूं तकली बागावन चल्तेच रावलें.

थोड्या दिसानीं म्हाका खबर मेळ्ळी – फातिमा आमच्या कुशिच्या तोटाक काप्येक वेता म्हण. हावें जावन लतीफाक हें सांगलेना. पूण एका दिसा तो म्हज्येलागीं येवन रडलो. "पळे धन्या, फातिमा तोटाक वेता ..."

"तुवें पुणी रागान ताका मारुंक्नायमू?" दुबावान विचारलें हावें.

"ना, हांव जाणां, कित्याक तें अशें कर्ता म्हण. पूण हांव मेलांगी धन्या – ताणे काम करुंक?"

ह्या उपरांत फातिमा घोळोंक वचानातलें खंय. एक दीस वाटेर म्हाका खादर मेळ्ळो. धडंग तर्नाटो तो, फातिमाक सांगल्लो चेडो. रुकाडाचें काम ताका.

शिकपाची इल्ली वळक आसोन लेखांतय हुशार आसल्ल्यान ल्हान ल्हान कामां ताका कोंट्रेकट मेळतालीं. कामांत बरी जोडय आसल्ली ताका. उलयतां उलयतां फातिमाची खबर काडली हावें. "कितलो तेंप रावतालोय खादर, लतीफाक समजवन वेग्गीं तिर्सुंक पळे ..."

"कितें करूं हांव? सांगचें सांगोन जालें. चेडवाक धाडताना व्हडलें न्हय तरयी बरें वसतूर आनी इल्लें भांगार कर्न घालुंक ताची आशा. आपूण ताचो बापय न्हय तरयी मनीस वयमू?, म्हणता तो. हांव कितें करूं?"

कसलीच भुजावण ताका दीवंक सकानासतां हावें म्हजी वाट धरली. काप्येचो वेळ गेलो. एका महिन्याची रजा घेवन गांवांत म्हज्या बायल–भुर्ग्यांक हावें भेट दिली.

रजा संपवन पाटीं तोटाक पावताना म्हज्या धन्यान कुशिच्या सावकारा कडची आट एकऱ्यांची राना सुवात मोलाक घेतल्ली. हें रान कातर्न बेंडुंक पंद्रा दीस लागले. ह्या वेळारी लतीफान वोर्ते मिनतेन चडताव जोड कमायिल्ली.

आतां लतीफान म्हज्येलागीं जमो केल्लो ऐवज शेंबर रुप्यांक लागीं जाल्लो. ह्या दिसानीं बोव उत्साहीत दिसतालो तो. कितलें काम केल्यारी ताच्या तोंडार पुरासण म्हळ्ळी दिसानातली.

थोडे दीस पाशार जाले.

***

त्ये सांजेर लतीफ पुरासाणेन घरा पावलो. बागलाक खीळ नातल्ली पळेवन चेडूं पाटल्यान गेलां दिसता म्हण लिकून पुरासण काडुंक ताणे बांकाक पाट तेंकली. थोड्या वेळान न्हाणिये थावन कसलोगी आवाज ताका आयकालो. आवाज फिर्गोंण्याचो. समा कान दिताना परत तोच आवाज.

नाणियेक पावल्लो लतीफ पावताना थंयचें द्रश्य पळेवन रूक जालो!. फातिमा न्हाणियेंत पडल्लें. सगळ्या न्हाणियेंत, धर्णीर आनी वोणतीर रगत...!

फातिमाचें वसतूर सगळें भिजोन तांबडें जाल्लें.

"फात्मा..."! किंक्राट मारली लतीफान. चेडूं कषटानीं सयत तकली उकलन पळेवंक सकलेंना. आसल्ल्याबरीच ताका उकलन ताणे बांकार हाडन

निदायलें. थंड कुडक्यान ताच्या पांयानीं देंवचें रगत पुसून काडन हून उदाक चेडवाक पियेवंक दितच ताचे दोळे आर्धे उग्ते जाले.

"कशें आसाय म्हज्या बाळा....? दाक्तेराक आपंव?, राग आनी दूख भर्साल्लें लतीफाच्या ताळ्यांत.

"नाका चीचा..." चेडूं पिंर्गालें, "मार्याद वेता..., म्हाका भोगशी चीचा..."

लतीफाच्या तोंडांतल्यान उत्रां सुटलिंनांत. ताचे दोळे फातिमाचेरच केंद्रीत जावन आसल्ले तरयी, तो ताकाच पळेतालो म्हण सांगोंक कषट, ताचे वोंट हळू कांप्ताले. थोड्या वेळान कषटानीं उलयलो तो.

"कोणगो तो...?" लतीफाचो ताळो सगळ्या घरांत गर्जालो. गर्जवण्या संगीं सर्शीं आसल्ली रुकाची म्हणय उकल्ली ताणे.

चेडूं उलयलेंना.

म्हणय सकला घालन लतीफ गळगळ्यां रडलो. आवाज भायर पडानाशें आपलें रडणें दांबुंक तो प्रयत्न कर्ता तें ताचें आंग हाल्ताना कळतालें.

पांच मिनुटां पाशार जाल्लीं.

फातिमा बांका वयलें कषटांनी उटलें आनी तसेंच लतीफाच्या पांयांचेर गळ्ळें.

"चीचा.. हांव निरापराधी. म्हाका पात्ये चीचा ही चूक म्हाका कळीत नासतां जाल्ली..."

"कोणावर्वीं...?' रडण्या मधेंच उलयलो तो.

"सावकार राम शे ी.."

"हावेंय चिंतलें तशेंच" हाळवायेन उलयलो लतीफ.

"केदाळा हें..?"

"दोन महिन्यां आदीं, हांव थंय कामाक वेतालीं तवळ..."

"तूंयी ओपवाल्लेंयगी..?"

"आय्यो चीचा, म्हाका आसचो तूं एकलो. तुज्या मात्यार हात दवर्न हांव आल्लाक साक्षेक आपयतां. ह्या संग्तिंत हांव निरापराधी..." लतीफाच्या मात्यार ताणे हात दवरलो.

"तर, अशें कशें घडलें फात्मा...?" उचांबळ जालो लतीफ चेडवाचो हात मात्यावयलो फापडून.

थोड्या वेळान थंडायेन ताणे म्हळें, "म्हजे धुवे हांव तुका पात्येतां, सांग, म्हजेकडेन सत उलय."

सांग्तां चीचा, एक दीस ताच्या तोटांत हांव कामार आसतां, म्हज्येलागीं तो आयलो. उलवन उलवन "काजार कित्याक जायनांय तूं?", म्हण ताणे विचारल्ल्याक "चीचाकडेन पयशे नांत" म्हळें, तो हासलो.

"कितले पयशे जाय तुज्या काजाराक?"

"चीचा दोनशीं रुपय जाय म्हणतालो."

"दोनशीं रुपय हांव दितां, ते कशे फारीक कर्ताय?"

म्हाका आजाप दिसलें चीचा. "तूं दितायगी धन्या पूण कशे फारीक करूं?"

म्हज्या उलवण्याक पर्त्यान हासलो तो. "कषट नांत फातिमा हांव सांग्ता तें कर्न म्हाका फारीक कर तूं, जायतमू?".

"खरें चीचा हांव ताका पात्येलीं, आनी ओपवालीं..."

सुमार वेळ मौन रावल्लो लतीफ दाडामां चाबोन उलयलो...

"उपरांत कितें जालें?"

"दुस्रे दिसा ताणे पयशे दितां म्हळें".

"दिलेगी?"

"चीचा", हुसकारोन रडलें तें, दूसऱ्या दिसा हांव सदांचे परीं तोटाक गेल्लीं. ताणे म्हज्या वांट्याक काम दिलेंना. "तूं म्हज्या घराकडेन चल, हांव पाटल्यान आयलों. तुजे पयशे घेवन वच" म्हणालो.

"ताणे पयशे दितां म्हळ्ळे दिसा तुवें म्हज्याकडेन कित्याक सांगलेंनांय, म्हजे धुवे...?" निराशेन उदगारलो लतीफ.

"पयशे हातांत मेळताच, तुका विज्मीत करयां म्हळ्ळे इच्छेन हावें सांगलेनां चीचा."

"पयशे दिलेगी ताणे?"

एक मिनूट फातिमा वोगेंच रावलें.

"व्हय, म्हज्या पाटापाट तो आयलो. आनी घराचें बागील उग्तें कर्न ताणे म्हाका भितर आपयलें. हांव नर्गालीं चीचा. ये आनी ह्या कागदार दसकत कर" म्हणालो तो. हांव भितर गेलीं आनी हावें दसकत घाली. उपरांत पयशे

मेजून ताणे म्हज्या हातांत दिताना, उपकार बावुडन हांव पाटीं घुंवलीं. ’राव’ म्हणालो तो ’कांय तरयी पियेवन वच’. हावें नाका म्हळ्यारी मेजा वयले दोन सोडा घेवन तो भितर गेलो आनी दोन ग्लासानीं भर्न घेवन आयलो. म्हाका ओड्डायिल्लो ग्लास हावें घड्येन खाली केलो. पियेताना एक नमून लागलें म्हाका. पूण हावें विशेष गुमान केलेंना. ’राव’, हांवय येतां’ म्हणोन तो ग्लास घेवन भितर गेल्लो सुमार वेळ भायर आयलोना. त्या मधें म्हजी तकली जड जाली. सगळो संसार म्हज्या भंवतोणी गुंवता तसो म्हाका भग्ताना, हावें पियेल्ल्यांत कितेंगी भर्सालां म्हळ्ळो दुबाव म्हाका जालो. बागला तेवशीं दोन मेटां काडुंक हावें प्रयत्न केलें. पूण लकलिंच, धर्णीर पडच्या वेळार ताणे म्हाका धरल्लें मात्र कळीत आसा. उपरांत ... उपरांत ...

दुखांची झर फुटोन फातिमाच्या दोळ्यांतल्यान व्हाळ्ळी.

रडतां, रडतां "आय्यो आल्ला" म्हण ताणे आपली तकली वोणदीक धाडायली.

"रडानाका पुता", लतीफान फातिमाक पाटीं वोडून आपल्ये वेगेंत आरायलें. फातिमाचे केस आनी लतीफाचें खमीस दुखांनी भिजता पऱ्यांत तीं दोगांय एकामेकाचे वेगेंत रडलीं.

"ह्या संसाराक हांव वळकातां पुता, हांगासर खंचेंय फूल बावल्या शिवाय मराना. तुका हावें सांगल्लें तूं आयकोंक नांय, व्हड ना. बावल्यारी तूं म्हाका जाय. हावें तुका व्हड केलां. देकुनंच हांव तुका पात्येतां." लतीफान फातिमाचें मुसकार उकलन आपल्या खोम्साच्या पोंतान ताचीं दुखां पुसलीं.

"चीचा हांव जाणा तूं म्हाका पात्येताय. पूण लोक हासतोलो. घरा थावन हें भायर कळ्ळ्यार, तांकां हांव कितें सांगों?. खरेंच चीचा सुर्वेर तुका हें सांगोंक लजलीं, भिंयेलीं. ते पयशे सयत तुका दिसानासें हावें लिपवन दवरले. पूण आज म्हाका लज भोगाना. त्या दीस म्हाका जाग जाताना सूऱ्यो दोनपार तीन वोरांचेर पावल्लो. घडबडेन ऊटल्लीं हांव मेजार आसल्ले पयशे घेवन धांवोन येवन घरा पावलीं. तूं नातल्लोय पळेवन लांब उस्वास सोडलो हावें. बसोन चिंता चिंता रामण्ण शेट्टिचो घात्की उद्देश हावें पार्किलो.... आनी जावन गेल्लें घटन म्हाका समजालें..."

लतीफ हें आयकाताना गंभीर आसल्लो. ताची दीषट बागला थावन भायर दाटोन येंवच्या काळोकाक पळेताली. सुमार वेळान फातिमांच उलयलें.

"चीचा तूं आसो वगेच रावशी तर म्हाका भ्यें दिसता."

लतीफ चिंतामग्न जाल्लो, फातिमान सांगल्लें ताका आयकालेना.

लतीफाचो जिनोस पळेवन भिंयेल्ल्या फातिमान ताचीं भुजां धर्न हालयलें. "म्हज्या चीचा कित्याक उलयनांय?, म्हाका गाळी सोंव... म्हाका मार चीचा, नां तर म्हाका समाधान ना... "

"समाधान आयचान संपलें फात्मा...!" दीषट घुंवडायनासतां गंभीर स्वरान सब्द भायर पडले. "लोकाक आमीं फटव्येत, खादराक आमीं बनाव्येत पूण तुज्या आनी म्हज्या कोशेडदाक कोण भांदून घाल्तोलो ना पुता ...! तें आमकां कर्गायतेलें आनी कर्गायतेलेंच...!"

ताच्या दीर्घ उस्वासाक चेडवान तकली पंदा घाली.

पांच मिनुटानीं लतीफ पर्त्यान उलयलो. "पूण आज तुका कितें जालें?"

"ताणे एक गुळी दिली".

"केदाळा?"

"काल"

"काल?.. त्या दिसा उपरांत पर्त्यान तो तुका मेळल्लो?"

"व्हय, हावें कामाक वेचें कयद केल्लें. जायत्या पावटीं वाटेर ताणे म्हाका धमकिल्लें – कागदाक दसकत केल्याय, काम कर आनी पयशे फारीक कर म्हण तो म्हणतालो"

"ते पयशे ताच्या मुसकारार कित्याक मारूंक नांय तुवें?"

"ते तो पाटीं घेवंक आयकालोच ना. ताचें काम हांव जाणा जाल्लीं देकून ताच्ये झळकेक पडानातलीं. काल सकाळीं आवचीत चिंतिनासतां तो मुकार मेळ्ळो आनी जायतीं सवालां ताणे विचारलीं. त्या वेळार हावें "व्हय" म्हळ्ळी जाप दिली. 'तशें जांवचें बरें न्हय, हांव तुका एक गुळी दितां ती घे, आनी सगळें नितळ जाता' म्हणालो तो.

लोकाच्या भिंयाक हावें 'जायत' म्हळें. सांजेर हांव उदकाक वेताना तो राकोन रावल्लो आनी ताचे कडची हावें ती घेतली".

लतीफ रावल्ल्या कडचो ओळू घुंवलो आनी काळोकाक फूड करून घर्च्या मेटार बसलो. फातिमान काडी पेटवन दिवो जळयलो आनी आपलें आंगपांग नितळ करुंक न्हाणियेक गेलें.

लतीफ आपणायितल्याक परत रडलो. थोडे पावटीं रागान ताच्यो मुटी आंर्दाताल्यो, दाडामां आडचातालीं. मुकल्यान पाशार जांवचा एका भुर्ग्याक ताणे जोरान आपयलें. आनी "वच एक बोतल सोरो घेवन ये" म्हण सांगोन बोल्सांतले पयशे काडून दिले. भुर्गो कावजेलो तें पळेवन ताणे परत घोरोज मारली.

"सांगल्लें आयकोंक्नांवे तुका...?"

कावजेल्लो भुर्गो उडोन धांवल्लोच पांच मिनुटानीं बोतली संगी पाटीं आयलो.

न्हाणी नितळ कर्न, वसतूर बदलून सोप्याक पावल्लें फातिमा आपल्या दोळ्यामुखलें दृश्य पळेवन थटाक जालें!. लतीफ बागलाक वोणकोन बसल्लो आनी एक सगळी बोतल ताचे कुशीन नीदल्ली. धांवोन वचोन ताका वेडकोळ घाल्ताना सोरयाचो वास फातिमाच्या नाकाक आदाळ्ळो.

"हें कितें चीचा... , तूं सोरो पियेलाय...?" सोरया संगी आपल्या चीचाक फातिमान पळेंवचें हेंच पयिल्ले पावटीं. ताचो जिनोस पळेवन तें कावजेलें. आनी जाप दीनासचा लतीफाचीं भुजां हालवन ताणे अजापानशें परत विचारलें....

"तूं सोरो पियेलोय चीचा..?"

"आनी कितें वीक पियेंव?" मुसकाराक मार्च्या जिन्सार जाप दिली लतीफान.

"वीक पियेवंक तुवें कसली चूक केल्याय चीचा?, पियेजाय हावें..."

"तर, पियेवंक नांय कित्याक?, एदोळी तूं जिवंत आसाय? तूं नातल्लेंय तर हांव पुणी समाधानान आसतों!".

ह्या अनिरीक्षीत घर्जोण्याक फातिमा भिंयान पाटीं उसाळ्ळें. उपरांत धोंपरा मधें तकली बागावन गळगळ्यां रडलें.

"आय्यो आल्ला!, हावें तुका कितें वायट केल्लें म्हळ्ळ्या खातीर तुवें म्हाका ह्या सर्वाक कारण केलेंय?. चिंतून सयत नेणां आसल्लीं.... म्हज्यान

तुवें तें भोगाशें केलेंय! हावें आयकोंक नातल्लें सयत म्हज्यान तें सांगाशें केलेंय... आय्यो आल्ला!"

लतीफाचें काळीज परत कडलें. घुंवोन ताणे फातिमाक आरायताना ताच्या तांबशेल्ल्या दोळ्यानीं दुखां भरल्लीं.

"कारण हांव पुता, आल्ला न्हय, तीन महिन्यां आदीं खादरान तुजो हात मागताना हावें ओप्पिगी दिजाय आसल्ली. हांव सपणेलों – एक्ये राणियेबरीं तुका धाडुंक आंवडेलों. सर्व पिड्ड्यार जालें. भिंयेनाका पुता..." फातिमाच्या केसानीं आपलीं बोटां रिगवन तें मातें पोशेत्त तो म्हणालो. "हो सोरो म्हाका कितेंय करुंक सकचोना. हांव तो पियेतां कित्याक जाणांय? आदीं आपूण एक मनीस म्हण लेकून आपूण जियेतालों, त्या देकून पियेनातल्लों. पूण आज त्या उद्देशान हांव जियेना, देकून पियेतां. आमीं चिंतचापरीं संसार चलानां पुता, संसार चल्ता त्या परीं आमिंय चलोंक जाय. ह्या फुडें हांव तसेंच कर्तोलों".

लतीफाचे वेगेंतच चेडवान तकली वयर उकल्ली आनी ताच्या तोंडार दीषट घाली. कसलोगी धड निर्धार त्या तोंडार झळकतालो. फातिमान ताच्या दोळ्यांक पळेताना ते दोळे भायल्या काळोकांत कोणाकगी सोदतात तशें भोग्तालें.

थोड्या वेळान फातिमाक थंयसरच सोडन उभो रावताना लतीफान विचारलें "सांत्येक गेल्ल्यो गाडियो पाटीं आयल्यातवे?"

"कोणाची?, आमच्या आय्यागेली?"

"कोणाची म्हळ्ळ्या खातीर हावें विचारलेनां. सांजे उपरांत एका गाडियेचो पुणी आवाज तुवें आयकालाय?"

"ना..." कांपेरया ताळ्यान फातिमान जाप दिली. कसलोगी दुबाव ताचे मतिंत चरलो.

"कित्याक चीचा, सांतेच्या दिसानीं गाडियो पाटीं येताना केदळाय वेळ जाता तें नेणांयवे तूं?"

"हांव जाणां, तूं निदे म्हाका राकानाका..." इतलें म्हणोन लतीफ भितर गेलो आनी थोड्या वेळान पाटीं येताना ताच्या आंगार खोमीस नातल्लें. तोटाक वेताना न्हेसची मटवी चड्डी ताणे घाल्ली.

"खंय वेताय चीचा?" भिंयान विचारलें फातिमान. लतीफान जाप दिलिना, बदलाक मुकल्या बागला वयर पाक्याच्या वास्यां मधें शिर्कावन दवरल्लो कोयतो ताणे वोडलो आनी आपल्या पेंकटाक तो खोवयलो.

फातिमाचो दुबाव खरो जावनासल्लो. त्या दिसा बाळू पेंटेंत सांत आसल्ली आनी सांत्येक गेल्ल्यो गाडियो पाटीं येताना रातिचीं धा वोरां उतर्तालीं. हऱ्येका हप्त्यांत सांतेक वेच्या गाडियां पयकी रामाण्ण शेटची गाडियी कायामाची जावनासल्ली.

चिंता चिंताना मुकार घडोंक आसचें घडीत फातिमाच्या दोळ्यां मुकार चित्रां रुपार नाचोंक लागलें. घाम ताका सुटलो. आपलो चीचा कितलो हटी स्वभावाचो तें ताका सार्कें कळीत आसल्लें. फुडें घडोंक आसच्या अनाहुतांक आपुण्च कारण जातेलीं म्हळ्ळें ताका सुसतालें. तक्षण मुकार धांवोन ताणे भायर वचोंक मेटां काडच्या लतीफाच्या पांयांक वेडकोळ घालो.

"नाका चीचा दम्मया, तशें करिनाका..."

लतीफ आपल्या पांया कडे झुजलो. बळ प्रयोग करुंक ताणे चिंतलें तरयी तशें केलेंना. बदलाक फातिमाच्या दोनी बावळ्यांक धरून वयर उकल्लें. आपणा शिवाय हेर आधार नातल्ल्या त्या निराधारी चेडवाचें तोंड पळेवंक ताचान जालेंना. तशें म्हणोन आपणें केल्लो निर्धार बदलोंकय तो तयार नातल्लो.

"फातिमा" मोगान तगसाल्ल्या स्वरान तो उलयलो. "आमच्या मुसलीम धर्मांत दादल्याक कितल्योय बायलो तरयी स्त्रीयेक एकलोच दादलो. तूं मुसलीम चेडूं. चिंतून पळे. तो शेटी जीवंत आसा पऱ्यांत खादरालागीं तुवें काजार जावंक न्हजो, धर्मा पर्माणे हें सार्कें न्हय".

"पूण चीचा म्हाका आनी काजार नाका".

"ना," पर्त्यान उलयलो लतीफ, "तें जांवचे ना, तुज्या बापायक हावें उतर दिलां. धर्मा प्रकार तुजें काजार जातेलें. एकच ताचेलागीं वा हाचेलागीं. पूण तुजें काजार जातेलें तें मात्र खंडीत".

"पूण चीचा, तूं आतां भायर वेचो घोटाळो कर्ताय – आनी एदोळ लिपोन आसल्ली संगत सर्व लोकाक कळतेली".

"लोकाक ती एदोळ कळीत ना जावंक पुरो .. पूण शे ी ती संगत जाणामू? ताचे दोळे उग्ते आसताना हांव कशें तुका खादराक ओप्सून दींव? तो मतिंतच हासतोलो. सोड फातिमा, हांव ते दोळे सासणाक धांपायतां". मुकार वचोंक उर्डोंच्या लतीफाक आसल्ल्या बळान वेंगलें फातिमान.

"नाका चीचा, आल्ला खातीर आज नाका. तुजो राग निवाजाय तर तो म्हजेर प्रयोग कर. तुका जाय तितलें मार, बडय, पूण तुजे मतिंत तुवें चिंतलांय तें विसर चीचा, म्हाका भें दिसता... शे ीक तूं मार्तोलोय... फाल्यां पोलीस तुका धर्तेले... हा... म्हज्यान तें सोसुंक न्हजो चीचा म्हज्या तें न्हजो .." तें रडलें आनी बागलाक आड रावलें.

"दळदीर चेडवा..." दाडामां चाबोन बोबाटलो लतीफ, "हांव जाणा, तुका खंत म्हजी न्हय, ती तुका असल्ली तर तूं आशें कर्तेनांय, तुका हुसको त्या शे चो ..." फातिमाच्या दोनी भुजांक धर्न हालयित्त ताणे विचारलें.

"सांग, त्या शे लागीं तूं काजार जाताय?"

फातिमाचे दोळे रुंदाले, जाप दीवंक सकानासतां भिर्मत चेडवान तकली पंदा घाली.

"उलय"! पर्त्यान बोबाटलो लतीफ. "हात–पांय बांदून हांव ताची मुंजी कर्ता, आनी तुका ताची पतीण कर्तां, उलय, तूं तयार आसाय?"

कितें जाप दितेलें फातिमा? रडण्या शिवाय दुस्री जाप लतीफाक मेळ्ळिना. विरारायेन आपले हात ताणे वारयार धाडायले. हेणे तेणे पासायो मारल्यो.

"म्हाका म्हजे इतल्याक पुणी सोड..."

बागलार आड रावल्ल्या फातिमालागीं परातलें लतीफान.

"ना, आज तुका भायर वचोंक सोडचिंना हांव". फातिमा खडाखड उलयलें. "हावें सांगचें तुजेच खातीर, जर म्हजो हुसको तुका आसा, आज तूं भायर वचानाका. हांव जाणां तुवें म्हजो विपरीत मोग केलोय. त्या खातीर हावें तुका कितेंय पाटीं दिल्लेना, बदलाक दिली नालिसाय आनी बेजाराय. त्ये म्हज्ये चूकीक कितें प्रायश्चीत करयेत तें हांव कर्तां. तूं तें तकलेक घेनाका". आपले दोनी हात विसतारून बागलाच्या आड्यांक तेंकून तें रावलें.

लतीफ चाळवालो.

"फातिमा तूं जाणांय म्हजी सवय. बरयान सांग्ता कितें तें हावें चिंतलां तें करुंक म्हाका सोड, ना तर....!" अर्ध्यारच तो रावलो आनी आपल्या उज्व्या हातान पेंकटांक खोवयिल्ल्या कोयत्याची मूट ताणे धरली.

"हांव जाणां तें. तशेंच कर. पयलें म्हाका मार उपरांत भायर सर..." फातिमान उलवन आकेर जांवच्या फुडें बळाचें एक थापाड ताच्या पोल्यार बसलें.

चिंतिनातल्ल्या घड्ये आपटाल्ल्या त्या माराक तें शिरीं चुकलें. तकली ताची गिर्गिरली आनी दोळे गयरे जाले. दोनी हातांनी आपले तकलेक आधार्सून ताणे स्वयं सांबाळ्ळें. पूण वाटे वयलें तें उटलेंना.

"ऊट थंय थावन" बोबाटलो लतीफ, आनी त्या पाटापाट फातिमाच्या बावळ्याक धर्न ताणे ताका वोडन हाडलें आनी कुशिच्या बांकाचेर लोटून घालें.

"म्हाका तुजो हुसको आसल्लो – म्हाका तुजो हुसको आसल्लो आनी त्याच खातीर घडियाळाचीं वोरां मेजिनासतां हांव घोळतालों. तुज्या हातांक त्रास दिनाय म्हळ्ळ्या खातीर म्हजे हात हावें दाड्ड केले. तुवें सुखान आसाजाय म्हळ्ळ्या उद्धेशान म्हजी सगळी जिणी साक्रिफीस भेटवन आंकवारपणान खर्चिली. पूण म्हाका मेळ्ळें कितें? तुज्या बरेपणाक हांव ओह्वाडतालों, आनी तूं जाती भायल्या हराम्याचें उषटें जालेंय. तुजे खातीर हांव मऱ्याद उरवंक पेचाडतालों आनी तुवें म्हजें घर भस्म केलेंय..." थोडो वेळ तो मौन रावलो.

"आज म्हाका तूं आडायनाका. आमच्या गरिबांच्या मऱ्यादीकय मोल आसा आनी तें त्या सवकाराक कळाजाय".

"वच चीचा, तांतू तुका समाधान आसा तर हांव तुका आडायना.." सवकास उलयलें फातिमा. उपरांत तकली उकलन लतीफाचेर ताणे दीषट घाली. ती दीषट भिर्मत पाचार्ताली. बागलार कसलीय आडकळ नातल्ली तरयी एकच एक मेट फुडें दवरुंक लतीफ सकलोना. एक घडी मात्र लतीफान बलात्कारान फातिमाच्या तोंडावयली दीषट घुंवडायली आनी घुंवोन बागला कुशीन तो मेटां काडिलागलो.

"पूण चीचा"..., फातिमान मुंदर्शिलें "फाल्यां थावन लोकाक तोंड दाकावंक हांव सकचिंना.." लतीफ एक घडी रावलो. बागला भायर दाट काळोक प्रासारल्लो. पयस थावन पेटे घोंक्तात तें आयकातालें. सांगाताच थंड वारयाक धलोन येंवच्या अस्पषट गानांक ताचे कान नीट जाले. फातिमाचीं उत्रां ताका आयकाल्लीं मात्र पूण तीं ताका समजोन घेवंक पुर्सत नातल्ली. कित्याक सांत्येक गेल्ल्यो गाडियो चिन्नहळ्ळीक भितर सर्तात तें तो जाणा जालो. पेंकटांक मुकल्यान खोवयिल्लो कोयतो ताणे भायर काडलो आनी पाटल्यान कुल्याकडेन तो खोवयलो, आनी खिणा भितर तो भायर पडलो.

"चीचा..." म्हण फातिमान उलो मार्ताना लतीफ भायल्या काळोकांत भर्साल्लो.

मलनाड प्रदेशानीं आसच्या चडावत हळ्ळेच्या लोकाक सांतेचो दीस म्हळ्यार फेसताचो दीस म्हळ्ळेपरीं. स दीस खळमीत नासतां घोळोन आसचो हो कषटी लोक ह्या एका दिसाचे खुशालायेक आतुरायेन राकोन रावता. एक्येके हळ्ळेंत एकेक दीस सांत आसता. आदल्या दिसा तांचे सवकार तांकां 'एडवान्स' दितात आनी दिस्रे दिसा सांते खातीर तांकां हप्त्याची रजा दितात. सगळ्या हप्त्याक जाय जाल्लो सामान घेवंक लोक ह्या सांत्येक वेता.

हप्त्याची पुरासण काडुंक गम्मतायेचो वेळयी तांकां होच सांतेचो. सोरयाचे पयशे पयलेंच विंगड दवर्न ऊरल्ल्यांत घराक जाय तें घेंवचे आनी नाकभर घोटून रातीं पाटीं घरा येंवचें. खर्चाल्ल्या पयश्यां खातीर ताणी खंत काडची दूसऱ्या दिसा वोतांत घोळताना. त्या दिसा तांचे कडेन एक पयसो सयत उराना. सांते थावन कितें हाडलां तें हप्तो भर झरयतात, आनी मुकल्या 'एडवान्साक' राकोन रावतात. आनी तो तांच्या हाताक मेळ्ळो म्हणताच तांची खंत नपंयच जाता. नव्यान पाकाटे फूटल्ल्या जिन्सार उडोन उडोन सांतेक गेले आनी तांकां  तितली मजा मार्न पडोन पडोन पाटीं आयले. उपरांत दूसऱ्या दिसा रडोन रडोन परत घोळोंक लागले. आसली सवय जावनासल्ली तांची.

चिन्नहळ्ळिचो लोकय ह्या सवये थावन कांय वेगळो न्हय. हांकां सोमाराची सांत, ती लागसिल्या बाळू पेंटेंत जाताली. चडावत आळ सांतेक चुकानासतां वेताले. भोव थोडे मात्र कशिसेचे आनी कुटमाची खंत आसचे ह्या काप्येच्या दिसानीं सांतेक वचानासतां चडीत काम कर्न पयशे जमायताले आनी घराक जाय तें हाडुंक सांतेक वेच्या हेरां लागचो आधार मागताले.

आज सांत मुगदोन गाडियो चिन्नहळ्ळीक पाटीं पर्ताताना बाळू पेंटेंतच वोरां आट उन्राल्लीं. चाचार आणे दीवन ह्या गाडियानीं बसल्लो लोक त्या दिसाच्या सांतेंतली खबर आशार पाशार कर्तालो. पियेल्लें तकलेक लागल्ले थोडे लेले घालन हुयिल्यो मारीत आसताना निदेन पिकलेलीं बायलां थोडीं जांबायो काडीत बसल्ल्या कडेन्ंच जेमेतालीं. लगबग बारा गाडियो आसल्ल्यो त्या दिसा. तांतल्यो दोन रामाण्ण शेट्टीच्यो.

शेट्टीक ल्हानशें एक तोट न्हय आसतां, व्हडली एक जिन्साची अंगडय आसल्ली. बापायन कर्न घाल्लो जागो जायित्तो आसल्लो. आळां कर्नां काम करवन नेणासल्लो शेट्टी बापय उपरांत आपलो खाली जागो मेळल्ल्या मोलाक विक्तालो. आनी आसल्ल्या चाळीस एकऱ्या तोंटांत पीकल्लें खावन चिन्नहळ्ळेंतच व्हडली अंगड म्हण नांवाडल्ल्या आपल्या आंगडे पाटल्यान आसतालो. चिन्नहळ्ळेच्या लोकाक तांच्या गर्जांनी ताची अंगडच एक आस्रो.

आळांक रीण दिलें तर तें वसूल करुंक शेट्टी बरो हुशार आसल्लो. पयश्यांनी न्हय तरयी एकान्येका रितीन आपलें रीण तो वाडी समेत वसूल कर्तालो. त्या देकून ह्या आंगडी वर्वीं हेरां सवकारांक मेळच्या प्रास चडच सलाम शेट्टीक मेळतालो – चिन्नहळ्ळेंत.

बाळुंत सांत जांवच्या आदल्या रातिंच ताची एक गाडी हासनाक भायर सर्ताली. आनी थंय थावन ताचे आंगडीक जाय जाल्लो सामान भरून घेवन दूसऱ्या दोनपाराराशें बाळुच्या सांतेक पावताली. रामाण्ण शेट्टी सांते दीस फांत्यारच उटोन गाड्येर बाळूक वेतालो आनी आपलो वहिवाट संपवन कितेंय घेंवचें आसल्लें तें गाड्येंत भर्न हासन थावन आयिल्ले गाडिये सवें रातीक चिन्नहळ्ळीक पाटीं पर्तातालो.

बाळुपेटेंत ताचे तेग – चवग ईषट आसल्ले. ताच्याच कसताचे हे. हाणीं सांगाता मेळोन उलंवची मुख्य खबर जावनासताली चेडवांची, तीय आळां

भितर व्हड जाल्ल्या आंकवार चलियांची. अनभोग नातल्ल्या असल्या चलियां संगीं आपणे भोगल्ली मझ्या एकलो रंगवन सांग्ताना ऊरल्ले व्हडलो आवाज करून हासताले, आनी भोंवतिचो लोक चिंतालो – हे व्यापारा बाबतीं उलयतात म्हणोन, पाटल्या हप्त्यांत घडल्लें सांगोन मुगदातच हऱ्येकलो आपापलें मुकल्या हप्त्याचें योजन विवर्सितालो आनी निमाणे सर्व एकामेकाक तातांच्या ह्या बरया कामांत जीक मागोन विंगड सर्ताले.

आज बाळू थावन चिन्नहळ्ळेक पाटीं वेच्या बारा गाडियां पयकीं मुकार आसल्ल्यो दोन गाडियो रामाण्ण शेट्टिच्यो. हासन थावन भर्न आयिल्ली गाडी एकलो आळ आंबुडतालो. आनी दुस्री ताका पाकें आसल्लें ती आंबुडतालो जन्ना.

जन्ना –हें नांव आयकाताना चिन्नहळ्ळिंतलीं बायलां निदेंत उटोन बसतालीं. जन्ना हाचें सार्के नांव जनार्धना, पून ल्हानपणार थावन चिन्नहळ्ळिंतल्या सावकारांचें उष्टें खावन वाडल्लो चाकोर हो. हाका नांवान आपयजाय म्हळ्ळी खंच्याय सावकाराक गर्ज म्हण दिसानातल्ली. त्या देकून ह्या मनशाविशीं उलयताना ताणीं म्हणचें आसल्लें "तो एन्ना जना". फुंक्याचें खावन जेवन खंत बेजाराय नासतां दाटो मोटो जावन वाडल्लो. जनार्धना निजायकी ताका पोटाक दितेल्यांक "एन्ना जना" म्हणोंक फावो जाल्लो. 'घोंक' म्हणताना घोंकून, 'चाब' म्हणताना चाबोन, 'बस' म्हणताना शिमटीं पंदा घालन बसचें सावकारांचे सुणे हो जन्ना. हो नासतां सावकारांचें घुटाचें काम खंचेय जायना. शिकारी, जांव मनजातिंचीं वा मनशांची – जन्नान थंय आसाजायीच. बरया कामाक ह्या मनशाक कोणी वापारिनातल्ले. कित्याक जन्ना इतल्या वायट स्वभावाचो मनीस जावनासल्लो की, बरेपण म्हळ्यार कितें म्हळ्ळें तो नेणासल्लो.

आशें चिन्नहळ्ळेंतलो लोक तांतांच्या धनियां वर्नीं चड जन्ना विशीं भिंयेतालो. आज जन्ना चिक्के चडच पियेवन आसल्लो म्हण्येत. रामाण्ण शेट्टिची एक गाडी आज ताच्या हातांत आसल्ली. ती गाडी ताच्या हातांत दिताना शेट्टीन आनी ताच्या सांगात्यानीं पयलेंच ताका चत्राय दिल्ली – "जन्ना ह्या गाड्येंत 'म्हाल' आसा. हेर कोणाकी ही संगत कळोंक न्हजो. हासन थावन आयिल्ली गाडी आंगडीक वचोंदी. तूं मात्र ही गाडी घेवन

बोंगल्याक वच. आमीं इक्रा वोरारशें कारार बोंगल्याक येतांव, तवळ पऱ्यांत हो म्हाल तुवें सांबाळिजाय..."

'म्हाल' म्हणताना शे ीन तिक्के दांबून सांगल्लें, आनी तितल्यारच जन्नाक सगळी संगत कळीत जाल्ली.

"चन्राय कर आमीं येंवच्या पयलें हात–बोट लायनाका". धन्याच्या सांगात्यानीं चन्राय दिताना जन्ना व्हडल्यान हासल्लो. आनी आतां ताची गाडी तो म्हाल घेवन चिन्नहळ्ळीक लागीं सर्तालो. ताचे गाड्येक पाटल्यान मुकल्यान गोण्येचो पडदो धांपल्लो. तवळतवळ जन्ना ही गोणी उकलन भितर तिळतालो आनी आपणायितल्याक आंयडे घोटतालो.

वोरां कांय धा उत्राल्लीं. त्या दाट काळोकांत ह्यो सांत्येक गेल्ल्यो गाडियो नीदल्ले हळ्ळेक जागयित्त चिन्नहळ्ळीक भितर सरल्यो. पयस थावन हांकां राकोन रावल्ली एक व्यक्ती आपणे रावल्ल्या थंयच काळोकांत लिपली.

चिन्नहळ्ळेक पावताच सर्व गाडियो रावल्यो, देंवचो आसल्लो लोक आपापलें फारीक कर्न गाडिये थावन देंवलो, आनी आपापल्या घर्च्या वाटेक लागलो. पांच स गाडियो थंय थावन्ंच आड वाटेन घुंवोन आपल्या ठिकाण्यांक भायर सरल्यो.

रामाण्ण शेच्यो दोन गाडियो आनी ऊरल्ल्यो च्यार आशें स गाडियो आपल्या वाटेक लागल्यो. अर्ध्या फरलांगा मुकार शेची अंगड आसल्ली. आनी थंयसर दोन गाडियो रावताना, ऊरल्ल्यो च्यार तांच्या वाटेन मुकार गेल्यो. हासन थावन सामान भर्न घेवन आयिल्ली गाडी रसत्या थावन आंगडीक गेली. आनी जन्ना, आपली गाडी आंबडून रसत्यान्ंच मुकार गेलो शेच्या बोंगल्याक.

***

फातिमाक सोडन घरा थावन रभसान आयिल्लो लतीफ शेच्या बोंगल्या लागिंच आसच्या एका व्हड जयत रुकाच्या आडोसाक काळोकांत बसोन आसल्लो. आंगडी कुशीं गेल्ल्या गाडियेचेर ताची दीषट आसल्ली. ते गाडियेर शे ी ना म्हण कळतच बोंगल्या कुशीन येंवच्ये गाडियेक राकोन रावलो. आतां लतीफान पाटल्यान शिर्कायिल्लो कोयतो हातीं घेतलो. त्या काळोकांतच जाता तितलें चिडकोन म्हळ्ळेपरीं तो रुकापाटल्यान लिपलो.

हे गाडियेर पुणी शे ी आसतोलो म्हण लेकल्ल्या ताका सुर्वेरच दीषटीक पडलो जन्ना.

जन्नान गाडी बोंगल्या मुकल्या आंगणांत रावयली आनी लांब एक उस्वास सोडन बोल्सांतली बिडी काडन वोंठार कववन पेटयली.

गाड्ये थावन शे ी देंवोन येतलो म्हण राकोन आसचो लतीफ निरासलो. सुमार वेळ पऱ्यांत गाड्ये थावन कोणी देंवलेना तें पळेताना, आज शे ी येवंक ना आसतोलो म्हण लेकलें ताणें. सांतेक वचानासतां आज तो बोंगल्यांतच रावला जावंकय पुरो म्हळ्ळो दुबावय मारलो ताका. इतल्यार बोंगल्याचो फोर्टिकोंतलो दिवो पेटलो. तशें पाटापाट मुकलें दार उग्तें जालें. बागील उग्तें केल्लें शे च्या बोटलेरान. जन्ना मुकार गेलो आनी ताचेलागीं कितेंगी सांगालागलो. लतीफाक तें स्पषट आयकालेंना. उपरांत दोगी गाड्येलागीं आयले. जन्नान गोणी उकलन बोटलेराक गाड्येंत आसल्लें दाकयलें. बोटलेर व्हडल्यान हासलो.

"आयचो म्हाल बरो आसा, खंय थावन हाडलो?" हासोन्ंच विचारलें ताणे.

"बाळ्ळू थावन", जाप दिली जन्नान, "आमच्या अय्यान हाच्या मावळ्याक चाळीस रुपय दिल्यात. येंवच्या सोमारा पऱ्यांत तें हांगाच आसतेलें. भिंयेनाका, वांटो म्हाकाय आसा तुकाय आसा. पयलें अय्याचें जांवदी उपरांत आमकां. थोड्या वेळान ते चोवगी काारर येतेले. वच तूं तयारी कर..."

उपरांत दोगी व्हडल्यान हासले.

लतीफाचे कान चुरूक जाले. जन्नान सांगल्लें ताका सार्कें आयकाल्लें. मुकार जावंक आसच्या संग्तिंचो साधार्ण आंदाज केलो ताणे. रागान ताची दाडामां अर्नालीं. गाड्येर कितें आसा तें ताच्या उलोण्यांतच ताका कळल्लें.

लतीफाक फातिमाचो उडास आयलो आनी रागान ताच्या हातांत आसल्लो कोयतो ताणे रुकाक तोपलो. ह्याच घड्ये मुकार वचोन देंवचारांक कातर्न उडव्यां म्हळ्ळी ताळनी ताका आयली, तरयी सयरण सांबाळन मुकार कितें घडता तें पळेवंक तो राकोन रावलो.

चडुणे धा मिनुटां पाशार जालीं. ह्या मधें जन्ना भितर गेल्ल्या बोटलेराक उलो मार्न एक चेंबू उदक हाडवन पियेलो. आनी आन्येक बिडी पटवन मुकल्या दार्वाट्याच्या मेटार बसलो.

वेळ उतर्तालो, शेचिेर फारिकपण घेंवच्या इराद्यान आयिल्ल्या लतीफाक त्या काळोकांत बसल्ल्याकडेन आपलें सयराण चुक्ता तसें भग्तालें.

पोर्टिकोंतलो उज्वाड बागला आनी जनेलांतल्यान आर्ध्या आंगणा पऱ्यांत प्रसारल्लो. चिक्के पयश जन्नाच्या उज्व्याक काळोकांत आसल्ली ती गाडी तरयी गाड्यो पंदल्या लांप्यांवाच्या मसक उज्वाडाक लतीफाक ती सार्की दिसताली. थोडे पावटीं वजन व्हाववन थकल्ली गोमटी सार्की कर्च्याक गाड्येचो बोयल आपली तकली हालयतालो. आनी तवळ ताच्या गोमटेक गुंतल्ल्या खिणकुळ्यांच्या आवाजाक जन्नाची आनी लतीफाची दीषट गाड्ये थंय घुंवताली. दोगी जण एकामेकाक फूड करून शेीक राकोन बसल्ले.

काळोकांत बसल्ल्या लतीफाक उज्वाडांतलें सर्व दिसतालें. तरयी थोड्याच मेटां पयस एक अनाहूत आपणाक राकोन बसलां म्हळ्ळी खबर उज्वाडांत आसल्ल्या जन्नाक कळीत नातल्ली.

"वोरां कितलीं जालिंगाय?" चिक्के व्हडा ताळ्यान आपणायितल्याक उलयलो जन्ना पालवल्ली बिडी पयस उडवन. थोड्या वेळान जांबायो काडित्त बोटलेर भायर आयलो. "वोरां साडे धा जालीं, तुका कितें नीद येता?" विचारलें ताणे.

"आयच्या म ाक नीद पुणी येंवचीं ना. पूण बाळुपेटेंत पियेल्लो सोरो फिर्वाला आनी पोटांत भुकेन उजो पेटला, भितर कितेंय आसा?"

"कितेंय म्हळ्यार कसलें तें?..." हासोनशें बोटलेरान सवाल केलें, "सोरोगी वा जेवण?"

"खंचेय जाता, सोरो मेळ्ळो तर ताणीं येंवच्या पऱ्यांत अशेंच राकोन बस्येतें. ना तर ही पोटाची भूक म्हज्यान पुणी सोसुंक जायशिना, आसावे?"

बोटलेर परत हाळवायेन हासलो.

"आसल्यार दी सायबा चिडायनाका..." परातलें जन्नान.

"दिव्यां, पूण दिंवच्या वेळार अय्या येत तर ताका म्हजोय घूट कळात!".

"तशें कांय इक्रा वोरां पयलें खंडीत पावानांत ते, ताणी केल्ली मांडावळ हांव जाणां. ते आतां सकलेशपूर गेल्यात, आनी थंयच्या इंगलीष बारांत कांय बोतली सुकयल्या शिवाय पाटीं येंवचेनांत. रातिच्या खर्चाक नाकावे? हांगासर इतलें काम आसा ..." आतां बोटलेर व्हडल्यान हासलो आनी भितर गेलो. थोड्या वेळान पाटीं येताना ताच्या हातांत एक ग्लास आसल्लो आनी तो जन्नाक दिताना ताणे म्हळें, "हांव भितर हाडन दवर्ता तें आय्याक कळीत ना. उलयताना चुकोन पुणी ताका सांगानाका हां...!"

बोटलेरान दिल्ले चन्नायेक जन्ना वोंट रुंदावन आपुरबायेन हासलो आनी ग्लासांत आसल्लो एकाच घोटान ताणे खाली केलो.

"खावयिल्ल्या हाताक खोंच मारीनवे हांव? धनी तो जाल्यारी म्हज्या पोटाक वाडन दिजाय तुवें न्हयवे? तुका वायट चिंतून हांव खंच्या पोंडाक वचों सांग..." सयलाप उलयित्त खाली ग्लास पाटीं दिलो ताणे.

वारें घाल्यार बोटलेर कितलो फुग्ता म्हळ्ळें जन्नाक कळीत आसल्लें. धन्या उपरांत ताणे पयलो सलाम दिंवचो आसल्लो ताच्या बोटलेराक. तशें जाल्ल्यान राक्साबरीं ताचो जीव वाडल्लो आनी हसतिचें बळ ताचे कुडिंत भरल्लें.

आतां जाल्यारी बोटलेराक ताणे फुकारल्लें व्यर्थ जालेंना. "तर तूं जेवतायवे जन्ना?" विचारलें बोटलेरान. "ते सकलेशपूर थावन जेंवन्ंच येतेले म्हण दिसता. ताणीं येंवचे भितर तुजें जांवदी".

जेवण म्हळ्यार पंद्रा मयलां धांवोन्ंच वेचो जन्ना एकाचपारा बसल्ल्या थंयचो उटोन रावलो.

"वाड बोटलेरामा, चिक्के पयलें हांव्ंच तोंड सोडच्यार आसल्लों. सत सांगचें तर बाळुपेटेंतच म्हाका भूक लागल्ली".

"पूण बोयला गाड्येर आसा तें उटोन धांवात तर?" हासोंन्ंच विचारलें बोटलेरान.

"धांवचे सोडन ताका आतां आपूण चिन्नहळ्ळीक पावल्यां म्हळ्ळीच खबर ना!".

"म्हळ्यार?", बोटलेर आजापलो. "तर तें आपल्या स्वंत खुशेन आयिल्लें न्हयगी?"

"तुवें पळयताना तें गाड निदेंत आसल्लें कळोंकनावे तुका. ताका निदेचें वकात दिलां बोटलेरामा...", जन्ना हासलो.

बोटलेराक ही गजाल निजायकी सुसतालिना. गाड्यांतल्या चेडवाक ताणे पळेताना तें निदोन आसल्लें तरयी वाटेच्या पुरासाणेन आड पडलां आसतेलें म्हण ताणे लेकल्लें. पूण आतां जन्नान सांगल्लें आयकोन हांतू कितेंय दुस्रो मतलब आसा म्हळ्ळो दुबाव ताका मारलो.

काळोकांत आसल्लो लतीफ हांचे संभाशण कान दीवन आयकातालो. निदेचें वकात दीवन चेडवाक आपवन हाडलां म्हणताना ताच्या आंगाची लोंव उभी जाल्ली. बसल्ल्या थंयच हुळवुळ्ळो तो.

"सार्के सोडवन सांग जन्ना. आमच्या अय्यान हाका चोरयेन पुणी उसळावन हाडुंक नांमू?"

"छे छे , तशें कांय ना. हाचो मावळो अय्याचो रिणकारी. वर्सा पयलें ताणे हाचेकडचो चाळीस रुपय रीण घेतल्लो खंय. गाडी आंबुडन दीस काडचेच कषट जाल्यात ताका. एक्ये गांटीन चाळीस खंचे दितोलो? एदोळ पऱ्यांत वाड दीत आसल्लो. आदल्या सोमारा आमच्या अय्यान ताका कडक्क ताकीद दिल्ली".

"कितें म्हण..?" बोटलेरान मधेंच सवाल केलें.

"एका हप्त्या भितर रीण फारीक करिजाय म्हण. कित्याक म्हण सांग्ता आयक. ह्या चेडवाची आवय सरल्या आनी बापूय गांव सोडन धांवला. तशें जावन हें ल्हान थावन मावळ्यागेरच आसा. अळे बोटलेरामा, आमच्या आय्याक ही ऐडिया हावेंच दिल्ली. हें चेडूं आदल्या महिन्यांतच व्हड जाल्लें. ती म्हाका खबर आसल्ली". आपली बहादूरी उलयलो जन्ना.

(घरांत एक चेडूं व्हड जालें तर, कुटमाच्यांक आनी सेजाच्यांक आपवन काफी फळहार दीवन गम्मत कर्चे आनी ही खबर गांवाक कळंवची रिवाज मलनाड प्रदेशानीं आतांय थोड्या हरिजनां मधें आसा)

"हो..हो, चेडूं तर एकदम ल्हान प्रायेचें, पूण पळेताना कळाना" म्हणालो बोटलेर.

"ताका वाडावळ बरी आसा ..." जन्नान मंदर्सिलें.

"देकून ह्याच वेळार हाच्या मावळ्याचेर ओत्तड घाल्यार अय्याचें काम जाता, ताचें रीणय फारीक जाता. देकून दोंगायचे कान फुंकून हावेंच ही मांडावळ केल्ली. कशी म्हजी ऐडिया..?" जन्नान भुजां हालयलीं.

"ऐडिया जाव्येत तुजी", ताच्या भुजांक थापडून बोटलेरान शिफारास दिली. "पूण चेडवाक ही गजाल कळीत नांवे?"

"सांगचें आयक, आदल्या सोमारा हाच्या मावळ्याक अय्यान धमकी दिल्लिमू? उपरांत हांव ताका घुटान मेळ्ळों. आनी रिणांतलें परिहार जोडुंक आशें आशें कर म्हण आलोचन दिली. सुर्वेर आयकालोना पूण पयशांचे चिंतून निमाणे ताणे ओपवाजायीच पडलें. त्या पर्माणे चेडवाक कितेंगी नीब दीवन आपले गाड्येर घेवन तो आज सांतेक आयिल्लो. सुर्वेरच मांडावळ केल्ल्या पर्माणे सांजेरशें आमचा आय्यान दिल्लो पिटो खबरेविणे ताणे सोडांत भर्सून चेडवाक तानेक दिल्ल्यापरीं पियेवंक दिलें. थोड्यावेळान चेडूं आपणाक तकली जड जाता, नीद येता म्हणतानांच मावळ्यान म्हळें, 'नीद येता तर, वच आनी गाड्येर निदे' म्हण. चेडूं गेलें आनी गाड्येर निदलें. तशें नीदल्लें तें आतांय निदेंतच आसा. गजाल कळ्ळिमू?"

जन्नाचें आयकोन बोटलेर विज्मीत पावलो.

"तर ही गाडी?" भायल्या गाड्येक पळेवन दुबावान उलयलो बोटलेर.

"व्हय गाडी ताची, बोयल मात्र आमचोच. सांतेंत चेडवाक उकलन लोका मुकार आमच्ये गाड्येर घालुंक जाता? देकून बोयलाक मात्र आमीं बदलितांव. येंवचा सांते दीस गाड्ये समेत चेडवाक पाटीं पावयल्यार जालें. आय्याचे चाळीस रुपय वसूल..." तोंड उघडन लांबायेच्यो हासो हासलो तो.

"थुक्क" करून तोंडांतली थिंपी लतीफान धर्णीर उडयली. जन्नाच्या उत्रांचो ताका इतलो कांठाळो आयलो की हेरा वेळार जाल्यार तीच थिंपी ताच्या मुसकरार थुक्तो कोण्णा.

"आनी पुणी इल्लें वाडन दिशिये बोटलेरामा", म्हणालो जन्ना पोटार हात भोंवडायित्त.

जन्नाची काणी आयकोन कितेंगी चिंतून आसल्लो बोटलेर आतां वासतव संसाराक आयलो. "हां..जायत ... जायत. तूं हांगाच राव, हांव कुजनांत वाडन दवर्ता आनी तुका आपयतां". म्हणात्त तो भितर गेलो. आपल्या

भुकेल्ल्या पोटाक मालीश करित्त जन्ना मेटां देंवलो आनी शिलोण्यो मारित्त गाडिये लागसार पासायो मारिलागलो आनी हांगासर एक संगत घडली.

लागसर कोणेंगी खोंकली काडचो आवाज आयकालो जन्नाक. तो खंय थावन येता तें समजोंक ताणे भंवतोणी दीषट घुंवडाली. सार्के कान दिताना आवाज गाड्ये थावन येता तें ताका कळीत जालें. मुकल्यान उमकाळायिल्लो गोणियेचो पर्दो ताणे वयर उकल्लो आनी भितर दीषट घाली. चेडूं नीदल्ल्या थंयच लोळतालें आनी खोंक्तालें. पडदो उकल्ताना भायलो उज्वाड भितर सरल्लोच चेडवान तकली उकल्ली. जन्नाचें अपरिचीत तोंड पळेवन एकाच घड्येन तें उटोन बसलें. आपूण आपल्या घरांत ना तें ताका कळ्ळें जायजाय. तक्षण उटोन उभें रावोंक ताणे प्रयतन केलें. पूण वयलें पाकें तकलेक आदाळताना चेडूं अनिकी चड घडबडलें.

"कोण तूं?" जन्नाक पळयित्त विचारलें चेडवान, भिंयान ताची कूड कांपोंक सुरू जाली.

"भिंयेनाका चेडवा" म्हळें जन्नान. "नीद जालिमू?, ये सकयल देंव" म्हण ताणे आपलो हात मुकार वोड्डायलो. बोयलाक पळेताच चेडवाक आपूण गाड्येरच आसां म्हळ्ळें कळ्ळें. पूण उज्वाडांत दिसचो तो बोंगल्याचो दार्वाटो पळेवन आपूण खंय पावल्यां तें ताका सुसताना जालें. मुकल्यान लायटाचो उज्वाड आनी ताच्या पाटल्यान तो गाढ काळोक. दांत दाकवन हात मुकार वोड्डांवचो ओळक नातल्लो मनीस... ताणे भिंयान बोब मारली. "आय्यो, हांव खंय पावल्यां!... म्हाका बचाव करा!! ..." बोबो मारित्त चेडूं पाटीं पाटीं सरलें आनी पाटलो गोण्येचो पडदो उकलन सकयल उडलें.

चेडवाचे बोबेक लतीफ बसल्ल्याकडचो उटोन उभो रावलो. मुकलें द्रश्य आतां ताका सार्के दिसतालें. गाड्येच्या मुकल्यान आसल्लो जन्ना चेडूं सकयल ऊडल्लेंच पाटल्या कुशीन धांवलो. पूण चेडूं बोब मारित्त आंगणांतल्या उज्वाडाक धांवोन आयलें. पाटल्यान येंवच्या जन्नाच्या हातांक ताचो पालंव शिर्कालो आनी ताणे तो एकाच्चाणे वोडन धरलो. चेडवान भिंयान पर्त्यान बोबाट मारली. तितल्यार भितर आसल्लो बोटलेर भायर धांवोन आयलो आनी मुकार धांवचे तें चेडूं ताच्या हातांनी शिर्कालें.

"धांवता तें, सोडिनाका ताका..." म्हणालो जन्ना पालंव आनिकी वोडन धर्न. बोटलेराच्या तोंडाक चेडवान भोकोरलें तरयी ताका ताणे सोडलेंना.

लतीफाक आतां कितें कर्चें तें कळ्ळें ना. आपणे थंयसर आयिल्लो उद्धेश तो विस्राल्लो. दोन मेटां मुकार आयलो तो. पूण तक्षण रावलो. त्या घड्यो फुडें वचों वा नाका तें ताच्ये मतीक आयलेंना. कोयतो ताच्या हातांत आसल्लो तरयी राक्सा कासताचे दोग जण ताचे मुकार आसल्ले. त्या शिवाय चेडवाच्या बोबेक भोंवतणिच्या पेट्यांनी एदोळच घोंकुंक सुरू केल्लें.

शांत आसल्ले हळ्ळेंत आतां गलाटो भर्साल्लो. 'ह्या आवाजाक लागसिले कोणी उटोन येंवकी पुरो' चिंतलें लतीफान. थोडो वेळ तो मुकलें द्रश्य पळयित्त राकोन रावलो. रातचा वेळार त्या बोंगल्या थावन असल्यो बोबो ते हळ्ळेक सदांचें जाल्लें आसतेलें... कोणी कुमकेक येंवचो हिशारो ताका दिसलोना. कापड आपल्या हर्ध्याक दांबून धरून बोबो मारित्त तें अबल चेडूं दोगां दुस्मानांलागीं झुजतालें.

फातिमाचो उडास आयलो लतीफाक..

आतां मुखार आसचें चेडूं फातिमा बरिंच दिसलें. रागान ताणे धाडामां आडचिलीं. उपरांत ताणे वेळ काडलोना. बाग्वोन बाग्वोन काळोकांतल्यान तो गाड्येच्या कुशीक धांवलो आनी गाड्ये पाटल्यान रावलो. पाटल्यान उमकाळची गोणी ताणे बळान वोडली आनी मात्या थावन खाडके सकयल्यान रेवडावन बांदली. लतीफाक पाट कर्न आसचो जन्ना पालंव वोडन घेवन्ंच चेडवाच्या लागीं सर्तालो. भिंयान कांगाल जाल्लें चेडूं ताळो पिंजून बोबाटतालें. लतीफान घळाय केलिना. कोयतो ताणे घुंवडावन धरलो. आतां कोयतेची धार ताच्या मुटिंत आसल्ली. एकाच्चाणे तो मुकार उडलो आनी कोयतेच्या मुटीन पाट कर्न आसल्ल्या जन्नाचे तकलेक ताणे बळान धाडायलें. त्या माराक जन्नाची तकली फुटोन रगत भायर उसाळ्ळें.

पालंव सोडून जन्ना धर्णीक गळताना बोटलेराच्या हातांतलें सुटोन चेडूं पयस धांवलें. त्याच घड्ये लतीफ बोटलेराच्या आंगार उडलो. चिंतिनातलेपरीं इतलें सर्व जाल्लें. लतीफाच्या जडायेक बोटलेर उदारोच पाटीं पर्ताताना लतीफय ताच्या आंगार पडलो आनी खिणा भितर कोयतेच्या मुटिचो दुस्रो

मार बोटलेराच्या कपालार बसलो. कपाल फुटलें गलाटो बंध जालो. पर्तून आदलीच शांतता थंयसर आयली.

चेडूं पयस रावोन कांप्तालें.

लतीफ दर्वड्यान उटोन उभो रावलो आनी चेडवाक पळेवन ताणे म्हळें "या–या वेळ काडिनाका, हांव तुका सुरक्षीत जाग्याक आपवन वर्ता."

चेडवाक कितें कर्चें तें समजालेंना आसतेलें. हुसकारोन हुसकारोन रडलें तें.

"घळाय करिनाका बाये, हांव तुजो बापय म्हण चींत, आनी म्हज्ये संगी भायर सर. हांगासर आनी एक मिनूट रावल्यार पर्त्यान आपाय घडचो संभव आसा". म्हणात्त लतीफान हातांतलो कोयतो घुंवडावन सार्को केलो आनी तवळ आपल्या हाताच्या ताळवे थावन रगत देंवता तें ताणे पळयलें. मार्ताना कोयत्याची धार ताणे मुटिंत धरल्ली जाल्ल्यान हाताचें ताळूं मधेंच लांबायेक चिरोन रगत व्हाळतालें. एदोळ नातल्ली दूक ताका आतां कळ्ळी.

"तुज्या हाताक मार जाला ..." उदगारित्त पयल्या पावटीं उलयलें चेडूं आनी ताचेलागीं आयलें तें.

"व्हय" म्हणालो लतीफ, "तांकां मार्ताना हावें कोयतो उल्टो धरल्लो, न्हय तर एदोळ दोगांयचीं मोडीं पडतीं आसल्लीं. ये, भायर सर. ताणी सनीन जांवच्या पयलें आमीं ह्या जाग्या थावन भायर वचाजाय". इतलें म्हणोन चेडवाच्या हाताक धर्न वोडित्त तो काळोकांत मुकार धांवलो. मुकल्या रसत्यार पावल्लेंच एक घडी रावलो तो. कसलोगी आवाज तांकां आयकालो.

व्हय... पयस थावन येंवचा काराचो आवाज तो. आतां खंची वाट धर्ची तें लतीफाक कळ्ळेंना. चिंतून रावोंक वेळ नातल्लो. तितल्यार रसत्याच्या पोंतार एका फरलांगा पयस थावन येंवचा काराच्या लायटाचो उज्वाड रसत्यार फांकलो. त्याच फरा चेडवाक घेवन लतीफ आड घुंवलो. रसत्याचे देगेन चिक्के मुकार व्हड बोलें आसल्लें. आनी दोगांय धांवोन वचोन ताच्या आडोसाक लिपलीं. आयिल्लें कार शेािच्या हितला भितर रिगलें आनी आंगणांत ब्रेक घालन रावलें.

लतीफ आनी ती चली उस्वास धांबून धर्न म्हळ्ळेबरी बोल्या आडोसाक बसल्लीं. काराच्या लायटाचो उज्वाड पालवाल्लोच बागील काडल्लो आनी

भरान घाल्लो आवाज तांकां आयकालो. ह्या वेळार घरा थावन आपणें थंयसर आयिल्लो उद्धेश लतीफाच्या उडासाक आयलो आनी थोड्या वेळाक नातल्लो तो फारिकपणाचो हुलोप आतां पर्तून ताच्या आंगांत चरलो. शे चो बोंगलो आतां चिक्के पयस आसल्लो जाल्ल्यान थंयसर कोणगी उलयतात तो आवाज मात्र आयकातालो शिवाय कितें उलयतात तें समजानातल्लें. 'सगळी तयारी करून आयिल्लो शे ी आतां चेडूं ना तें पळेवन पुर्तो निराशी जातोलो' चिंतलें लतीफान मनांतच. चिंता चिंताना एका थराचें समाधान ताचे थंय आयलें. फातिमा तसल्याच एका अबल चल्येक आपणें आन्वारांतलें राकोन व्हेलां म्हळ्ळें समाधान तें, शे चेर फारिकपण घेतल्ल्या तितलोच संतोस ताका आतां भोगलो.

"आनी आमीं हांगासर रांवचें बरें न्हय" म्हणालो तो. थोड्या वेळान व्हळू पुस्पुसोन, "तुका लागोन ह्या सुत्तुरांत ते सोदनां कर्तेले".

"तर...", चेडूं पर्तून भिंयेलें. "हावें आतां कितें करिजाय म्हणताय?" कांपेरया ताळ्यान विचारलें ताणे.

"म्हजें घर चड पयस ना" म्हणालो लतीफ.

"पयस आसल्यारी पर्वाना, उपकार कर्न ह्या जाग्या थावन म्हाका तुज्या घरा व्हर, म्हाका तांची भिरांत दिसता", बसल्ल्या थंयच चेडवान लतीफाच्या भुजाक धरलें.

"म्हजो जीव आसता परयांत तुवें भिंयेंवची गर्ज ना", म्हळें लतीफान चेडवाक धयर दीवन. "ह्या फुडें ते आमच्या तळ्ळेक येतीत जाल्यार कोयत्याची मूट न्हय बगार धारच हांव वापुर्तोलों, ऊट चल्यां आमीं" लतीफ बसल्ल्या थंयचो उटोन रावताना ताच्या बावळ्यांक धर्न आसल्लें चेडुंय नीट जालें.

काळोक दाट जावन येतालो. आमासेक थोडेच दीस ऊरल्ले. आपूण आसां वा ना तशें धाकटुलो चंद्रेम मोळबार आपालिपा खेळतालो. काळोकांत तरयी रसत्यावयल्यान चलोन वेचें आपायाचें जावनासल्लें. कित्याक म्हळ्यार शे ी कार घेवन सोधून येत तर सुलभायेन ताच्या घासाक सांपडचो संभव आसल्लो. देकून भितरल्या वाटेन राना मधल्यान घरा वेची आलोचन

लतीफान केली. आनी चेडवाक घेवन तो काळोकांत वोडन वरित्त मुकार गेलो.

दोळ्यांत बोटां घाल्यारी त्या दाट रूक–झडां मधें वाट दिसानातली. आवाजाविणे धा मिनुटांची वाट चन्नायेन चल्तच तीं एका उग्ताड जाग्याक पावलीं. मुकार काफयेचें तोट आसल्लें. कोंक्रिटिचे कुंदे पुरून तोटा भंवतणी कांट्यांच्या सरियांनी वोय घाल्ली आसल्ली तरयी लतीफान एका कुंद्यालागीं एका मनशान बाग्वोन पाशार जाव्येत तितली वाट आसल्ली तें सोधून काडन चेडवाक तोटा भितर रिगोंक हिशारो केलो.

"भिंयेंवची गर्ज ना हें म्हज्या धनियाचें तोट. हांव ह्याच तोटांत घोळतां" म्हळें ताणे एका हातांत एक सरी रुंदावन वोडन धरित्त चेडूं भितर सर्तच तोय बागोन भितर आयलो आनी उपरांत दोगांयनी समाधानेचो सुसकार सोडलो. उपरांतली वाट कषटांची न्हय आसल्ली जाल्ल्यान लतीफ मुकल्यान आनी तें पाटल्यान आशें दोगांय मेटां काडिलागलीं.

"तुजें नांव कितें?" लतीफान विचारलें चल्तां चल्ताना.

"लक्ष्मी" म्हणालें तें भितरल्या ताळ्यान.

"म्हज्या घरांती तुजेच प्रायेचें म्हजें फातिमा आसा, म्हज्या भावाची धूव तें".

"हो..." उदगारलें लक्ष्मी एक घडी थंयच स्तब्द जावन, "तर तुमीं...?" दुबावान ताणे विचारलें.

"व्हय, आमीं मुसलीम" म्हणालो लतीफ. "पूण त्या शेंबिरीं आमीं न्हय. म्हजें फातिमा बरें भुर्गें जावनासल्लें..." हांगासर ताचो ताळो कांपलो. फातिमाचो उडास काडतां ते रातीं आपणें ताका धमकिल्ल्याचो आनी कषटिल्ल्याचो उडास आयलो जायजाय. "या, मुकार चल्यां" म्हणात्त ताणे वाट मुंदर्सिली. "फातिमाक पळेतच तुकाच कळतेलें... पाप भुर्गें तें. ताचो बापूय सरला आनी ताचे आवयन ताका सांडलां. देकून हांव ताका म्हज्ये धुवेबरीं पळेतालों..."

"म्हजीय स्थिती तसलीच..." म्हणाले लक्ष्मी फुडें मेटां काडित्त. "म्हजी आवय सरल्या आनी म्हज्या बापयचो पात्तो ना देकून हांव म्हज्या मावळ्याच्या घरा जियेतां. पूण म्हजो मावळो तुजेबरीं न्हय, एकदम नीच

मनीस तो..." इतलें म्हणोन चेडूं वोगें जालें. लतीफय उलयलो ना. ताचे मतिंत फातिमाचो उडासच भरल्लो. घरा थावन भायर सर्ताना आपणें पळयिल्लें ताचें रडकुरें तोंड ताच्या मती पडद्यार खेळतालें. कितल्या भिर्मतेन तें आपणाची वाट राक्ता कोण्णा म्हण तो आंदाज कर्तालो.

तांच्या दोनी कुशिंनी झडां वाडोन रावल्लीं. लतीफा पाटापाट मेटां काडचें लक्ष्मी थोड्या वेळान उलयलें. "खंची हळ्ळी ही? कोणाचें तोट?"

"चिन्नहळ्ळी" म्हळें लतीफान "कोणेगी पुनेवंतान हाका तें नांव दिलां. 'रणहळ्ळी' म्हळ्ळें तर अनिकी चड सोभतें, हांगासर घडतात कर्तुबांय तसलिंच."

चेडवान लांब स्वास सोडलो. "आज थंयसर तूं नातल्लोय तर इतल्या भितर म्हजी गत कसली जाती कोण्णा", म्हणालें तें सुसकारोन.

"गत म्हज्या फातिमाची जाल्ली तशीच तुजीय जाती" इतलें म्हणोन लतीफ आवाज करित्त हासलो. त्या हास्याक त्या संदर्भार कसलोय आर्थ नातल्लो तरयी एकाथराचें निरासपण तांतू झळकातालें.

"फातिमाक कितें जाल्लें?" लक्ष्मीन विचारलें.

"तें तुका घरा कळतेलें" म्हळें ताणे. "त्याच कारणाक लागोन हांव त्या बोंगल्याकडेन पावल्लों, पूण थंयसर घडलें दुस्रेंच."

"हांव कशीं थंयसर येवन पावलीं तें म्हाका समजाना" म्हणालें लक्ष्मी. "हांतू म्हज्या मावळ्याचो कसलोगी खेळ आसा. हांव ताचे सांगाता बाळ्ळुचे सांतेक आयिल्लीं..."

"हांव जाणा ती संगत. त्या बोंगल्याच्या शे ीन तुज्या मावळ्याक रीण दीवन, तें रीण वसूल करुंक ताणे तुका ओप्सिलें. तुजी पिडा निवरावंक तुज्या मावळ्यान तुका निदेचें ओकात दिलें. तशें तूं हांगासर येवन पावलेंय"

लक्ष्मी आपलो उडास आटयित्त चिंतुंक पडल्लें. लतीफ उलयित्त वेतालो. "म्हज्ये तसल्या गरीबान पर्वता तेद्या प्रयत्नांनीं आपली सास्वा तितली मऱ्याद सांबाळुंक पळंवचें तें व्यर्थ. पयशांच्या बळान त्या शे ी तसले घड्येन ती फुंकून उडयतात".

चेडवाक तें समजालें वा ना तें तो नेणा जालो. पूण तें मधें उलयलेंना.

"ताका पळेताना म्हज्या फातिमाची कसलीच चूक ना तें म्हाका समजाता. आतां तुका पळेवन आनी त्या नालिसाये थावन हावें तुका बचाव केलां तें आयकोन ताका वर्तो संतोस भोग्तोलो", म्हणालो आपलो घायेल्लो हात पोशेवन. आज ताका हावें मुसतू मारलां, देकुन्ंच देवान म्हाका ही शिक्षा दिली. पाप भुर्गें म्हजें फातिमा". फातिमाचो उडास काडतां काडतां लतीफांची मेटां चुरूक जातालीं. जाता तितले वेगीं घरा पावोंक तो आत्रेग्तालो. थोडी वाट चल्तच तांकां  एक व्हडलें घर दिषटीक पडलें.

"म्हज्या धन्याचो बोंगलो ... आवाज करिनाका" म्हळें लतीफान. आतां आपली चाल सवकास करित्त दोगांय ओळू मेटां काडन चलालागलीं. तितल्यार दोग बळाधीक पेटे धांवोन आयले. पूण लतीफाची ओळक कळतच ताणी शिमटी हालयली. तांचें मातें पोशेवन लतीफ लक्ष्मी सांगाता गेट उगडून मुकल्या रसत्याक पावलो. शे्च्या बोंगल्या थावन नीट रसत्यान धा मिनुटांची वाट ती तरयी भितरले वाटेन आयिल्ल्या हांकां थंय पावोंक लागीं लागीं अर्धो घंटो लागल्लो.

सरारां रसतो उतर्न तीं सकयल बयलाक देंवलीं. आतां पयस पयस आसचीं ल्हान ल्हान कोलवाचीं घरां काळोकांत ल्हान गुडे तसें दिसतालीं. पूण एका घर्चा सोप्याथावन मात्र एका ल्हानश्या दिव्याचो प्रकास मंद फांकल्लो. "फातिमा आमकां राक्ता आसतेलें", उपरांत तीं तुर्तान घरालागीं पावलीं.

दिवो भायल्या मेटां वयर आसल्लो. पूण फातिमा भायर दिसानातल्लें. भितर निदलां कोण्णा म्हण चिंतून लतीफान दिवो हातीं घेवन लक्ष्मीक भितरल्या बांकार बसोंक लायलें आनी 'फातिमा' म्हणोन बागलालागीं रावोन हळू उलो दिलो. जाप आयलिना. चिक्के व्हडा ताळ्यान पर्त्यान ताणे आपयलें तरयी भितर थावन कसलोय आवाज आयलो ना. बरया निदेंत आसा आसतेलें म्हण लेकून आपल्या मार जाल्ल्या हाताच्या कोंपरान बागलार ताणे हळू धाडायलें. भितरल्यान खीळ घाल्या आसतेली म्हण लेकल्ल्या ताका बागील उग्तें जाल्लें पळेवन अजाप जालें. सांते दिसानीं घरा येताना वेळ जालो तर खीळ घालिनासतां निदची सवय फातिमाक नातल्ली. आतां कितेंगी एका थराचें भ्यें लतीफाच्ये कुडिंत उबजालें. भितर काळोक मांडल्लो. पर्तून ताणे

'फातिमा' म्हण उलो दिलो. पूण ताचो ताळो गदगदलो. कसलोगी दुबाव ताच्या शिरां-शिरांनी धांवलो. 'फातिमा....' म्हण व्हडल्यान आपयित्त दिवो उकलन धरून भितर सरल्लो तो मुखलें द्रश्य पळेवन स्तब्द जालो. फातिमा ताचे मुकारच आसल्लें. ताचे दोळे लतीफाकच पळेताले. लतीफान व्हडल्यान बोबाट मारली. त्ये बोबेक धांवोन आयिल्लें लक्ष्मी ताचे सर्शी पावताना लतीफाच्या हातांतलो दिवो सकला पडोन फुटलो आनी परत भिरांकूळ काळोक थंयसर भरलो.

***

मंगळाराचो दीस तो. तोंड बी धुवन जाताच बोटलेरान दिल्ली साकाळिंची काफी पियेवन हांव आस्र्या मुकार केस उगयतालों. मंगळुराची तोटाक येताना सदांची सुडसुडाय आळां थंय आसाना. मुकल्या सांतेचो दीस परत एका हप्त्याक पाटीं आसा जाल्ल्यान आज तांच्या जिवांत हुमेद ना आनी तोंडार हुरूप ना. ती सुडसुडाय तांचे थंय परत येजाय तर पर्तून आडवान्साचो दीस उदेजाय.

आशें आज सात वोरांचेर तांकां उलो दिंवची घांट बोटलेरान एदोळच मारल्ली जाल्यारय काफयेच्या खणांत कोणाचोच आवाज नातल्ल्यान हावें सवकास केस उगवन दांतोणी जाग्यार दवर्तच कुडाचें जनेल उघडन भायर दीषट घाली. लतीफ एकलो मात्र एकापोंतार बसोन आसल्लो तो दिसलो. ऊरल्ले आळ पयशिल्यान जायगी नाका तशें बोंगल्या कुशीक येतेच आसल्ले. जनेल धांपून हांव कुडा थावन भायर आयलों आनी खणाक देंवलों.

म्हाका पळेल्लेंच लतीफ उटलो आनी नीट जालो. कितेंगी सदांचे लक्षण आज ताच्या तोंडार म्हाका झळकालेंना. हातांत ताच्या कोयतो आसल्लो तरयी आंगार मात्र सदां कामाक घाल्ची मुसतायकी नातल्ली.

"रजा विचारूंक आयलायगी कितें?" म्हळें हावें ताचो धवो मुंडू आनी खमीस पळयित्त.

"ना अय्या, मुसतायकी म्हेळ्ळ्या देकून उंबळात घाल्या" म्हणालो तो. ताचे दोनी दोळे तांबड्या टोमेटो सार्के दिसताले. नीद खळल्ल्या परीं तोंड चिवळोन गेल्लें पळेवन लतीफाक हावें विचारलें.

"कितें एक थरशें दिसताय? हुशार पुणी नांयगी तूं?"

"तसें कांय विशेष ना" म्हणालो तो आपलो उज्वो हात म्हज्या मुकार हाडून, हाताचे ताळवेक धोव्या लुगटान ब्यांडेज केल्लें दिसतालें. "काल रातीं कोयती लागली उपरांत नीद पडलिना."

"पोयर कात्रून सोर्मुणाक घाल्ल्यो राशी आज हुल्पावंक आसातमू?" म्हळें हावें ताचो घायेल्लो हात धरून. लतीफा थंय हांव केदाळाय सुढाळ आसतालों. ताच्या आंगार बारीक ताप पेटता तें ताचो हात धर्ताना म्हाका कळोन आयलें. "तुज्यान जांवचेंना लतीफ, तुजे कुडीर ताप आसा" म्हळें हावें.

"ताप आनी मात्ती..." तकली फापुडली ताणे. "ताप म्हण घरा रावल्यार फातिमाचें काजार जातेलें कशें?" आशें म्हणोन तो हासताना कितेंगी ताच्या उलोण्यांत स्वाभाविकता म्हाका दिसलिना. दुबावान हावें ताच्या तोंडाक पळेलें. कसल्याचोगी वास नाकाक आदाळतालो.

"कसली घाण येता?" म्हळें हावें वारयार हुंकोन. हावें धरल्लो हात वोडून पयस रावलो तो आनी "काल रातीं हांव सोरो पियेल्लों अय्या" म्हणालो तो तकली बागावन.

"सोरो पियेल्लोय?" लतीफाच्या तोंडांतल्यान हें आयकोन म्हाका विचित्र दिसलें.

"व्हय दूक कठीण आसल्ली, सोसुंक जालेंना, म्हाका माफ कर आय्या... म्हज्ये चूकीक संसारांत हावें भोगसाणे मागचें तुज्या एकल्यालागीं मात्र, तुवें म्हाका भोगसिजाय ..." ताचो ताळो तगसालो. म्हाका ताची भिर्मत दिसली.

"व्हड ना लतीफ दूकी खातीर तूं पियेल्लोय न्हयवे? खंत करिनाका आनी मुकार आपडलेंना तर जालें".

"म्हाका तुवें खंडीत जावन भोगसिजाय अय्या. काल म्हज्ये निमतीं कितें सर्व घडोन गेलां. ह्याच हातान काल हावें फातिमाक मारल्लें देकून अल्लान म्हाका ही शिक्षा दिली".

"फातिमाक मारलेंय?" अजापान विचारलें हावें.

"व्हय ताणे चूक केल्या म्हण चिंतून राग आयिल्लो. पूण तें नेंटें, चूक ताची न्हय बगार म्हजीच म्हण म्हाका उपरांत कळ्ळें. म्हाका तुवें माफ करिजाय..." इतलें सांगोन तो रडलोच.

तो कितें सांग्ता तें कळानासतां हांव घुस्पडलों. ऊरल्ले आळ खणालागीं पावल्ले.

"लतीफ आज तुजी भलायकी बरी ना, देकून तूं घरा वच आनी फातिमा कर्ना बरो कसाय करवन पिये आनी स्वस्थ नीद काड" म्हळें हावें ताका पाट कर्न मुकार मेटां काडून.

"फातिमा घरा ना अय्या..." ओळू म्हणालो तो भितरल्या ताळ्यान. हांव परत पाटीं घुंवलों.

"कितें?.. खंय गेलां तें?" विचारलें हावें दर्वड्यान. थोडो वेळ पऱ्यांत म्हज्या तोंडाक पळयित्त रावलो तो. उपरांत दोळ्यांतलीं दुखां पुसून कुशीक पळेवन तो उलयलो.

"हावें ताका आजच ताच्या आवयलागीं धाडलां. ताचें काजार हांव वेगिंच करून तिर्सितां अय्या.. देकून आवयकडेन सांगोन येंवदी म्हण म्हाका भोगलें. अय्या कसलीय चूक म्हज्ये निमतीं घडात तर तुवें म्हाका भोगसिजाय अय्या जायतमू?"

तो कितें उलयता तें म्हाका बिल्कूल समजालेंना. कितें उलंवचे म्हण चिंतून आसतानांच आळ सगळे खणांत जम्ले देकून निमाणे हावें ताका म्हळें. " कितें जाल्यारी तूं भलायकेंत नांय लतीफ, तुवें घरांत बसोन सुशेग घेंवचोच बरें तसें म्हाका दिसता. राशी उल्पांवचें भराचें काम तुज्यान आज जांवचेंना."

"ना–ना" म्हणालो तो खडाखड ताळ्यान "त्यो हुल्पावंक आसात म्हळ्ळ्या खातीरच हांव तांकां ना तरयी आज कामाक आयलां."

उपरांत चडीत उलयनासतां हावें म्हज्या आफिसाच्या कुशीक मेटां काडलीं. बूक घेवन आळांची हाज़्री काडतच आयचा कामाचें विवरण तांकां दिलें. स्त्रीयांक बोंगल्यांतच काफियेचें काम आसल्लें. देकून तीं सर्वां विंगड सरोन तांच्या ठिकाण्याक गेलीं. ऊरल्ले दादले आळ आफिसा थावन ता'तांच्यो कामाच्यो साहेती घेवन भायर आयले. पाटल्या थोड्या दिसां थावन

शेटिकडेन आमीं मोलाक घेतल्ल्या नव्या जाग्यार काम चल्तालें. ती रान्हा सुवात कात्रून बेंडून जाल्ली तरयी कामाक उपकार्चें रुकाड मात्र बोंगल्याक सागसून, ऊरल्ले फांटे, कुत्यो आनी राशिंनी वाडोन आसल्ले वाशे, लेंकीरयो थंयसरच कात्रून घालन राशी मांडून सोर्मुणाक घाल्ल्यो. तांकां उजो दीवन हुल्पावन गोबोर कर्चें काम आजीक बाकी दवरल्लें. लागसिल्या तोटांक उज्याचीं किटां उसळनाशीं चत्राय सांबाळुंक लतीफाक हावें ताकीद दिल्ली आनी हांव म्हज्या कामान आफिसा भितर आयलों. लतीफय म्हज्या पाटापाट बागला पऱ्यांत आयिल्लो तें पळेवन हावें विचारलें–

"कितें लतीफ?"

"तुवें म्हाका जाप दिलिनांय आय्या" म्हणालो तो हळू ताळ्यान "म्हाका भोगसितां म्हण तुवें एदोळी सांगोंक्नांय!."

गंभीर व्यक्तित्वाचो म्हण एदोळ हावें लेखल्ल्या लतीफा विशीं आतां म्हाका निजायकी बेजाराय उबजाली. आर्थ नातल्ल्या उलवण्यांनी तो भुर्ग्या भासेन सळ कर्ता तें पळेवन हावें रागानशें म्हळें.

"जायत, आतां तूं कामाक वच, दोनपरां काम जातच म्हाका मेळ आनी तुज्या खिंचे चूकीक हावें तुका भोगसिताय तें विवरून सांग" आनी हांव म्हज्या कदेलार बसलों. थोडो वेळ म्हाकाच पळयित्त रावलो तो. उपरांत हेरां आळां संगीं तो वयल्या तोटाक भायर सरोन गेलो. ताचे थंय कितें तरयी विशेष घडलां तें म्हाका सुसतालें. त्ये विशीं दोनपरां ताचे थावन्ंच समजोन घेजाय, आशें चिंतून हांव म्हज्या कामाक लागलों.

सुमार दोन वोरांचो वेळ उतर्ताच नोव वोरारशें वयल्या तोटाक गेल्लो एकलो आळ पाटीं आयलो आनी "सोर्मुणाक घाल्ल्यो थोड्यो राशी हुल्पायताना नव्या जाग्याचे गडीर गुर्ताक पूरल्ले रुकाडाचे थोडे खुंटेय हुल्पोन गेले. त्या देकून रामाण्ण शेटीक घेवन हावें थंयसर येवन नव्या जाग्याची गड दाकवन दिजाय म्हणोन लतीफान आपणालागीं सांगोन धाडलां" म्हणालो.

हावें शेटीक एक चीट बरयली आनी तिक्के बोंगल्याक येवन वचोंक त्ये चिटीर विनंती कर्न ती चीट त्याच आळाकर्ना शेटिच्या बोंगल्याक धाडली.

धा वोरार पेंटेक वेच्या बोटलेराकडेन तप्पलाक घाल्चीं थोडीं कागदां दीवंक आसल्लीं जाल्ल्यान हांव त्याच कामान दरवडान आसताना मुकल्या गेटिंतल्यान कोण एक चेडूं पाद्देवनशें भितर सर्ता तें हावें पळेलें. म्हाका पळेवन तें सरारां मुकार आयलें. ताची प्राय कांय पंद्रा–सोळा वर्सां जातीत. कातीन सावळें तरयी कुडीन बरये भलायकेंत तें आसा म्हळ्ळें ताका पळेताना कळतालें.

"कोणाक मेळोंक आयलांय?" विचारलें तें ओफिसालागीं पावताना.

पाटीं मुकार पळेत्त तें बागला भायरच रावलें आनी "फातिमाचो बापूय ह्याच तोटांत काम कर्तामू?" विचारलें ताणे म्हाका पळेवन.

"व्हय" म्हळें हावें "ताका मेळोंक आयिल्लेंयगी? तो तोटांत कामार आसा".

"ना, म्हाका तुजेकडेन गर्जेचें थोडें उलवंक आसल्लें." कसलिंगी थोडी गुस्पाडी खुणां ताच्या तोंडार दिसतालीं. हांव आजापलों. ह्या चिन्नहळ्ळिंत खंयसरय ताका एदोळ पळयिल्लो उडास म्हाका आयलोना.

"चिन्नहळ्ळिंत कोणाच्या घरा असाय तूं?" म्हळें हावें दुबावान.

"म्हजें नांव लक्ष्मी. हांव बाळुपेटेंत रावतां" म्हणालें तें परत पाटीं पळेवन.

"तर थोडो वेळ त्या आंगणांत राव. थोडे काम आसा तें तिर्सून आत्तां येतां" म्हळें हावें. बोटलेरान पेंटेक वेचो वेळ जाल्लो जाल्ल्यान हांव कागदां बरंवच्या कामार पडलों. लक्ष्मी पाट करून मुकार गेलें आनी खणाच्या दांड्यार मुकल्या रसत्याक पळयित्त बसलें.

धा मिनुटां भितर म्हजें ऊरल्लें काम हावें संपयलें आनी बंध केल्ली कवरां बोटलेराक आपवन ताच्या हातांत दिलीं आनी हांव कुडा थावन भायर आयलों.

एदोळ पऱ्यांत म्हजें गुमान म्हजा कामाचेरच आसल्लें जाल्ल्यान लक्ष्मी भायल्या खणाच्या दांड्यार बसताना हावें ताका पळेल्लें तरयी, उपरांत ते कुसीन गुमान करुंक नातलें. आतां भंवतीं पळेताना खणांत खंयसरी तें म्हाका दिसलेंना. चेडूं खंय गेलेंगाय म्हण चिंतून हांव बोंगल्याच्या पाटले कुशी पऱ्यांत वचोन आयलों, चेडवाचो पात्तो नातल्लो. तवळ शे ीक चीट वरून गेल्लो आळ शे ी आनी जन्ना संगीं रसत्या थावन गेटी भितर सर्तात

तें पळेवन हावें ओफिसाच्या बागलाक खीळ वोडली आनी तांकां  राकोन रावलों. खणा थावन मुकलो रसतो पोंत पऱ्यांत दिसतालो. गर्जेचें उलवंक आयिल्लें चेडूं खंय मायाग जालेंगाय म्हळ्ळे चिंतून आसतां शे ी आनी जन्ना म्हज्ये  मुकार येवन पावले. जन्नाचे तकलेक ब्यांडेज बांदल्ली. शे ीक हावें सलाम मारलो आनी हें कितें जालां? म्हळ्ळेबरीं हात भासेन विचारलें हावें ताचेलागीं जन्नाच्या तकलेक बोट जोकून.

"काल रातीं हाका आनी म्हज्या बोटलेराक झगडें जालें, हाचो मांडो भेतलो ताचें कपाल फुटलें" म्हणालो शे ी व्हडल्यान हासोन. जन्नान तकली पंदा घाली.

"सांतेक गेल्लो हांव पाटीं येताना ही गजाल घडल्या" मुंदरिलें शे ीन. "आतां तसें कांय विशेष ना, दोंगायकी हावें ओकात सारवन ब्यांडेज बांदली आनी पर्त्यान इल्लो वोतून दिलो. त्या उपरांत दोगी राजी जाले..." तो परत हासलो.

"हो–हो, तर सोरयाचें कार्भार हें" म्हळें हावें हासोनशें जन्नाच्या तोंडाक पळेवन. तो हासानातल्लो. ताची गंभिराय पळेवन हावें विषय बदलिलो आनी शे ी कडेन ताका आपवंक गर्ज विवरिली. ते दोगी बाळ्ळुपेटेक भायर सरल्ले जाल्ल्यान येंवचे वाटेरच म्हज्येलागीं आयिल्ले. त्या देकून तक्षणांच आमीं काम चल्च्या जाग्याक भायर सरल्यांव.

शे ि लागचो मोलाक घेतल्लो जागो तो बंगल्या थावन एका फरलांगा पयस आसल्लो. थंयसर पावताना हळताची एक सोर्मूण घाल्ली रास हुल्पाताली. लतीफान सांगोन धाडल्ल्या परिंच गडिच्या गुर्ताक पूरल्ले च्यार–पांच रुकाडाचे खुंटे हुल्पोन गोबोर जाल्ले आनी जाग्याची गड कितली ती कळानातल्ली. आमचें येणे जाताच लतीफ मुकार आयलो.

ताच्या हातांत लांब एक तेंकडी आसल्ली. राशी जळयताना उज्याच्या भराक रास मालवता वा आड पडता देकून पयशिल्यान तिका उज्या तोंडाक लोटून दवरुंक आळ आसली तेंकडी वा लेंक्री वापार्तात. रानांतले वाशे कातर्तानांच पोंतार खाब्या रुपार मेळाशें असल्यो तेंकड्यो ते कातर्न विंगड कर्तात. कित्याक म्हळ्यार तेंकडेच्या पोंतार आसच्या ह्या आट्व्या निमतीं राशीक लोटून दीवंक सार्कें जाता.

लतीफाच्या हातांत आसल्ल्या तेंकडेचेर म्हजी दीषट गेली. काराण त्या तेंकडेच्या खाब्यामधें चडतीक एक फांटो आसल्लो.

"हें कितें तुवें त्रिशूल हातीं घेतलांय?' म्हळें हावें हासोन, ताणेंय ताचेर दीषट घाली.

"काततर्तानांच ती ह्याच रुपार मेळ्ळी. मधलो फांटो कातरल्यार आट्व्याचें बोळ उणें जाता, देकून तसेंच सोडलें. आसोंदी, म्हज्या कामाक उपकार्ता तें" म्हणालो तो हासोन्ंच.

इतल्यार शे ीन आपल्या आनी आमकां वीकल्ल्या नव्या जाग्या मधें गड दाकवन गूर्त केलो आनी आळानीं थोडे व्हडले फातोर हाडन त्या गुर्तांचेर दवरले. थंयसरच पयसापयस दोन ब्रहत राशी आसल्ल्यो. भंवतिंच्या तोटांक किटां उसळचो संभव आसल्लो देकून त्यो एदोळ हुल्पावंक बाकी दवरल्यात म्हणालो लतीफ. आतां शे ी आसतानांच जळंवच्यो बरयो म्हणालो तो.

आमच्या गडी भायलो जागो ती राना सुवात तरयी शेिचोच तो जाल्ल्यान वेळार ताणे आसचेंच सार्के म्हण म्हाकायी भगलें. आनी हावें तशें सांगोन दाकयिल्ल्याक "जायत हांव रावतां", म्हण शे ीय ओपलो.

आतां ऊरल्ले आळ त्ये राशिलागीं आयले. लतीफान तांतल्या एके राशीक उजो लांवची तयारी केली. सुर्वेर भातेणाची एक पेंडी ताणे त्या ब्रहत राशिच्या मुळांत लांकडां मदेगात चिडकायली आनी काडी पेटवन ताका उजो दिलो. ऊरल्ले आळ हातीं तेंकडी घेवन राशी भोंवती वांटोन रावले. ह्या कामांत आळांचे हाल जातात. वारयाच्या भराक उज्याचें बोळ चडताना उबारायेर मांडून दवरल्ल्या वाश्या फांव्यांची रास उज्या संगी मालवात पुणी जाल्यार एकच हेरां राशीक उजो लाग्ता वा सर्शिल्या रूक झडां थावन भोंवतिंच्या तोटाक वा रानाक विसतार्चो संभव आसता. त्या देकून उज्याचे धगीक फूड कर्न रास मालवानाशी बळान ताणी ती लोटून धरिजाय पडता.

लतीफान भातेणाक उजो लायिल्लोच सुर्वेर हळतान पेटल्लो उजो उपरांत जोरान जळालागलो. ताचाच हिशारयाखाल हांव, शे ी आनी जन्ना चिक्के पाटीं सरोन रावल्यांव. वारें बरें आसल्लें जाल्ल्यान उजो घड्योन राशी भोंवतीं पासारलो. थोड्याच वेळान उज्याचो भर इतलो चडलोकी, ताचे दावेक पयस रावल्ल्या आमीं परत थोडीं मेटां पाटीं काडलीं. थोडे आळ धग सोसुंक

तांकां नासतां तेंकडी उडवन पाटीं धांवोन आयले. लतीफ आपल्या तेंकडेन मुर्मुर्च्या सोर्मुणाक उज्याक लोटून दितालो. थोड्या वेळा उपरांत तोय थंय थावन पाटीं सरोन आमच्ये कुसीन आयलो.

आतां उजो दिगंतार विसतारल्लो. ताचीं किटां वारयार उसळतालीं. जळच्या लांकडांच्या मुर्मूरयाक थंयसर व्हडलो एक गलाटोच चल्ता तसें भास जातालें. हांव आनी शे ी लागीं लागिंच उलयित्त रावोन उज्याचें धरबार पळेताना आमच्ये कुशीन आयिल्लो लतीफ आमच्ये बराबर रावलो. दावेक ताचें तोंड सगळें तांबडें जाल्लें. तो आपणायितल्याक कितेंगी उलयता तशें भोगलें म्हाका. ताच्या तोंडाक पळेताना. "कितें लतीफ?" म्हळें हावें ताका लागीं सरोन.

"म्हजें फातिमा..." म्हणालो तो.

"खंय आसा?" विचारलें हावें नवालान.

आतां तो व्हडल्यान हासलो. "अळे थंय आसा" म्हळें ताणे जळच्ये राशीक बोट जोकून.

"आज हांव ताचें काजार कर्ता" म्हळें ताणे.

ताचाच तोंडाक पळेवंक पडलों हांव ताणे सांगल्लें समजानासतां. आतां म्हाका सुसतालें. ताचें तोंड विद्रूप दिसतालें. कसलिगी कावजेणी म्हज्ये कुडिंत चरली... तीच घडी! एकाच्छाणे लतीफ उचांबळ जाल्ल्याबरी म्हाका दिसलो आनी कितें जालें म्हण हावें चिंतचा भितर म्हाका ताणे पाटीं लोटून घालो आनी म्हज्ये बगलेक रावल्ल्या शे ीक रभसान म्हळ्ळेबरी जळच्या राशिच्या दिक्काक ताणे मुकार लोटलो. चिंतिनातल्ल्या वेळार आधाराविणे मुकार उसाळल्लो शे ी पाटीं धांवोन येंवच्या भितर लतीफान आपल्या हातांत आसल्ली तेंकडी नीट केली आनी शे च्या पोटाक ती जोकून धरली. आकलासान धांवोन आयिल्लो शे ी तेंकडेच्या खाब्या मधें शिर्कलो आनी खाब्या मधें आसल्ली ती कुती ताच्या पोटांत रोंबली. ताणे आकलासान बोब मार्तानांच लतीफान ताका तेंकडेन्‌च लोटून मुकार वेलो आनी जळच्ये राशीक दांबून धरलो. एकाच घड्ये भितर इतलें सर्व घडोन गेल्लें.

लागसार आसल्ले आळ सर्व कितें जालें म्हळ्ळें चिंतुंक सकानासतां बोबाट मारिलागले. शे ीक दांबून धरल्ली तेंकडी लतीफान उज्व्या हातांत

घेतली आनी दाव्या हातान पेंकटार आसल्लो कोयतो काडन वारयार बिजायलागलो. एकल्याच एकल्या आळाक त्या धगीक मुखार वचोन ताका आडांवचे धयर पावलेंना. शेचिच्यो आकलासाच्यो बोबो आयकोंक जायनातल्ल्यो तसल्यो! हात-पांय बडवन तो त्या उज्यांत दडबडतालो तें दिसतालें.

किर्तें कर्चें तें म्हज्या मतीक गेलेंना. "लतीफ!" म्हण हावें व्हडल्यान बोबाट मारली. देंवचार आंगार आयिल्ल्या जिन्सार लतीफ वारयार कोयतो बिजावन आपणा सर्शीं येंवच्यांक भेषटायतालो. कंगाल जाल्लो जन्ना आपणाचो धनी मुकार मुकार मोर्नाचे तणीर दडबडता तरयी किर्तेंय करुंक सकानासतां आपणायितल्याक चडपडतालो. निमाणे ताणे एका आळालागची तेंकडी आपल्या हातीं घेतली आनी सर्व बळ एकटांय करून ताणे ती लतीफा कुसीन उबरायली. दोन तीन बळाचे मार लतीफाचे तकलेक आनी मुसकराक अपटाले, तरयी ताचें बळ उणें जालेंना. बदलाक जेन्नाच्या तेंकडेक नाटवानाशें तो आनिकी उज्वे कुसीक मुकार सरालागलो.

म्हजी कूड कांप्ताली. सगळे आळ कंगाल जाल्ले ते म्हज्या तोंडाक पळेताले. जन्नाचें प्रयतन निमाणें तरयी फळाधीक जालें. तेंकडेचो एक बळाचो मार लतीफाच्या तकलेर बसलो आनी त्या माराक ताच्या हातांतली तेंकडी निसर्न सकला पडली. पूण ह्या निमतीं किर्तेंय प्रयोजन जालेंना. शेचिचो प्राण येदोळच ऊबल्लो जायजाय. तेंकडे वयलें लतीफाचें बळ मोडतच, तेंकडें संगिंच तोय जळचे कुडी संगीं धर्णीर कोसाळ्ळो!.

म्हज्या दोळ्यां मुकार थोड्याच वेळा भितर घडल्लें हें भिरांकूळ घटन आतां तरयी चिंताना म्हज्या आंगाची लोंव उबी जाता. धर्णीर गळल्ल्या शेचिच्ये कुडिथावन कसलेंय चलन झळकानातल्लें जाल्ल्यान ताचो प्राण उबला तें खंडीत केलें हावें. बोंवतिंच्या आळांची हाक-बोब रावल्ली तरयी सर्वय कान दोळे सोडन ताकाच पळेताले. इतल्यारच ही खबर तोटा भायर पावल्ली आसतेली. बंगल्यांत कामाक आसल्ल्यो स्त्रीयो आनी कुसिच्या तोटानीं घोळचे हेर आळ जम्यांनी थंयसर येवन कुडसाल्ले.

तकलेक आपटाल्ल्या माराक हाता थावन सकला गळल्ली तेंकडी लतीफान बाग्वोन विंचली आनी लोका जम्याक फूड कर्न तो रावलो. ताचो भिरांकूळ

जिनोस पळेवन सगळो जमो भिंयान स्तब्द जाल्लो. थोडीं बायलां किंक्राटोन पाटीं धांवली. जळच्या केंडासार्के ताचे दोळे आतां एकाच मनशाचेर केंद्रीत जाल्ले. हातांत तेंकडी घेवन सर्वा प्रास मुकार आसल्लो जन्ना आपणाक लागीं सर्च्या लतीफाक पळेवन पुर्तो भिंयेलो आनी "धरा ताका" म्हण ताणे हेरा आळांक उलो दिलो. तरयी खुद्द ताचाच ताळ्यांत भर्साल्लो भियाचो आकलास आयकोन ऊरल्लो लोक बोबो मारित्त फासाळ्ळो आनी पाटीं धांवालागलो.

लतीफाच्या उज्व्या हातांत निटायेक धरल्ली तेंकडी आसल्ली आनी दाव्यांत कोयतो. ताचें भिरांकूळ रूप च्यार मेटां मुकार पावाजाय तर जन्नाचें धयर सगळें गळ्ळें आनी हातांतली तेंकडी सकला उडवन तोय लोका पाटल्यान धांवोंक लागलो. कितें चल्ता म्हळ्ळें समजानासतां हांव हें सर्व पळेवन रावल्लों, खांब्यापरीं. लोक सगळो म्हज्या पाटल्यान म्हाका उलो मारून बोबाटतालो. तरयी एक्की म्हज्या गिन्यानाक वचानातल्लें. आतां मुकार येंवच्या लतीफान म्हज्ये कुसीन दीषट घुंवडायली. ताच्या हातांतल्या तेंकडेचें पोंत जें अनिकी उज्यान जळतालें तें म्हाकाच जोकून म्हळ्ळेबरी आसल्लें. "लतीफ, राव थंय!" म्हळें हावें ताचे कुसीन हात दाकवन. तो रावलोना बगार ताचे दोळे आनिकी तीक्ष्ण जाले आनी तो म्हज्याच दिक्काक मुकार येवंक लागलो. म्हज्या आंगार शिर्शिरो चरलो. लोकाची बोब म्हाका आयकाताली. तरयी कितें करूं तें म्हज्या मतीक आयलेंना.

थोडीं मेटां मुकार पावल्लो लतीफ कंगाल जाल्ल्या म्हज्या तोंडाक पळयित्त थंयच उबो जालो. ताच्या हातांतल्या तेंकडेचें पोंत म्हज्या पांयामुळीं धर्णीर तेंकोन आसल्लें.

"लतीफ मुकार येनाका ..." म्हळें हावें बोबाटून. म्हज्या दोळ्यांक पळयित्त रावल्ल्या ताच्या तोंडाचो छारो आतां दूसऱ्या रुपाक बदल्लो. रागिषट खुणां मायाग जालीं आनी विकार हासो ताच्या तोंडार चरल्यो. हातांतली तेंकडी सकला घाली आनी परत दोन मेटां मुकार चरताना "लतीफ" म्हळें हावें भिंयान. परत तो रावलो. ताचें मुखामळ परत बदलालें आनी नम्रतेची छाया थंयसर मांडली. हातांतलो कोयतो ताणे म्हज्या मुकार उडयलो आनी पोसल्ल्या सुण्याबरी तो भुजां बागावन रावलो. भिंयान आनी रागान कांपच्या

हावें हात उबार्न एक तापाड ताच्या कान्सुलार बसयलें. हां–हूं करिनासतां करुणाभरीत दीषट ताणे म्हजेर घाली. "आय्या" म्हणालो तो आपल्या गालार हात दांबून "म्हाका तुवें भोगसितां म्हळ्ळेंय" म्हळें ताणे लोव ताळ्यान म्हज्या दोळ्यांक पळयित्त. दुस्रो मार उबारल्लो हात म्हजो थंयसरच रूक जालो आनी तेच घड्ये लतीफ हुसकारोन रडलो. म्हज्या काळजाच्यो शिरो बोटां घालून वोडल्ल्या जिन्सार भोगलें म्हाका. एदोळ आसल्लो राग आनी उद्वेग एकाच्छाणे कुडिंतलो वाळोन येता तशें भास जालें म्हाका.

रडतां रडतां उलयलो लतीफ, "हिंदू शासत्रा पर्माणे तांच्ये मोर्न काडिजाय आय्या. फातिमाच्या काजाराक म्हण हावें जमयिल्ले पयशे तुजेलागीं आसात..."

ताच्या उत्रांचो आर्थ म्हाका जालोंना. कितेंगी उलवंक हावें तोंड काडचे भितर तोच परत उलयलो.

"म्हज्ये तकलेंत कितेंगी जाता, हांव पिसो जालां आय्या. फातिमाचो हावें इतलो मोग करुंक न्हजो आसल्लो..."

तो किते उलयता तें हावें समजोन घेंवचे भितर एदोळ म्हज्या पाटल्यान आसल्लो लोका जमो आतां आमच्यें भंवरीं कुडसालो आनी घड्ये भितर जन्नाच्या मुखेल्पणाखाल ताणीं लतीफाक धरलो. मारांचो शिंवर लतीफाचेर पडतालो तरयी लतीफान सब्द काडलोना. हावें कितेंय सांगचे भितर ताणीं ताका बुरबुरित्त वोडन वेलो आनी लागसिल्या रुका बांदून घालो.

मुकार उजो जळतालो आनी शेचिची कूड उज्यांत लासताली तें दिसतालें. जळचा राशी थावन जन्नान आनी थोड्यानीं शेचिची निर्जीव कूड वोर्ते मिनतेन उकलन हाडन पयस दवरली. सगळ्या चिन्नहळ्ळिचो लोक आतां थंयसर जमल्लो म्हण्येत. रुकाक बांदून घाल्ल्या कडेन थावन दोरियांनी उमकळच्या लतीफाची दीषट मुकार जळचा राशिचेरच खंचोन आसल्ली ती हावें देकली.

मुकार कसलें क्रम हातीं घेंवचे तें कळानासतां सेजार्चा एका रायटाराक आपवन पोलिसांक फोन करुंक ताच्या बोंगल्याक धाडलो. शेचिच्ये कुडी भंवतीं जमल्लो लोक जळोन भयानक रितीन भेसां जाल्लें तें शरीर पळेवंक सकानासतां उदगार सोडतालो. जन्ना घड्येक एक पावटीं आपणाक मन जाता त्यापरीं बांदून घाल्ल्या लतीफाक शिराप्तालो आनी खोटायतालो.

लतीफाचें मुसकार सगळें फुटोन कूड सगळी रगतान तांबडी जाल्ली. म्हज्यान तें पळेवंक जालेंना. निमाणें हावें जन्नाकडेन म्हळें, "आनी ताका आपडनाका, थोड्या वेळान पोलीस येतेले आनी लतीफाक कितें कर्चें तें ते पळेवन घेतेले..."

"पोलिसानीं ताचें मोडें मात्र व्हरिजाय!" म्हणालो तो रागान दांत चाबोन. "ताणेंय वांचोंक न्हजो. हांव्च ताका मार्न मार्न लगाड काडतोलों" इतलें म्हणोन ताणे एक जळचें कोलीत राशी थावन आपल्या हातीं घेतलें आनी तें घेवन लतीफालागीं गेलो.

म्हाका लतीफाची भिर्मत दिसताली. सकाळीं थावन ताणे दाकयिल्ल्या ताच्या वर्तना मुकांत्र ह्या सर्व घटनांक पयलें केल्ली मांडावळ आसा आनी कितें तरयी मिसतेर हांतू लिपोन आसा तो दुबाव म्हाका मार्तालो तरयी कितें म्हळ्ळें तें म्हज्ये मतीक येनातल्लें.

आतां कोलीत घेवन लतीफा मुकार रावल्ल्या जन्नाक लोक सगळो आतुरायेन पळेयलागलो. ताणे एक पावटीं तें गाळी–शिरापासवें लतीफाच्या हर्द्याक दांबून पाटीं काडलें. भिरांकूळ बोब लतीफाच्या ताळ्यांतली भायर सुटली. म्हजें काळीज भेसां जाल्लेबरीं भोगलें म्हाका.

तक्षणां हांव मुकार धांवलों.

"जन्ना... रावय! तुका तो अधिकार दीवंक ना! ताका पोलिसांच्या हातांत दिता पऱ्यांत ताची जवाब्दारी म्हजी" म्हळें हावें ताका आडावन.

"म्हजो धनी तुज्या आळाच्या हातीं धडबडोन मोर्ताना तुजी जवाब्दारी खंयसर गेल्ली?" ताणे म्हाका पाटीं सवाल केलें.

चडावत लोक ताचे पक्षेक आसल्लो तें तांच्या नडत्या निमतीं म्हाका कळतालें. लतीफाक आदीं मांदतालो तो लोकय ताका उळटो रावल्लो.

जन्ना दुस्रे पावटीं कोलीत घेवन तयार जाल्लो.

कितें कर्चें तें म्हाका कळानातल्ल्या वेळार एदोळ जम्या मधें लिपोन आसल्लो खादर जो फातिमाचो मुकलो नोवरो म्हण लतीफान लेखल्लो तो आतां मुकार आयलो आनी जन्नाक हर्धें दीवन आड रावलो.

"ताका कितेंय शिक्षा दिंवची आसल्यार तें काम पोलीस कर्तेले. तूं कोण तेदो व्हडलो लतीफाक शिक्षा दिंवचो?" म्हणालो तो ताका सवाल घालून.

खादरय घटमूट तर्नाटो. एक पावटिंच्याक जन्ना वोगो जालो तरयी उपरांत तो लोकाक उद्देशून उलयलो.

"होयी मुसलीम... मुसलिमाक आमीं मार्तांव देकून ताची पाडत घेवन हो मुकार आयला." त्या संदर्भार ताचें हें उलवणें लोकाक भिगडांवचे तसलें जावंक पावलें. सर्व हरिजन आतां एका पक्षेन उलवंक सुरू करिलागले. इश्यांत जन्नान मुसलीम जातीक केंडून एक पोजडी गाळ दिली. तें आयकोन एदोळ मौन आसल्ले मुसलीम आतां रागान उचांबळ जाले.

"लतीफान चूक केल्या व्हय. ताचे एकल्याचे चूकीक तुवें सगळ्या जातिच्यांक कशें उलंवचें?" म्हळें खादरान ताळो उबारून.

ऊरल्ले मुसलीमय ताच्या ताळ्या बराबर मेळ्ळे.

"तुमचा जातिचान आमचा जातिचो एक जीव काडला. त्या जिवाक जीव पाटीं जावन लतीफाक तुमीं आमच्ये हातीं ओप्सिजाय" म्हळें जन्नान तितल्याच जोरान.

मुसलिमांचो संखो उणो आसल्लो तरयी ताणीं सोडन दिलेंना. एक पंगड जावन ते लतीफाक आड रावले. हिंद्वांचो संखो बळ आसल्लो.

आतां हें हात मिकवोन एका थावन एकाक वचोन व्हडलो गलाटो जांवचो संभव आसा तें समजोन हांव तांचे मधें पडलों आनी दोनी पाडतिंक समाधान करुंक म्हजी चलाकी वापारली तरयी फायदो जालोना.

आनी ह्याच वेळार जम्या थावन एक चली मुकार आयली आनी रागान उचांबळ जाल्ल्या जन्ना मुकार रावली. ते चलियेचें तोंड पळेल्लेंच जन्नाचें तोंड सगळें वर्णांतर जालें.

'हाका खंयसरगी पळेलां' म्हळ्ळें चिंतून आसतानां फक्कर्न म्हाका उडास आयलो. सकाळीं म्हाका भेटुंक आयिल्लें लक्ष्मी तें जावनासल्लें.

लक्ष्मी जन्नाच्या तोंडाक पळयित्त खडाखड उलयलें "तुज्या जातिचो मोग काल रातीं खंय मेल्लो? तुज्याच जातिचीं हांव. तुमीं म्हजेर अत्याचार चलवंक प्रयतन कर्ताना त्या मुसलिमान म्हाका बचाव केल्लो". म्हणालें तें लतीफाचे कुशीन हात दाकवन. लोक सगळो स्तब्द जालो.

घड्ये भितर वातावरण बदलाल्लें पळेवन जन्ना कालुबुलो जालो आनी "तोंड धांप, तुज्या संग्तिंक आनी हाका कांयच संबंध ना. तुका हांव वळकोन नेणांच" म्हणालो तो भुजां हालावन.

आपल्या तोंडांत आसल्ली थिंपी 'थुक्क' कर्न जन्नाच्या तोंडार उडयली तिणे.

त्या हळ्ळेक पर्की जाल्ल्या लक्ष्मिचें वर्तन लोकाक मिसतेराचें जालें जाल्ल्यान तो सगळो लोक ताका कान दोळे सोडन पळेलागलो.

लक्ष्मी लोकाक फूड करून रावलें

"काल म्हज्या मावळ्याक पयश्यांची आशा दाकवन म्हाका पियेवंक लावन त्या सरल्ल्या कामूक शे ीक बली दिंवचे खातीर, ह्याच म्हज्या जातिचान म्हाका गाड्येर घालन ह्या चिन्नहळ्ळेक हाडल्लें. आनी रातीं हो लतीफ न्हय तर एदोळ हांच्या घासांत म्हजी कूड भेसां जाती", म्हणालें तें रडोन.

"तो लतीफ भिर्मत बावडो. दोन महिन्यां आदीं ह्याच शे विर्वी पाड जाल्लें ताचें फातिमा, आमीं घरा पावताना निराशेन आनी लजेन संसाराक पाट करून दोरयेर उमकाळतालें. त्या उपरांत लतीफ पिसो जाला. रातीं ताणे फातिमाचें मोडें खंयसरगी वावयलां आनी लिपयलां", म्हणालें तें.

लोका मुकार जन्नाची तकली बाग्वाली.

जन्नाची खबर आयकोन देदेस्पार जाल्लो खादर आतां रभसान जन्नाच्या आंगार उडलो.

पूण त्याच घड्ये लागसार जळोन आसल्ली सोर्मुणाची रास देवाचे महिमेन म्हळ्ळाबरी कुशीक मालवाली आनी मुकल्ये राशिचेर पर्ताली.

लोक सगळो उटाउटीं थंयसर धांवलो. लोका जमो चड आसल्लो जाल्ल्यान थोड्याच वेळा भितर पडल्ली रास दूसऱ्या राशी थावन लोटून विंगड केली. आनी उज्याचो भर जातातितलो उणो केलो.

आतां पर्ताल्ल्या राशिकडेन जमल्ल्या लोका मधें गलाटो आनी बोबाट सुरू जाली.

कितें जालें म्हण पळयताना आन्येक निर्जीव शरीर त्या राशी मुळा थावन लोकान उकलून देगेन केलें...!

आतां तांचो आकांत तो सांगचो न्हय!

कारण ती निर्जीव कूड जावनासल्ली फातिमाची! उज्यान जळोन गेल्ली तरयी वळक धरुंक कषट जालेनांत.

आतां लोक सगळो घुस्पडल्लो. दोरयेर उमकाळचो लतीफ फातिमाच्या कुडीक पळेवन बोबाटतालो. खादराचें रडणें तें सांगचें न्हय तसलें जावनासल्लें.

सगळें पिंतूर म्हज्या दोळ्यांक आतां रूप रूप दिसताशें म्हाका भोगतालें.

लतीफाच्या वर्तनांनी कुडके कुडके जावन म्हज्ये मतिंत घुस्पडायताली ती काणी आतां संपूर्ण थरान घडसोन आयिल्ली.

फातिमाक उकलून लोकांनी पयस हाडताना लतीफ बोबाटलो–

"त्या शेतिलागिंच ताका निदाया.... म्हज्या जातिंतलें न्हय... हावें ताका तुमच्या जातिच्याकडेन काजार करून दिलां..."

ताचे विळाप आयकोन पयलें ताका शिरापलोलो लोक मौनपणीं आतां ताकाच पळयतालो.

पूण तो पर्तूनय बोबाटतालो–

"खादर, तूं ताका आपडनाका...तें शेतिचें उसटें... हावें ताका ताचेलागिंच काजार केलां..."

म्हज्या दोळ्यांतल्यान एकाचफरा दुखां उसाळ्ळीं. तीं पुसून हांव पाटीं घुंवताना, मेरेंतल्यान चडोन येंवचे पोलीस म्हज्ये नद्रेक झळकाले!

***000***

## आशावादी प्रकाशन (२००२ थावन) यदाहां जीवामी अहमाशांसे

**2002**

**आशावादी** (वल्ली क्वाड्रस)

**2003**

**च्यार मुखां** (वल्ली क्वाड्रस)
**जिविता सोभाण** (जोर्जी पींत आयकोळ)
**खिळो** (वल्ली क्वाड्रस)

**2004**

**कटपुतळी** (वल्ली क्वाड्रस)
**कयद्याच्यो कविता** (एच्चेम)
**व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या** (आंड्र्यू एल. डी' कुन्हा)

**2005**

**विंचणार चिंताप आनी भगणां** (जेम्मा पडील)
**सतां आनी खतां** (वल्ली क्वाड्रस)
**सर्गावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोतियां आनी तारां** (वेवेगळे कवी)
**कवितापाठ - १** (वल्ली क्वाड्रस)

**2006**

**पाटीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**बामुणांचें चेडूं** (एच्चेम)
**दर्भारांतली पिंर्गोण** (वल्ली क्वाड्रस)
**दर्याक उदाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (वेवेगळे कवी)
**पाटीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)

**2007**

**आडोसांतलीं फुलां** (आसटीन डी' सोज प्रभू)
**आटव्या रंगाचो धोणू** (मेलवीन जे. वास)
**शिंपडलेलीं मोतियां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मुखां पाटलीं रुपां** (अनील पेनाल)
**मोळबावयलीं स्वपणां** (वल्ली क्वाड्रस)
कुल्कुलो (सिज्येस ताकोडे)
तिंतेरांत पिंतुरां (वेवेगळे कवी)
काळोक नातल्लो गांव (वल्ली क्वाड्रस)

**2008**

**म्होंव आनी मूस** (मेलवीन पिंटो नीरुडे)

**2017**

**बंध** (वल्ली क्वाड्रस)
**अपवित्र संबंध** (वाल्टर लस्रादो)
**सगावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**बजार** (कानडी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**मुगदनातलीं गितां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोनी बोब** (जोन सुंटिकोप्प)

**2018**

**बजार** (नागरी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**पाटीं परतल्लीं ल्हारां** (वाल्टर लस्रादो)
**तान** (प्रसन्न निड्डोडी)
**बायील बम्मुणू** (वसुधा प्रभू)
**सुक्ती भर्ती** (वल्ली क्वाड्रस)
**पडबिंब** (रीटा आल्भुकर्क)
**काळजा उडी** (रोशुबाबा, बार्कूर)
**चाबूक आनी हेर कथा** (रोनी मोंतेरो, कटपाडी)
**पर्नो रूक आनी तर्नी वाल** (एवरी पांगळा)
**शिमटी आनी हेर कथा** (स्टेनरो अजेकार)

**2019**

**कंगाल कुक्केहळ्ळी मत्तू कतेगळू** (वल्ली क्वाड्रस)
**एक नवो संसार** (मा| चेतन कापुचीन)

**2020**

**नवी दिशा** (मोनिका मथायस)
**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके)
**कोंबो आनी झूज** (स्टीफन पिंटो)

Email: ashawadi@gmail.com Web: www.ashawadi.com WhatsApp: +91 7021967880